वर्णमुद्रा

वर्णमुद्रा

इ–नेमाळें
(मुद्रित प्रत,
फकत खासगी वितरणाखातीर)

अंक आठवो / एप्रिल–मे–जून 2026

देणगी मोल : रु. 150/– (मुद्रित प्रतीखातीर)

संपादक : शैलेंद्र मेहता

अनुक्रमणिका

। भायलें चित्र ।
लीझल कॉता डिसोझा
। भितरलीं रेखाचित्रां ।
प्रसाद पानकार, माधव बोरकार
। सुर्वेचीं कांय उतरां ।
शैलेंद्र मेहता
पडसाद : राजन फुलारी
। कविता (पावलां आनी नाद) ।
माधव बोरकार, धर्मानंद वेर्णेकार, सलोमी मोगरनाड, समीर झांटये, विजया नवीन शेळडेकार
। स्मरणसुक्त ।
चम्पावतच्या डाक बंगल्यांत : चंद्रकांत केणी
। कला, चित्रां, रेखाचित्रां, छायाचित्रां ।
म्हजो वावर म्हज्या भोंवतणच्या वाठारांतल्यान प्रेरीत : लीझल कॉता डिसोझा
– एल आल्तावोज
। कथा ।
मोर्नाची तयाराय : डॉ. एडवर्ड एल. नाझरेथ
39 : मिलिंद म्हामल
। भावपणाचो सोद ।
भग्नावशेशांतल्यान भोंवपी साहित्यकार: लास्लो क्रास्नोहॉर्काय : शैलेंद्र मेहता
। लेख/ ललित लेख/ टिपण/ मुलाखत ।
हांव वाचूंक सोदतां म्हजी वळख : एस. डी. तेंडुलकार
मनु स. पिल्ले : नव्या भारताचो तरणाटो इतिहासकार : विद्या कामत
पयसुल्ल्या गांवांक, विसरिल्ल्या उतरांक आनी गोंयचे मातयेक जोडपी एक सोद :
व्हिक्टर ह्यूगो गोम्स
। गंभीर वा मजेशीर ।
आणिबाणींतली शिस्त : दामोदर घाणेकार
सोशल मीडियावयल्यान : सहज याद जाली : जतीन नायक
काणीकणी : दादा हेगडे

। निर्मिती आनी वितरण साहाय्य ।
भाग्यश्री बनहट्टी, दिनेश मणेरकार

* नोंद : फाटल्या अंकांत कृपाली नायक हाणीं बरयिल्लो 'भोवजनीय नदरेंतल्यान पुंडलीक नायक आनी एन. शिवदास हांच्या कथांचो तुळात्मक अभ्यास' हो लेख आशावादी प्रकाशनाच्या सौजन्यान छापिल्लो.

सुर्वेचीं कांय उतरां

गोंय बदलत आसा. दरेक गोंयकाराक तें खबर आसा, ताका तें जाणवता आनी ताचे विशीं दरेकलो उलयता. पुर्तुगेज काळांतलीं घरां, शेतां, दोंगुल्ल्यो, न्हंयो, दर्यादेग काँक्रीटा खाला ना जातना गोंयकार निराश जावन पळयता. आपली खाशेली संस्कृतीक अस्मिताय, पर्यावरणीय समतोल आनी सामुदायिक जिणे पद्दत हांचेविशीं अभिमान बाळगुपी हें सुपल्लें राज्य अनुमानात्मक भांडवल, विलासी पर्यटन आनी रियल इस्टेट लोभ हांचे खेळां मैदान जालां.

ही शोकांतिका म्हळ्यार उदरगत न्हय. आधुनीक मुळावी बांदावळ, रोजगार संदी, अर्थीक वाड हें सगळें गोंयच्या हक्काचें. पूण राज्या भायल्या बळिश्ट बिल्डर आनी विकसकांनी गोंयाक जिवी सांस्कृतीक सुवात मानिनासतना प्लॉट करून विकपाची वस्तू कशी मानल्या आनी हांगाचे आप सुवार्थी राजकारणी आनी तडजोड केल्ले नोकरशाय यंत्रणेक लागून गोंयची पावणी चल्ल्या.

हांगा रातीभितर दोंगुल्ल्यो कापतात. पयशांची पोटली घेवन तयार आशिल्ल्या धनदांडग्यांच्या इत्से प्रमाणें रानांचें वर्गीकरण करतात. गांवांतले परंपरीक रस्ते अचकीत मेगा प्रकल्पां खातीर कॉरिडोर जातात. गोंयकारांक न्हय तर गैरहाजीर गुंतवणूकदारांक आनी ''खास अणभव'' सोदपी भायल्या गिरेस्त लोकांक जाय आशिल्ल्या गेटेड व्हिला आनी कॉलनींक सुवात मेळोवपा खातीर पोरनीं घरां मोडून गावांचें गांव उध्वस्त जातात. शेतां लागवड नाशिल्ल्यान पडींग उरतात आनी तांच्या जाग्यार विलासी टावनशीप वयर सरतात. जायत्या गांवांची मळब रेखा आतां गोंया सारकी दिसना; ती रियल इस्टेट ब्रोशराचें पान कशें दिसता.

खासा भिरांकूळ गजाल म्हळ्यार गोंयचे समाजीक आनी संस्कृतीक जिणेचें पद्दतशीर वस्त्रहरण. गोंयची वळख फकत दर्यादेग आनी रातीकडेन उपभोग घेवपाचें ठिकाण अशी केन्नाच नाशिल्ली. शेंकड्यांनी वर्सांच्या सहअस्तित्वांतल्यान, गांवच्यो कोमुनिदाद परंपरा, थळावी वास्तुकला, कोंकणी भास, संगीत, उत्सव, शेतकी जिणेंतल्यान आनी मनशाच्या रावपाच्या आनी सैमाच्या नाजूक संबंदा वरवीं ती वळख निर्माण जाल्ली. गोंयचो गांव फकत भूगोलिक एकक न्हय; ती एक संस्कृतीक पर्यावरण यंत्रणा.

आयज ती पर्यावरण यंत्रणा कोसळटा.

नियंत्रण नाशिल्ले रियल इस्टेट भांडवलाचे कृपेन जमनीचें रुपांतर वांटून घेतिल्ल्या संस्कृतीक संसाधनांतल्यान अर्थीक साधनांत जालां. जमनीचे दर सादारण गोंयकारांच्या हाता भायर, मळबा लागीं पावल्यात. गोंयकार तरणाट्यांक आपल्याच गांवांनी घरां विकतीं घेवंक परवडनात.

हें विडंबन वेदनादायक. गोंयांत गोंयकार परकी जावपाक लागल्यात.

ह्या रुपांतरा फाटल्यान विकासक, राजकारणी आनी नोकरशाय हांचे हितसंबंद आसात. ताणीं नेम आनी कायदे आपल्याक जाय तशे बदलल्यात. बळिश्ट प्रकल्पां खातीर पर्यावरणीय मंजुरी गूढ रितीन यत्ना विरयत मेळटा. बेकायदेशीरपण नियमित जाता. पैसो आनी सत्ता आशिल्ल्यांखातीर फायली बेगीन हालतात जाल्यार सादारण नागरिक वर्सांचीं वर्सां मुळाव्या परवानग्यां खातीर झगडटात.

खाजगी फायद्याक न्याय दिवपा खातीर राजकारणी ''लोकहिताची'' भास परत परत उलयतात आनी विरोध करपी वावुरप्यांक ''उदरगत विरोधी'' म्हणत हिणसायतात. पूण खरे उदरगतीचो अर्थ राज्याची पर्यावरणीय आनी संस्कृतीक बुन्याद नश्ट करप असो जावंक शकना. थळाव्या समाजाक दुबळो करून मुठभर बिल्डरांक समृद्ध करपी मॉडेल म्हणल्यार उदरगत न्हय. ती लूट.

लेखक, कवी आनी हेर सर्जनशील कलाकारांखातीर सगळ्यांत चिंतेची गजाल म्हणल्यार, ह्या नेटान जावपी रुपांतरा वांगडा जावपी संस्कृतीक ह्रास. कोंकणी गोंयचो जीव पूण दिसपट्ट्या वेव्हारांत ती दुय्यम जाल्या. परंपारीक वेवसाय, समुदाय बंधनां दुबळीं जाल्यांत. उत्सव हे थळाव्यांखातीर सामुहीक अणभव जावंचे परस पर्यटकांच्या उपभोगा खातीर सरकारी आशीर्वादान उधळपट्टीचे अड्डे जाल्यात.

ह्या संकश्टाक मानसीक आयाम लेगीत आसा. जायत्या गोंयकारांक आपले मायभूंयेंत आपलो आवाज कोणाकूच आयकूंक येना अशें दिसता. अर्थपूर्ण सहभाग नासतना वयल्यान लादिल्ल्या निर्णयांचो ते साक्षीदार आसतात. राजकी सत्ता थळाव्या आकांक्षां परस चडांत चड कॉर्पोरेट हिताची सेवा करता, अशें तांकां दिसता. ह्या परकीपणाक लागून सत्ताकारणा विशीं तिडक, चिंता आनी अविस्वास निर्माण जाला.

पूण हें सगळें आमच्या साहित्यांत खंय दिसता? पुरस्कार आनी नामना हांचेफाटल्यान लागिल्ल्या आमच्या साहित्यकारांच्यो संवेदना लासून गोबोर जाल्यात. आत्मसंतुश्टीच्या चिखलांत लोळपी मनीस सर्जनशीलतेचो आनी नवनिर्माणाचो सगळ्यांत व्हडलो दुस्मान. आमचें साहित्य म्हळ्यार फकत पोरकट अभिव्यक्ती आनी आदल्या काळांत अशें आशिल्लें आनी तशें आशिल्लें हाचे भपके मारपी भरिल्ल्या पोटावयले धेंकर इतलेंच उरलें जाल्यार आमकां कोण लेखतलो, हाचेर गंभीर विचार जावपाची गरज आसा. वाचपी उणे आनी बरोवपी चड अशी परिथिती येवची न्हय, कारण बदलपी समाजाचें आनी संस्कृतीक परिदृश्याचें चित्र मतींत दवरिनासतना बरयिल्लें साहित्य केन्नाच वाचपासारकें नासता.

शैलेंद्र मेहता

कूड आनी आत्म्यान परत घरांत येवप कोंकणींतलो म्हजो प्रवास

दरेक कलाकाराच्या जिवितांत वेवसायीक मान्यतायेक हुपून वचपी खीण आसतात. आयज तेच खोलायेन वैयक्तीक, मार्मिक मार्गदर्शक वाटचिऱ्यां मदलो हो एक.

म्हजो कला प्रवास आनी एक अंतरंग उक्तावपी, चिंतनशील मुलाखत 'वर्णमुद्रा' (जानेवारी-फेब्रुवारी-मार्च 2026) च्या अंकांत आयल्या हें सांगपाक म्हजें काळीज भरून येता. म्हज्या मुळांची, म्हज्या भुरगेपणांतली, आनी म्हज्या काळजाक सगळ्यांत लागीं आशिल्ली भास, कोंकणींत म्हजी काणी बरयिल्ली, वाचिल्ली आनी जाणवल्ली पळोवप म्हणल्यार हेर खंयच्याच प्रकारा वरवीं शक्य ना अशे तरेन परत घरा येवप.

कला ही एक सार्वत्रिक भास, पूण आपल्या सृजनशील उत्क्रांतीच्यो बारीकसाणी आवयभाशेंतल्यान उक्तावपाक एक आगळीच, उलोवंक नाशिल्ली पवित्रताय आसता. एक प्रक्रिया पुराय जाल्या कशें दिसता. म्हाका आकार दिवपी मातयेची आनी म्हजे नदरेक इंधन दिवपी संस्कृतायेची ती एक गवाय.

म्हज्या मार्गाक मान दिल्ल्या खातीर आनी ह्या चिंतनांक सोबीत सुवात दिल्ल्या खातीर वर्णमुद्राच्या पंगडाक म्हजे खोलायेन, काळजा थावन दीनवास.

संपादक शैलेंद्र मेहता हांकां खासं, मनाकाळजांतल्यान हांव दीनवासतां. तुमचो अखंड आदार, वर्णमुद्रा खातीर तुमची दूरदर्शिता, आमच्या आवयभाशेंतल्या कलाकारांक आवाज दिवपाची तुमची वचनबद्धताय हाका लागून हें शक्य जालां. हाचो खरो अर्थ म्हजे खातीर पुराय संवसाराएदो.

हीं पानां पळयतना म्हाका याद जाता, म्हजो दरेक स्ट्रोक, दरेक क्युरेटरी निर्णय आनी दरेक संशोधन प्रकल्प. निमाणे आमी कोण ह्या सत्वा कडेन जोडपाचो हो यत्न. आयज तो संयोग पुराय अशें दिसता.

बरें मागून.

राजन फुलारी
नवी दिल्ली

माधव बोरकार



1

कागदार
बरयल्ल्या अक्षरांक
फुटलीं पाखां
कागदार
उदेल्लीं अक्षरां
जालीं अर्थाचीं घरां
कागदावेल्या अक्षरांचीं
व्हडीं केलीं
न्हंयत सोडून दिलीं
खंयच्या पल्ल्याक लागलीं
♦♦

2

पर्मळाची काणी फुलांच्या प्राणांनी
मळबाचें मन दंवाच्या थेंब्यानी
बांदली माथ्यार कुपांची घुमटी
पेटल्यो पाणयांत नखेत्रांच्यो ज्योती

काळोख मनांत जपतां जपतां
उजवाड मनांत ओंपतां ओंपतां…
♦♦

3

कृष्ण निळें मळब
एकसुरें कूप
सांडलें तळ्यांत रूप

तळ्यार ओणवीं झाडां
सावळ्यांचें पाणी
उमळटा गूढ गाणी
♦♦

4

पाझरता पानांनी वताची सावळी
सपनेता दोळ्यांतली गूढ बावली
लखलखता दीठ, पर्जळाचो बोल
माथ्यार सूर्या सावरता तोल

घुमता कानांत सावळ्यांची धून
मनांतली राधा जागी अजून…
♦♦

5

मिट्टा फुलांनी मोनी सांजवेळ
फुट्टा कवितेक भिऱ्यांची वळ
वाऱ्याच्यो तानो मानीच्या बेटांनी
भिजता गाणे सांवळ्याच्या वाटांनी

मनांत अळंग चांदन्याची चाल
वाजता तालांत पारज पावल…
♦♦

पानां

कितलीं बरयलीं
कवनां
हांव कांयच मेजिना
जिणेचीं रितीं पानां
परतीतना…
♦♦



धर्मानंद वेर्णेकार

एकांत

अस्वस्थ तो.
गाठी सोडयत सुत उसयत रावचें,
तशें उलोवप ताचें
तुटक तुटक...
धाग्याधाग्यांनी उलयतालो
उलयत उलयत
थकतालो तो.

म्हजी कविता ताचो स्वास.
''हातूंतलो एकांत काड आनी दी म्हाका.
उतरांचे सांगाडे चड नाचोव नाका''
--तो फूसफुसतालो,
केन्ना रागान...केन्ना मोगान
केन्ना फकत नदरेंत....
रातयेच्या काळखांत मळबांतले नखेत्र
निखळून पडचें अचकीत
आनी खीणात शेंणचें अंतराळांत,
तशी नदर ताची!
''जो स्वास आमी घेतात आनी सोडटात,
त्या स्वासांतल्या उतरांनी आमी कितें जोडटा
जेन्ना स्वासूच उधार घेतिल्लो आसता?''
--एक लांब स्वास भीतर घेयत तो विचारता.
इंतेराच्या घांटीची गाज ताच्या प्रस्नांत.

''जेन्ना उतरां स्वास घेतात, एकांत वितळून वता..'
सूर्याचे नदरेन देगेवेले धुकें वितळत वचचें,
तशी उतरां ताची!

कांय खीण मौन ताचें....
काळजाच्या दोन ठोक्यांय मदली शांतताय
ती!
मर्दी दांग मारीत ल्हान भुरग्यावरी तो हासता.

''एकांत सोदतल्यानी हातार काळीज
बांदचें,घड्याळ न्ही !''

हासत हासत तो वता.
वता वता काळीज कॅन्वसार
आनी घड्याळ देगेर दवरून वता.
♦♦

बायोपिक

'परतीचे वाटेर'
बायोपिक म्हजी
तुवें बरयल्ली
आयज
चंदेरी पड्ड्यार....

हावसफूल....
पयसुल्लें लागील्लें
तुजें म्हजें सगलें
थेटरांत.
ऑक्लां रंगीत दोळ्यांर

थ्री-डी न पळोवपाची उमळशीक!
परतीची वाट म्हजी
७० एम एम पड्ड्यार....

पड्ड्यार देग....
देगेर
पावलां कुरवो
म्हज्यो, म्हज्याच मुखार....

परतीचे वाटेर
आरते
मैलां फातर ते....
जिवीत
सामकें थ्री डी न दोळ्यां मुखार.
सगले कांय म्हज्यान म्हज्यान
दर्या... ल्हारा, चित्रां....उतरां
नातीं... संबद,
इश्ट.... दुस्मान
तूं....
आनी खांदों दिवपी ते चारजाण.

व्वा!
सुरवात फ्लॅशबॅकान.
टायटल्स सुरु जातात....
जो तो आप आपलें नांव सोदता पड्ड्यार..
♦♦

उमळतेंगशी

मळब माथ्यार घेवन भोंवलों
आनी कूड वांगडा
इतलीं वर्सां.

एक अशीम रीतेंपण
मळब म्हळ्यार
आनी कूड ही,
तळें बुडबुड्यांचे.

आनी
जागप म्हळ्यार जगप न्ही.
रातभर सारयतां हांव वांगड तुजो
कॅनव्हासार....
तुजी तकली म्हज्या खांदार
म्हजे छातयेर तुजो हात
पांय घुस्पल्यात ल्हारां ल्हारांत
दोळ्यांत दिगंत
कविता ओठांत
व्हांवता देग
शिरंतरांत.

पूण ही उमळतेंगशी
म्हळ्यार कविता न्हय.
ल्ह्यूच कुशीक काडून दवरतलों
तुवें मारिल्ली वेंग
आनी तुका सांगनासतनाच
वतलों हांव
एक दीस....
♦♦

शेणिल्ली लगेज

अचकीत तूं दिसता
जनेलांत.

विरुद्ध दिकेन वचपी दोन रेलगाडयो
आनी आमी दोगांय.

प्लॅटफार्मार सुकतेची शांतताय.
पयस पयस वचपी ल्हारां
पयस सावन म्हऱ्यांत येवपी ल्हारां...

तूं देंवता प्लॅटफार्मार
प्लॅटफार्मार फकत तूं आनी हांव.
तूं उलयता. हांव आयकतां
तूं आयकता. हांव उलयतां
भान ना.
फाटसावन दोनूय रेलगाडयो सुटल्यो केन्नाच.
लगेज शेणटा....
आता मुखावेलो प्रवास विदावट लगेज.

''लगेजींत कितें आशिल्लें?''
''सपनां!''
''तुजे लगेजींत...?''
''यादी!''
''तूं खंय वतालो''
''देगेर.''
''हांव देगेसावन आयलां''

हांव खंयूय आसूं
एक वाट तिनसांजची
चलत येता म्हजे मेरेन
घेवन वता म्हाका दर्यादेगेर....
ही देग
एक रेल्वे प्लॅटफार्मसो.
हांव म्हजी शेणिल्ली लगेज सोदतां
देगेर.... तिनसांजचो.

♦♦

पटकथा

निमण्या खिणाक
मनशाचें जिवीत हें एक ब्लॅक ॲण्ड व्हायट चित्रपट जावन उरता.

तुका लाकूड घालतना
एक अफलातून कल्पना पेट्टा मनांत...
तुजी कूड गुठलायिल्ल्या धव्या कपड्याचीच स्क्रीन करुन लावंची मसणांत
आनी करचें प्रदर्शन.

मनशाचें मन हो एक प्रोजेक्टर,
तू म्हणटालों न्हय!
तरी तुवेंच थारावचें
काणी तुजी एक
आनी
पटकथा विंगड विंगड,
तुज्या अंत्यसंस्काराक आयिल्ल्या दरेकाच्या मनांत.

♦♦

सलोमी मोगरनाड

बाबुलो सांगता..

पाचव्या पाचव्या
गांवांत म्हजा
दोगांय असात
आब आनी मांय.

हांगा आमी
फिचार जाल्यांव
उटच्या फुडें
बस येता
ऊरल्ली नीद
बस्सार जाता..
ब्रेक फास्ट
मम्मी बांदुन दिता
इस्कोलांत हांव
सुटवन खातां !

मम्मी डॅडी
केन्नांय व्यस्त...
दफ्तरा टेन्शन
हांगा हाडतात
रागान ते झगडन पडतात!
मदें गेल्यार म्हाका
मार पडतात!

वर्सांत एक पावटी
रजा मेळता
त्या रजेर गांवाक
वचुंक असता!
ती रजा वेगिंच येंवच्याक
सदांच हांव
मागणें करतां!

आब मांय थंयसर
आमच्या येण्यांक
राखुन रावतात
तोंडार तांच्या
अंजाळ हासो
वर्साक एकच पावटी
पळेवंक मेळचो!
हासो पळेवन्च
पोट भरता तरी..
तांचीच भुरगीं हांगा
कामां निमतीं
हासोंक विसरतात
मोग दिंवच्या बदलाक
टॅब, मोबायल दितात!

चार वोणतीं भितर
यांत्रीक जिणी आमचीं
शेजारा कोणायची
वोळक ना!
तांकाय कोणायचें
पडोन वचुंकना!

गांवाक पावल्लेंच
आब_मांयचों
मोग मेळता!
सोयऱ्यांगेर
भोंवडायतात.
आंबे, पेरां,
बोरां, पोणस
जांबळां, बेणसां
आनास म्हणून
मोगान खावयतात.
शेजरा घरांक
गुडे,दोंगरांक
गाद्यांक, तोटांक
आनी व्हाळ्यांत
जायते आमकां भोंवडायतात!

आब आनी मांय संगी
मजेन
दीस सारताना
म्हयनो कसो
काबार जालो कळ्ळोना

परत त्याच वोणती भितर
जिणी सारुंक
खऱ्यान म्हाका
मन ना!
मम्मी-डॅडीक कोणें सांगचें?
म्हाका पयलेंच धयर ना!

दीस आनी_रात सदां
तुमी म्हज्या
लागिंच जाय
ए आब आनी म्हजे मांय!
तुमचो मोग
म्हाका जाय.
♦♦

म्हयन्या फुडें

फांत्या फारार
सोयरी मादम एकली
शेजरा घरा पावल्ली!

काजाराची वोवळीग दिल्लीच
ए.सी. थावन भायर येवन
इटे घाल्ल्या अंगणांत रावून उचांबाळायेन
दडबडोन धगीक शिरापताली!

घरच्यांक विदाय मागच्या फुडें
आपल्या वाहनाचीं रोदां
तणांवयर आसल्लीं पळेवन पुर्पुरोंक लागली!
''गेटी पऱ्यांत डामर घालुंक जाला,
भा. नात, ल्ल्यांक!
दाव्या कुशीन इतलोसो जागो सोडलां
कित्याक?''

गेटी कुंद्या मुळीं
रोदां पंदा अडचल्लें तण
जडाय चुकोवंक पेचाडतालें
डामरा पंदा खून जाल्ल्या
अपल्या कुटमादारां खातीर
दुकां गळयतालें

सूर्यो तो तापोन,
लिपोन रावून
सर्व देखतालो!

वर्सां उबलीं
मदामेचो पत्तो ना
पूण तिची पिळगी उचांबळ जाल्या
''वाहन रावुंक रूख ना

विशेव घेवंक सावळी ना
ताळ्याक वोतुंक उदाक ना‘‘
सूर्यो तो
लिपोन रावून सर्व देखतलो
अमूर पिको हासतलो
सूर्यो तो
सूर्यो तो....तोच!
ताका भेद भाव ना
ताका पिळगी ना!
कोणा वयर सळगी ना
♦♦

फरक

आमच्या रस्त्या देगेन, व्हाळा कुशीन
जल्मोन व्हड जाल्ल्या त्या झाडांक
कोणी मोगान पोशिनांत
कांयच जतन घेनांत!
तरी
तीं फुडारा खातीर पावसा उदाक
आपल्या तांकी व्हर्तें पुंजावन दवरतात!

त्या फुलांक कितलोय रंग,
सोबाय आनी स्वाद असूं
कोणी ताका हुंगाना!
भिर्मोत...पावशिले दीस संपतच
उदाक वोतची गत तांकां ना!
उदका सर्शीं वेची मांडावळ
तांचेथंय ना!
देखुन तीं वोताक सुकोन
भुकेन कंगाल जातात!

परदेशांतल्या रस्त्या देगेल्या
फुलां-फळां झाडांक नर्सरिनीं
हाडन सजवन दवरल्ल्या
कशी झाडांक हांगा भारीच डिमांड!
तांकां जतनेन हाडन
अंगणांत आनी घरा भितर सयत
मोगान सांबाळन पोस करतात!

अपल्याच प्रायेचीं भुरगीं
वडिलां संगी जयत अंगडी भितर
रिगोन पोटभर खावन
धाराळ वस्तूं संगी
पाटीं येतां पऱ्यांत
राखुन आसतात...आनी सपनेतात...
तीं रस्त्या देगेलीं
भुकेन वळवळचीं सोबीत अंजाळ भुर्गीं!
♦♦

आब आनी निसण

आबाक बारा गोरवां
गोरवांक एक गोटो
गोट्याक एक म्हाळो
म्हाळ्याक एक निसण!

गोरवांक भातेण घालच्याक तो
घड्येन घडिये
म्हाळ्याक चडतालो

नात्रांक आयलो दुबाव
देकून केलो पाटलाव

दयाळ आब
भातेणा संगीं
केळ्यांची सालयी
गोरवांक खावयतालो!
♦♦

मेटां

जिव्या सिमेंटिच्या वाटेर
हंकारान चलल्लीं मेटां
सासणाक ऊरलीं.
दुर्सोण्यांक
बरगाल आयलोच ना!

दरया तडीर
नेणारपणान
चलल्लीं मेटां
ल्हारांनी पुसून काडलीं
कोणाकी कळ्ळेंच ना!

♦♦

समीर झांटये

फोटो : दोन वर्जन्स

1.
सगल्यांच्या दोळ्यांत
मोबायलाच्यो स्क्रिनी
निमाणें मेळटलेच एकमेकाक
फोटवांनी

2.
सगल्यांच्या दोळ्यांत
दिसतात स्क्रिनी
निमाणे मेळटलेच सगले
इमेजींनी

♦♦

विश्लेशणांतल्यान कविता

रानांतल्या फुलांक
कोणाचो लळो
कोण करता तेंचो जल्म सोबीत
परमळाचो सुवाळो
आमी झाडां – फुलझाडां बी लायतात,
तेंची काळजी घेतात आनी आमी तशें करतात
म्हणून तीं आसात अशें दिसता. पूण
आमचे नदरे पेल्यान एक संवसार आसा
जो सुद्धा सोबीत आसा, स्वयंपूर्ण आसा.
आमच्या पॉलिश्ड जिविता इतलेंच रॉ
जिविताचेंय
सौंदर्यशास्त्र आसा

आतां अश्यो कांय गजाली तकलेंत येतात
मुळांत ह्यो वळी उत्स्फूर्त आयिल्ल्यो
हांगा ह्यो वळी आनीक वाडयल्यार
इंटरप्रिटेशन मर्यादीत जातलें अशें दिसता
एखाद्या कुवाड्या भशेन ह्यो वळी दवरच्यो
अशें म्हाका दिसता.

रानांतल्या फुलांक
कोणाचो लळो
कोण करता तेंचो जल्म सोबीत
परमळाचो सुवाळो
♦♦

मुमुरखी हांसपी कविता

एका लेखकाच्या सत्काराची पत्रिका –
जेचेर छापला ''साहित्यांत गरूडझेप घेतलेलो लेखक'',
हांवें वाचली मान बागोवन.

एका प्राध्यापकाची कविता,
वाचून दिसलें दरेक दादलो घेता जल्म बलात्कार करूंक
तेतूंत एक शब्दप्रयोग आसलो ''षंढांचो बाजार''.
ते म्हणटले, तुमच्या भानगडीनी आमची रे बाबा कित्याक मानहानी.
तिनसानां एकलो तावेर्नकाराक म्हणटा –
तूं हो धुपाचो वास घालून खऱ्या वासाचो धूप करूं नाका,
हीं येतात तीं जळारां न्हू, बेबद्यांचे आत्मे.
♦♦

एका अनुस्वाराची कविता

जळटा जळटा जळटा
जळटां जळटां जळटां
जळटां, जळटा जळटा
जळटां जळटां, जळटा
जगतां, जळटां जळटां
जळटा जळटा, जगतां

जळटा जळटा जगप गेलें जळून
जळटां जळटां सरण गेलें सरून
♦♦

मोरुलो

एका पांखान मोर जायना.
खबर आसा
...आनी पांखां पुंजायलीं म्हणून जावं येता मोर?
पुंजायिल्ल्या पांखांचो मोर ?

तसो म्हाका मोर आवडयना
पांखां फुलोवन नाचपी
आड्डत भोंवपी

मात म्हाका आवडटा पळोवपाक
मनशांचो मोरूलो नाच

म्हाका नाका एक पांख, म्हाका जाय
अख्खो कृष्ण.

कृष्ण सोदता एक पांख मोराचें
मोराचें एक पांख सोदता आपलो कृष्ण
♦♦

विजया नवीन शेळडेकार

नांव घेतां घेतां

नांव घेतां घेतां!! मन शांत जाता!!
खंत नाच्च जाता!! अचकीत!!
असलो जादु हो!! तुकाच जमता!!
भ्रम म्हणू येता!! आसतूय!!
कणां कणां तूंच!! खिणां खिणां तूंच!!
आदारूय तूंच!! भक्ताचोय!!
कितें खरें फट!! वाट तूंच आसा!!
विकल्पांत आसा!! संकल्पूय!!
मातयेंत आसा!! फातरांत आसा!!
दुर्बळाच्या खासा!! भक्तितूय!!
आत्म्याचे उर्बेत!! भक्ताच्या उल्याक!!
तारत रावंक!! विश्वाकूय!!
♦♦

बायल

खूब कश्टत रावली
मनां साबांळत कढली
भावना आटोवन बसली
स्वता जगप विसरली

बायल थोमण्यांत उरली
बळगें सांबाळत थकली
मनान पूराय बेजारली
तरी जीण जगली

आज जाग आयली
खोशये उमाळ्यांनी फुल्ली
मनान खंबीर जाली
स्वताच्या अस्तित्वाक जागली

ताकिचें बळगें वळखली
पावली मारपा शिकली
स्वता वळख पटयली
लाचारी फांफडून उडयली

बांयलांक पटोवंक लागली
मनां जागोवंक लागली
मतां मागूक लागली
स्वता उबी रावली.
जापसालदार

आपल्या पेल्याक सांबाळपाक
स्वतातूंच बळगें जाय
निश्ठेची कास धरपाक
मन दृढ जाय

कितेंय करता तातूंत
विश्वासाची खात्री जाय
देश विश्व सांबाळपाक
लोखंडाचें मनगट जाय

धिटायेन अखंडटाय पेलपाक
एकवटाचो समज जाय
अचकीत आयिल्या तुफानाक
अहिंसेची जोड जाय

जिणेंत फातर फोडपाक
तितलेंच खापेंपण जाय
पावला पावला कणकणी
सामर्थ्याची जाण जाय

विश्वांत शांती पसवपाक
सतत प्रेरणा जाय
मनां परिवर्तन करपाक
यत्नाची पराकाष्ठा जाय
♦♦

पिसो वारो

सुकण्या गितां पिसो
वारो धांवत सुटलो
वाटेर अचकीत कसो
झाडांक आपटून पडलो

त्याच धक्यान सकल
वारो आंबो चेंचलो
चाखूंन पळोवक धांवत
भुरग्यां चोमो जमलो

मजा कितली आंब्यातली
हाता बोटांनी चाखपाची
कळाशी कशी सादपाची
आप आपल्या तांकीची

आंब्या रसाची गोडी
जिबेर आमच्या दवरली
भुरगेंपणा यादीं झोपाळ्यार
नेटान व्हरुंन बसयली

पर्थून पिसो वारा
आंबा उडयत काय!!
खोस इल्ली चाखून
आपुण पळयत काय!...
♦♦

श्रावण

पांचव्या चुड्यांत कवंनां रचीत
पांचव्या शालुत शिंरगारीत
तोच तो आयला पळयात
मोरांपाखांत थयथय घालत
आयला बाये श्रावण पळयात

वज्राच्या झरींनी न्हाणयत
दवां धुक्यांत तोंण लिपयत
सृश्टीमायेची कुस परतत
लजत लजत पावली मारत
आयला बाये श्रावण पळयात

आयला बाये पळयात पोरसांत
म्होंवाळ वाऱ्या केळी गाभ्यांत
जायां जुयां मोगऱ्यां परमळांत
पृथ्वी मायेक चिप्प भिजयत
आयला बाये श्रावण पळयात

मुमुरक्या गालांर हांसो पिकयत
नवे कोंमरेन कोंमरी फुलयत
कळयेन कळयेर चैतन्य दाखयत
बसला दुर्वांर मोतयां झडयत
आयला बाये श्रावण पळयात

उजवाडा दिव्यांची आरास मांडत
आपोवणें धाडीत सणां परबांत
मेळुंया, खेळुंया वाटुंया श्रावणांत
आंगणां शितोड्यां फुलां झेल्यांत
आयला बाये श्रावण पळयात

गोड गोडशाची ताटां मांडीत
पंगतीर पंगती वाडत रावीत
नव्या जिवीतांची कोमरी फुलयत
उतरांतल्या पावसाच्यो यादीं राबयत
आयला बाये श्रावण पळयात
आयला बाये श्रावण पळयात
♦♦

सवायशीण

धुली नासत आयदनां, मनां निर्मळ केली
वात तेंवत दवरून, घराब्याची पणटी तेंवली
ओलसाणे परमळ भरतना, मुमुरखी हांसत रावली
मातशें सांगशी इतली, ओड भरून आसली

माये आयदन खतखतना, शीत सगळ्यां शिजयताली
कण भायर पडचोना, दायेन सारकी चाळटाली
ताटाक दवलो लागचोना, जतनाय कशी घेताली
कितलोय खवदळ चलतना, शांत मूर्त रावताली

जळोणी, विंचू दिसतना, वेवस्थित माड्डून वडयताली
आवयच्या नात्या जागतना, कुळारची नातीं राखताली
सुवयेच्या पोंतान शिंवतना, आपल्या पेल्याक सांबाळटाली
धागो सट्कन तुटचोना, हाचीच कळाशी लागताली

चार चोकोनाच्या घराब्यात, सत्याची मूर्त खरेली
घराब्याची सुन म्हणून, मानान कीर्त जोडटाली
शिकप नासतना लेगीत, बुदवंतकायेत ताण आसली
वेव्हार वेपार लेगीत, रोख ठोक मांडटाली

देवाचेच कर्तुप म्हणून, अशी जल्मा येताली
सासणांनी कूळ सांबांळत, दान धर्मानी राबताली
गे माये सवायशीणी, नमस्कार तुमकां करतां
तुवें सांबाळिल्ले मठयेक, सांसणाचो मान मागतां
♦♦

चम्पावतच्या डाक बंगल्यांत

चंद्रकांत केणी

चम्पावताक आमची बस सांजवेळा साडेचार वरांचेर पावली. सकाळी व वरांचेर आमी लोहाघाटाक बसींत बशिल्ले. सगलें आंग आळसावल्लें. हांव सकयल देंवलों आनी आळस झाडलो. म्हज्या फाटोफाट ती स्विडीश चलीय सकयल देंवली. एस. टी.च्या तिकेट ऑफिसा कडेन वता आसतना ते चलयेन म्हाका म्हणलें, ''तुगेली तिकेट घेता आसतना म्हजीय घे.''

तिकेट मास्तरान सांगलें कि चम्पावत आनी टनकपूर हांचे मदी पावसान दोंगराचे कडे कोसळिल्ल्यान आतां बस सुटची ना. फुडली बस फाल्यां सकाळीं णव वरांचेर सुट्टली. हांवें ते बसीच्यो तिकेटी मागल्यो तेन्ना ताणें म्हणलें, ''यो तूं. तुका तिकेट मेळटली.''

बस वच्ची ना हें कळनाफुडें ती स्विडीश चली काचाबूल जाली. आमी उलयता आसतना पांच-स पहाडी पोर आमचे भोंवतणी जमले. हांवें एका भुरग्याक विचारलें, ''हांगा बरें हॉटेल बी आसा!''

त्या भुरग्यान पहाडी भाशेंतल्यान जी जाप दिली तिचो अर्थ म्हाका सारको समजलो ना. पूण त्याच वेळार म्हज्यांतच उबो आशिल्लो एक मनीस मुखार सरलो आनी ताणें भुरग्यांक धांवडायलीं. म्हाका ताणें हिंदींत सांगलें, ''हांगा वयर माळयेर एक खाणावळ आसा. थंय जेवण मेळटलें. पूण थंय रावपाक बरो जागो ना. हांगा लागीच डाक बंगलो आसा. थंय तुमका बरो जागो मेळटलो.''

हांवें ताका विचारलें, ''म्हाका डाक बंगल्याची वाट कोण दाखयतलो?''

म्हज्या प्रस्नाक जाप दिनासतनाच तो बसी कडेन गेलो आनीक म्हजें सामान ताणें देंवोवन घेतलें.

उपरांत ते स्विडीश चलयेचेंय समान देंवोवन घेतलें.

आपणालें सामान देंवोवन घेतलां हें पळयना फुडें ते चलयेन विचारलें, ''घडलां कितें ?''

हांवें तिका किदें घडिल्लें तें सांगलें आनी तीय डाक बंगल्यांत वचूंक तयार जाली.

सादारण पंदरा दिसांचें खाड वाडयिल्लो तो मनीस त्या गांवचो न्हय अशें म्हाका तागेल्या हावभावावेल्यान दिसतालें. पूण हांवें ताका कांयच विचारलें ना. सामान उबारून तो चलूंक लागलो आनी ताच्या फाटोफाट आमीय चलूंक लागली. जिपीच्या एका मार्गान एक ल्हानशी दोंगुल्ली चडटकच डाक बंगलो आयलो. व्हरांदांत दोन वल्तेरां आशिल्लीं आनी मुखार सारकी जतनाय घेवंक नाशिली एक बाग. बागेचे पलतडीन चारूय वाटांनी मेकळें मळ, आनी क्षितिजा कडेन पावशी कुपां पांगुरिल्लो दाट निळो हिमालय. वातावरण एकदम प्रसन्न आसलें. अस्तमते कडेन सूर्य अस्ताक वचपाची तयारी करतालो. आनी शिंयान कुडकुडटल्या भुरग्यान व्हड निळी कांबळ पांगुरची तसो तो दिसतालो. हो देखावो पळोवन ती स्विडीश चली तर सामकीच पिशी जाली. ल्हान भुरग्यां भशेन ती नाचूंक लागली. खांदावेलो कॅमेरा काडून ती फोट्यार फोटे घेवंक लागली.

पूण निसर्गाच्या सौंदर्याचो आनंद आमकां चड वेळ घेवंक मेळ्ळो ना. माथें खरपीत आमचें सामान घेवन आयिल्लो मनीस म्हज्या म्हज्यांत आयलो आनी ताणें म्हणलें, ''साब, एकही कमरा खाली है, दूसरे कमरेमें इंजिनियरसाब टिके हुये हैं.''

ताच्या फाटोफाट बंगल्याचो चौकीदार उबो आसलो. बंद गळ्याचो कोट, ताचे सकयल धोंपरा मेरेन कवळिल्लें म्हेळें पुडवें आनी तकलेक माला भशेन मफलर बांदिल्लो.

म्हज्या आनंदाचेर विरजण पडलें. कितेंय तरी विपरीत घडलां म्हणपाचें ते स्विडीश चलयेक समजल्लें. ती कपलाचेर एक व्हड प्रस्नचिन्न हाडून म्हाका पळयत रावली. हांवें तिका कितें घडिल्लें तें सांगलें.

''मागीर हुस्को कसलो!'' तिणेंच म्हाका परतो प्रस्न केलो.

म्हजी अडचण तिका समजना हाचें म्हाका अजाप जालें. ती व्हडाव्हडान हांसली आनी तिणें म्हणलें, ''कांय पर्वा ना. आयची रात आमी एकेच कुडींत रावया.''

म्हाका ही कल्पना विचित्र दिसली. पूण हांव काय उलयलों ना. हांवें त्या मनशाक आमचें सामान कुडींत व्हरून दवरूंक लायलें आनी चौकीदाराक तीन कप च्या करूंक सांगली.

सामान दवरून येवन तो मनीस निरोप घेवंक लागलो तेन्ना हांवें ताका खुणेनच राव म्हण सांगलें आनी पर्थून पावशी कुपांआड हिमशिखरां दिसतात काय म्हणून सोदूंक लागलो. पूण म्हजें चित्त आतां सोबीत सैमा कडेन ओड घेना जालें. म्हाका रावन रावन राती कडेन खंय न्हिदचें हाचो प्रस्न पडटालो. सकाळीं लोहाघाट सोडिल्लो आनी दीसभरच्या प्रवासान म्हाका सामकें पुरो जाल्लें. रातभर बरी न्हीद आयली जाल्यार सकाळीं ताजो जावन उठटलों अशें येवजून हांव डाक बंगल्यांत आयिल्लों...

चौकीदारान च्या तयार जाल्ल्याची खबर दिनाफुडें हांवें ते स्विडीश चलयेक आपयली आनी आमच्या सांगातान आयिल्ल्या मनशाक घेवन कुडींत आयलों. व्हारांदांत दोन वल्तेरां आशिल्लीं. हें पळोवन मनांत म्हणलें, वेळ आयल्यार हांव व्हारांदांतच न्हिदन. आनी मागीर आंगावेलो घोयरांव झाडचो तसो हांवें न्हिदपाचो हुस्को काडून उडयलो आनी कुडींत भितर सरलों.

कुडींत एक रुंद खाट आसली. एक मेज. मेजा भोंवतणी चार पांच कदेलां. कुशीक एक ड्रेसींग

टेबल. जोडून बाथरूम. बाथरुमाचें दार उकतें करून पळयलें. थंय एक युरोपियन पद्दतीचो कमोड आसलो.

मेजार च्याची ट्रे आशिल्ली. ते चलयेन तीन कोपांनी च्या घाली आनी साकर खिरायत एक कोप म्हज्या हातांत दिलें. हांव मेजा कडल्या कदेलार बसलों. आमचे बरोबर आयिल्लो मनीस आपलो कप घेवन व्हारांदांत गेलो.

च्या हुनहुनीत आशिल्ली आनी करपय बरी जाल्ली.

ते चलयेन म्हणलें, फाटले पंदरा दीस हांव हिमालयांत भोंवतां पूण इतली बरी च्या म्हाका खंयच मेळ्ळी ना.

खबरेंतल्यान खबर येवन म्हाका कळ्ळें कि ही चली एके खास वनस्पतीचो सोद करपा खातीर ह्या भागांत आयिल्ली. मायावतीक रामकृष्ण मिशनचो आस्रम आसा. थंयचे वळखीन ती थंय एकल्यागेर राविल्ली.

''इतल्या पयसुल्या देसांतल्यान येवनय तुका ह्या आस्रमाची खबर कशी मेळ्ळी?'' हांवें तिका विचारलें.

तिणें जाप दिली. ''ह्या आस्रमांत न्हिदिल्ले कडेन स्वामी विवेकानंदाक दृश्टांत जाल्लो म्हणपाचें हांव जाणा आसलें. आनी वनस्पती सोदपा खातीर जेन्ना हिमालयांत वच्चें अशें थारलें तेन्नाच मायावती हें केंद्र करचें अशें हांवें थारायल्लें.''

''मागीर तुका जाय आशिल्ली वनस्पत मेळ्ळी?''

''ती मेळ्ळीच. तिचो वापर आस्रमाच्या हॉस्पिटलांत कितलीशींच वर्सां जातालो. पूण त्या भायर म्हाका आनीकय जायत्यो गजाली मेळूंक पावल्यो.''

म्हाका ते चलयेचें कौतुक दिसलें. खंय स्विडन आनी खंय भारत. आनी भारतांत हिमालयाचे कुशींतलो हो कुमाऊँ वाठार खंय! पूण एक चली केदें धाडस करता पळयात!

हांवें तिका म्हणलें, ''आमच्या देसांत तुज्या वयाचे आंकवार चलयेक आवयबापूय एकली इतले पयस धाडपाचे न्हय.''

''तुजो गैरसमज जाला.'' ते चलयेन म्हणलें. ''हांव आंकवार न्हय. म्हाका दोन भुरगीं आसात.''

म्हाका कितें उलोवचें हेंच समजना जालें. पूण कितेंय तरी उलोवंक जाय म्हणून हांवें म्हणलें, ''तुज्या घोवान तुका एकली धाडली बरी.''

''कित्याक धाडचो ना? हांव कितें ताचे पांगेपोंदा आसा काय कितें?''

''आनी भुरग्यांचें कितें?''

''तांचें तीं पळोवन घेत...''

म्हाका ह्यो जापो अजापाच्योच लागल्यो. थंडसाणेन तिचे कडेन थंयचे समाज वेवस्थेचेर उलोवचें अशें थारावन हांव भायर आयलों.

भायर तो मनीस म्हजी वाट पळयतालो. हांवें ताका म्हणलें, ''आमकां चम्पावत गांव पळोवपाचो आसा. तूं आमचे बरोबर येता?''

व्हडा खोशयेन ताणें हय म्हणलें. हांव परत कुडींत आयलों आनी तिका विचारलें, ''तूं गांव पळोवंक येता?''

''म्हाका वचूंकच जाय. पूण तूं म्हाका लूसी म्हण. हांव तुका किदें म्हणूं?''

–गोपीनाथ.

–सुंदर नांव. गोपीनाथ म्हणल्यार कृष्ण. गोपींचो नाथ न्हय?

हांवें हांसून हय म्हणलें. लूसीक भारताची इतली बारीक खबर. पूण ल्हानशा स्विडनाची म्हाका कांयच खबर ना हाची म्हज्या म्हाकाच लज दिसली.

गांवचे दिशेन चलूंक लागनाफुडें तिणें म्हणलें, ''म्हाका एक केबल धाडूंक जाय.''

''स्विडनाक आसतली.'' हांवें म्हणलें.

''हय. तुका कशें कळळें?'' लूसीन विचारलें.

''कितलें जाल्यार बायलेचें मन तें! घोवाची आनी भुरग्यांची याद आयली मूं तुका?''

''ना रे बाबा ना. तरी तुका दिसलें जाल्यार तूं चुकलो. म्हाका केबल धाडूंक जाय आमच्या इन्स्टिट्युटाक.'' लूसीन म्हणलें.

एके कुशीक तार ऑफीस आसलें. वासपूस केली तेन्ना समजलें हे तारेची लायन सारकी ना.

''आतां जाल्यार आमी भायल्या संवसारा कडेन पुराय तुटले म्हणपाचें!'' लूसीन म्हणलें.

''अशें दिसता खरें.''

इतलो वेळ हांव त्या बरोबरच्या मनशा कडेन उलोवंक पावंक नाशिल्लो. आतां हांवें ताका विचारलें, ''हांगा पळोवपा सारकें किदें आसा?''

''ह्या रानांत तुमी किदें पळयतले? आसात ते सफरचंदाचे आनी नासपतीचे मळे... दुसरें कांय नासत जाल्यार ते पळोवया. हरशीं ते हांवें खूब पळयल्यात.''

''तशें हांगा एक मोडकें देवूळ आसा.''

''कसलें देवूळ?''

''देवाचें.''

''तें समजलें. खंयच्या देवाचें!''

''लक्ष्मी नारायणाचें काय दिसता.''

हांवें देवळाची खबर लूसीक सांगली. ''या तर.'' तिणें म्हणलें.

वाटेर त्या मनशाक हांवें विचारलें, ''तुजें नांव कितें रे?''

''जगताप,'' ताणें जाप दिली.

''तूं करता कितें?''

''काय ना.''

''तूं ह्या गांवचो दिसना.''

''न्हय. हांव मूळ बरेलीचों. पूण थंय म्हजो कोण ना. हांव शिकूंक सवरूंक नाशिल्लो वाळेस...'' ताणें जाप दिली.

''पूण पोटापाण्याची वेवस्था किते?''

''ट्रकां वयल्यान भोंवत रावतां. हांगाच दोन म्हयने उरलों. मेळटा तें खाता.''

''तूं म्हजे बरोबर येता?''

''ना. सकल मैदानांत (हिमालयांतले लोक सकल्या वाठाराक मैदान म्हणटात) खूब गरम खंय. हांव येना, आनी म्हाका नोकरी करपाची ना. म्हज्या हांव स्वतंत्र बरो.''

आमी देवळा कडेन पावले. लूसीन कितलेशेच फोटे काडले. देवूळ सामकें मोडून पडिल्लें...

''हें देवूळ दुसरे कडेन आशिल्लें जाल्यार येन्ना सारकें जातलें आशिल्लें. पूण ह्या भागाची सरकार वासपूस लेगीत करिना. हरशीं कुमाऊँ सारको सोबीत वाठार आनी असलें लांब रूंद पठार उत्तर भारतांत दुसरें ना.'' जगतापान म्हणलें.

म्हाका ओगीच दिसलें, जगताप हो सादो किरकोळ कुली न्हय.

आमी परतलीं तेन्ना रातीचो काळोख पातळिल्लो. स्टँडा वयले खाणावळींत वचून आमी जेवण घेतलें. आनी हांवें जगतापाक पांच रुपया काडून दिले.

''आतां नाका फाल्यां पळोवया.'' ताणें म्हणलें, ''सकाळीं हांव सामान व्हरूंक बसीच्या वेळार येतां.''

इतलें म्हणून तो त्या काळखांत नाच जालो. हांव आनी लूसी ल्हवू ल्हवू पावलां उबारीत डाक बंगल्याची वाट चलूंक लागलीं.

''बरें जालें. म्हाका तूं मेळ्ळो. ना जाल्यार ह्या रानांत हांव शेणून वचपाचें.'' लूसीन म्हणलें.

''म्हजोय खूब फायदो जालो. म्हाका कंपनी मेळ्ळी. आनी तुमच्या देसाची थोडीभोव खबर मेळ्ळी.'' हांवें जाप दिली.

''तुमचो देस कितलो व्हड – एक खंडच म्हणल्यार जाता. कितलो सोबीत!'' लूसीन म्हणलें.

''पूण आमी अजून फाटीं आसात.''

''विकासाची तुमची कल्पना चुकता. विकास करून तुमी खंय वतले? यंत्रांचो विकास जातकच मनीस यंत्राचोच एक खिळो जाता. हांगा विकास उणें जालां. पूण मनीस मनीस कसो जगता.''

''एक खरें– आमी कुटुंब म्हणून रावतात. तुमच्या देसांत कशें?''

''म्हाका तुमची कुटुंबाची कल्पना आवडना. जण एकलो मनीस स्वतंत्र. माया मोग हातूंत अर्थ ना. कुटुंब हें तुमकां बंधन जालां. तुमच्या बायलो म्हणल्यार रांदतल्यो आनी आया जाल्यात...''

''आमी संस्कारान तशे.''

''आदल्या काळार तें बरें आसलें. आतां हेंच पळयात, तुमचे बायलेक जर स्विडनाक वचपाचें आशिल्लें जाल्यार तुमी तिका धाडटले आसले?''

''म्हजें लग्न जावंक ना.'' विशयाक बगल दिवपाच्या इराद्यान हांवें म्हणलें.

''मागीर तुवें जीण पळोवंक ना... बरें तुका मैत्रीण बी आसा?''

''ना.''

''बायलां कडेन तुजें नातें तें आवय आनी भयणी पुरतेंच?''

''हय. तशें म्हणल्यार जाता.''

''आमच्या देसांत बायलांक दादल्यांक पुराय स्वातंत्र आसता. घोवची याद आयली जाल्यार घोवा म्हज्यांत वच. मित्राची याद आयली मित्रागेर वच. उबगण आयल्यार तांकां सोड. नवे मित्र जोड. नवे घोव कर...''

आंगा वयलें न्हेसण विकतें घेवपाची खबर लेगीत इतले सहजकायेन करपाची म्हाका संवय नाशिल्ल्यान तिगेलें उलोवणें आयकून म्हाका अजाप जालें. आमी डाक बंगल्यांत पावलीं तेन्ना हांवें म्हणलें, ''तूं सुसेगाद न्हीद. हांव भायर वल्तेरार न्हिदतां.''

''एकेच खाटीचेर आमी न्हिदुया. हांव तुका खायना.'' तिणें हांसून म्हणलें.

''आमचे नितींत तें बसना.''

''तशें जाल्यार हांव वल्तेराचेर न्हिदतां. तूं भितर न्हीद.''

''तुजे सारकिले तरणे सुंदर बायलेक हांव भायर कसो न्हिदावं?'' हांवें म्हणलें.

''मागीर तिका खाटीर घेवन न्हीद मरे पिशा!'' ती हांसली.

हांवें आंग काडलें. म्हाका जाप फुटली ना. लूसीन म्हजें मौन म्हणल्यार हयकार मानलो काय कोण जाणा. निर्विकारपणान तिणें आपले न्हेसण सोडयलें, आनी भितरली साय आंगार दवरून तें खाटीर न्हिदलें.

हांव मेजाकडल्या कदेलार वचून बसलों. पांयाचे बूट सोडयले. आंगा वयले कपडे देंवोवपाक मन अनमनूंक लागलें.

खाटेचेर एक उशें रितें आसलें. तें घेवन भायर वच्चें अशें थारावन हांव खाटे म्हज्यांत गेलों.

''कपडे काडलेच ना?'' लूसीन विचारलें.

''ना. म्हाका न्हीद येना. थोडो वेळ भायर वचून बसतां.''

अशें म्हणून हांवें उशें उबारलें आनी कुडींतलो दिवो पालोवन दार ओडून घेतलें.

भायर वल्तेराक फाट तेंकनाफुडें म्हाका न्हीद लागली. सकाळीं उठून पळय जाल्यार शेजारच्या दुसऱ्या वल्तेराचेर लूसी न्हिदिल्लें. आनी भायले वटेन जगताप येवन राविल्लो.

''केन्ना सुटल्ली बस?'' हांवें जगतापाक विचारलें.

''आयज मार्ग क्लीयर ना खंय.'' ताणें जाप दिली.

''बरें जालें. आनीक एक दीस हांगाच रावंक मेळ्ळें.'' हांवें जाप दिली.

''तूं मागीर पासय मार.''

जगताप वचूंक गेलो. हांव माजराच्या पावलांनी कुडींत आयलों आनी खाटेर वचून न्हिदलों.

❑

म्हजो वावर म्हज्या भोंवतणच्या वाठारांतल्यान प्रेरीत : लीझल कॉता डिसोझा

एल आल्तावोज

फॅशनेबल ट्रेंड, बाजारांतली अपेक्षा आनी झटपट प्रसिद्धीच्या दबाव हांचे भकीक पडपाची आसक्ती ज्या युगांत जायत्या कलाकारांक आसता, थंय कांय दुर्मिळ कलाकार कठीण मार्ग वेंचतात: मौलिकतेचो मार्ग. असो कलाकार परंपरीक मार्ग पाळपाक न्हयकार दिता आनी ताचे बदला खात्री, धीर आनी भितरले नदरेक लागून तयार जाल्ली पुरायपणान वैयक्तीक कला भास तयार करता. प्रबळ शैलींचें अनुकरण करचे परस स्वताचे वृत्तीचेर विस्वास दवरता, रूप आनी माध्यम हांचो निर्भय प्रयोग करता आनी ल्हवू ल्हवू आपले खाशेलेपण बळग्यांत रुपांतरीत करता. सुरवेक गैरसमज वा उणें लेखून कुशीक काडून उडयल्ले गूण तोखणायेचें आनी मान्यतायेचें कारण जाय मेरेन शांत निर्धारान आपलें काम चालू दवरता. लीझल कॉता डिसोझा ही एक अशीच आपल्या वेगळेपणाक लागून आनी खाशेल्या कलाप्रकारक लागून आंतरराश्ट्रीय मळार नामना मेळ्ळील्ली कलाकार. देखून तिचें यश फकत वेवसायीक येसस्वीपण न्हय तर कलेकडेन आशिल्ल्या प्रामाणीकपणाचें जैत.

खरी कला अनुरूपतायेंतल्यान न्हय तर आत्मविस्वासांतल्यान जल्माक येता. सतत अनुकरणाची मागणी करपी संवसारांत प्रामाणीक रावपाक धाडस लागता हाचो ती आमकां उगडास करून दिता.

पयले नदरेन तिच्या कृतींक चित्रां मानपाची चुक करूं येता. पळोवप्याक पोत, रंग, सावळी, हालचाल, भावनिक आकृतीबंध आनी ब्रशवर्का सारक्यो रचणुको दिसतात. पूण लागींच्यान

नियाळल्यार कितें तरी विस्मयकारक उक्तें जाता : ह्यो प्रतिमा रंगान न्हय, तर धाग्यान तयार केल्यात. माध्यम पळोवपाचे रुपांतर अजापांत करता. प्रेक्षक आतां फकत कलाकृती पळयनात; ती निर्माण करपाक लागिल्लो वेळ आनी बारीकसाण जाणवपाक लागता. दरेक तंतू श्रम, शिस्त, पुनरावृत्ती, एकाग्रताय आनी चिकाटी हांचे पुरावे जातात.

गती आनी झटपट उत्पादन हांचो चडांत चड बोवाळ आशिल्ले संस्कृतायेंत लीझल कॉता डिसोझाची कला उतावळ्या संवसाराक प्रतिकार करपी म्हूण उबी आसा.

ललित कला म्हूण भरतकामाची पुनर्कल्पना

भारतीय समकालीन कलेंतल्या लीझलाच्या योगदानाचें एक म्हत्वाचें आंग म्हळ्यार समकालीन कला प्रवचनांत भरतकामाक प्रतिश्ठा मेळोवन दिवपाचो वावर. गंभीर कले परस बायलांच्या कामांकडेन संबंदीत आसा ह्या समजांतल्यान भरतकाम ही घरगुती हस्तकला म्हूण तिचेर आडनदर जाल्या. परंपरेप्रमाणें चित्रकला आनी शिल्पकला संग्रहालयांनी आनी गॅलरींनी प्रवेश करता, जाल्यार कपड्याचेर केल्लें काम घरगुती मळारच मर्यादीत उरलें. लीझल हे क्रमवारीक शांत आत्मविस्वासान आव्हान दिता. तें सांगता, ''म्हजीं चित्रां अशा माध्यमांत कार्यान्वीत जातात, जें अद्वितीय आनी तरी लेगीत अनेक युगांतल्या बायलां खातीर एक व्यस्तताय आशिल्लें. छापिल्ल्या कपड्याचेर धागो आनी ॲप्लिके वापरपाचो अभ्यास करपाचें आकर्शण निर्माण जाल्या उपरांत म्हज्या वावरांतल्यान हांव रेखाटन म्हज्या कामाचो एक अभिन्न भाग म्हूण सांबाळटां आनी कपड्याचेर धाग्यान शिंवून चित्रात्मक फाटभुंय तयार करपाची प्रक्रिया वापरतां.'' ॲप्लिके हें एक सजावटीचें तंत्र, जातूंत कापड, चामडें वा हेर वस्तूंचे ल्हान कुडके व्हडल्या बेस कापडाचेर शिंवतात वा विलीन करून चित्र, नमुनो वा पोत तयार करतात.

तिच्या कृतींनी फकत भरतकामाचो सजावटीचो वापर केल्लो ना; त्यो मुळाव्यान धाग्याचें चित्रकलेचे भाशेंत रुपांतर करतात. रेखांकन करता तशें ती शिंवता. तिचो धागो रंगद्रव्याभशेन वागता. तिच्यो फाटभुंयो ताल आनी हालचालीन उस्वास घेतात. शिल्प आनी ललित कला हांचेमदली रेखा विरगळटा.

प्रेरणा ही कलाकारा खातीर एक गरज कारण ती सृजनशीलतेक जिवीत, खोलाय आनी भावनीक सत्य दिता. कुशळटाय आनी तंत्र शिकूं येता, पूण प्रेरणा भितरलें स्फुलिंग दिता, जें सादारण अभिव्यक्तीचें रुपांतर अर्थपूर्ण कलेंत करता. हें स्फुल्लिंग कलाकारांक दिसपट्टे जिणेंत सोबीतकाय, वेदना, संघर्श, याद आनी मनीसपण पळोवपाक मदत करता आनी हेरां कडेन खोलायेन जोडपी कृती तयार करपाक प्रेरीत करता. तशेंच अणभव, सैम, समाज, साहित्य, संगीत, मनशाच्या संबंदांतल्यान कल्पनेचें सतत नवीकरण करून प्रेरणा कलेक गतिशील करता. प्रेरणा नासतना कला यांत्रिक आनी निर्जीव जावंक शकता.

लीझल सांगता, ''म्हजो वावर म्हज्या भोंवतणच्या वाठारांतल्यान प्रेरीत जाला. बायलांक वेगवेगळे छाप आशिल्ले कपडे घालतात तें पळोवन तातूंतल्यान पात्रांचे वेगवेगळे आयाम उजवाडाक आयले आनी उक्ते जाले. संद मेळटा तेन्ना हांव बसून लोकांचो अर्थ लायतां, ते भायर वारो, उदक आदी सैमीक घटक लोक घालतात त्या कपड्यांचेर डिझायनांतल्या हालचालींनी भर घालतात आनी हें म्हजेखातीरूय एक गूढ. तें म्हज्या कामांत वापरूं येता हें सोदून काडटकच कापडाचेर आशिल्ल्या





डिझायनांचे अर्थ लावपाक म्हाका विस्तार दिलो. फकत कांय डिझायन वा रंग अशे तरेन छापून आयिल्ल्या डिझायनाच्या अर्थांत भर घालतात. कांय वेळार हांव डिझायन म्हज्या विशयाचो भाग म्हूण वापरतां वा कांय वेळार फाटभूंयेर वापरतां. अशे तरेन तो विंगड विंगड व्यक्तिपरक विशयाक आदार दिता.''

1989 वर्सा गोवा कॉलेज ऑफ आर्ट सावन फायन आर्टस् ची पदवी मेळयिल्लें लीझल फुडें सांगता, ''म्हज्यो कृती भुरगेपणांतल्या प्रभावांतल्यान आनी आर्ट कॉलेजीच्या शिक्षणांतल्यान विकसीत जाल्यात, ज्यो पुरायपणान जिणे पद्दतींत दिश्टी पडटात. म्हज्या कृतींतल्यो फाटभुंयो व्हांवत्यो, म्हजे विचार विशयांचेर भोंवतात. हांव रेखांकन करतां तशें शिंवतां. हांव रेखाटन म्हज्या कामाचो एक अभिन्न भाग म्हूण सांबाळटां आनी कापडाचेर धाग्यान शिंवून चित्रात्मक फाटभुंय तयार करपाची प्रक्रिया वापरतां. म्हज्या कामाची विशालताय मतींत घेतल्यार म्हजे खातीर ही एक गरजेची आनी आकर्शक प्रक्रिया. म्हज्या सुरवातीच्या ध्येयाक पर्यायी अभिव्यक्तीचे गिरेस्तकायेंत रूपांतर करपाक हांव येसस्वी जालां.''

शिस्त आनी आत्मीयताय

धाग्यांनी तयार केल्लें चित्र अचकीतपणान उदेवंक शकना. तातूंत बारीक ध्यान दिवपाची गरज आसता. चुको मिटोवप कठीण आसता. दरेक धाग्याफटल्यान नियोजनाची गरज आसता. दरेक पोत पुनरावृत्तींतल्यान भायर सरता. ब्रशस्ट्रोक बऱ्योच गजाली लिपोवंक शकता पूण भरतकाम दरेक निर्णय कायमचो नोंद करता. ही स्थायीकता एक आगळोच भावनीक गूण निर्माण करता.

प्रेक्षकाक फकत प्रतिमेचीच न्हय तर तिची निर्मिती करतना कलाकाराची तिगून उरिल्ली उपस्थिती कळटा, कारण तातूंत अनेक वरां, अनेक दीस आनी अनेक म्हयने एकाग्रतायेन लक्ष केंद्रीत केल्लें आसता. हे नदरेन तिची कला खोलायेन तत्वगिन्यानी जाता.

डिजिटल संस्कृताय झटपट दृश्टीकोन आनी डिस्पोजेबल सौंदर्यशास्त्राक चालना दिता त्या काळांत अर्थपूर्ण निर्मिती खातीर चड करून मौन, एकांत आनी सहनशक्ती जाय हाची लीझलाच्या चित्रां वरवीं आमकां याद जाता. तिच्यो कृती एक म्हत्वाचो समकालीन प्रस्न विचारता : समाजान पासीयेंस सोडल्यार मनशाचे संवेदनशीलतेचें कितें जाता?

बऱ्योच समकालीन कलाकृती बौद्धिक नदरेन महत्वाकांक्षी पूण भावनीक नदरेन थंड आसतात. हेर दिश्टीन आकर्शक पूण संकल्पनात्मक नदरेन रित्यो आसतात. लीझल आपल्या वावरांत दोनूय समस्या टाळटा. तिच्या रचणुकांनी भावनिक जायनासतना भावनीक अनुनाद आसा. तिचे प्रतिमेंत नॉस्टॅल्जिया आसा, पूण तो पलायनवादी नॉस्टॅल्जिया न्हय. तातूंत तपशील आसता, पूण केन्नाच गरजे भायर अतिरेक तिचे कलेंत जियेल्ल्या अणभवाची वसणूक जाल्या अशें दिसता. लीझल म्हण्टा, ''म्हजे दर एके कलाकृतीचो अर्थ लावपाची गरज ना कारण तीं दृश्य आनंद दिवपी आसून तीं स्त्रीरूपांतल्यान जिणेंतले व्याप उक्ते करपाक येसस्वी जातात. धागे आनी कापडाच्या थरांतल्यान हांवें आमी सोंसून घेतिल्ले शारी वृत्तीचो अर्थ लावपाचो यत्न केला. तेच वांगडा आमी रावतात त्या जाग्याचो इतिहास मतींत दवरून म्हजे भाशेच्या वापरा वरवीं समजून घेवपाचो तो यत्न.''

हो गूण घडये तिच्याच कलात्मक प्रवासांतल्यान भायर सरता. गोंयांत वाडून आनी चित्रकलेचो

औपचारीक अभ्यास करचे पयलीं कुटुंबीक वातावरणा भितर भरतकामाची परंपरा शिकून दायजान मेळिल्लें गिन्यान आनी संस्थात्मक कला शिक्षण हांचे मदलो तो प्रवास. त्या संश्लेशणाक लागून तिच्या वावराक शिस्त आनी आत्मीयताय अशे दोनूय प्रकार मेळटात.

चित्रकलेंतली अस्तुरी : इतिहासीक सोबीतकाय ते भावनीक उपस्थिती मेरेन

चित्रकलेच्या इतिहासांत अस्तुरेचे प्रतिमेक केंद्रीय सुवात मेळळ्या. फकत सोबीतकायची वस्तू म्हूण न्हय, तर प्रजननक्षमता, इत्सा, दुख्ख, आवयपण, कामुकता, बळगें, याद आनी गूढतायेचें प्रतीक म्हूण. प्रबोधन काळासावन आधुनिकतावाद आनी समकालीन अभिव्यक्तीवादा मेरेन अस्तुरेच्या आकृतीबंधांनी हारशे म्हूण काम केलां, जाचेवरवीं कलाकारांनी आपले भावनीक आनी तत्वगिन्यानी चिंतेचो अभ्यास केलो.

बायलांच्या आकृतींक अमर करपी व्हड चित्रकारांमदीं लिओनार्दो दा विंची हाणें मोनालिसासारक्या कृतींवरवीं स्त्रीचित्रणाचें मानसशास्त्रीय अभ्यासांत रुपांतर केलें, जंय गूढताय फकत हांश्यातच न्हय तर विशया भितर आसा. सांड्रो बोटीसेलीन 'द बर्थ ऑफ व्हीनस' ह्या आपल्या चित्रांत अस्तुरेक कृपा आनी सोबीतकायेचें प्रतीक म्हूण पितारली. एकुणिसाव्या शेंकड्यांत गुस्ताव क्लिम्ट हाणें अलंकारिक भांगर आनी कामुक नमुन्यांनी भरिल्ल्या अस्तुऱ्यांचें चित्रण करून एकाच वेळार कामुक आनी पवित्र आकृत्यो तयार केल्यो. आमेदेओ मोडिग्लियानीच्या कृतींचो उगडास नग्नताय आनी दुखेस्त सोबीतकाय आशिल्ल्या लांब आंगलटीच्या अस्तुऱ्यांच्या चित्रां खातीर जाता. पाब्लो पिकासोन क्यूबवादांतल्यान बायल कुडीची पुनर्रचणूक करून अस्तुरेचे मनन आनी अमूर्तताय अशे दोनूय प्रकार तयार केले. हेन्री माटीसान बायल रुपाची द्रवता आनी ताल जिव्या रंगांनी आनी सजवणेच्या सादेपणान मनयली. हाचे उरफाटें फ्रीडा काहलो हिणें बायल आकृतीचो आत्मचरित्रात्मक रितीन उपेग करून स्वताच्या आंगाचें वेदना, लवचीकपण आनी अस्मिताय हांच्या कॅनव्हासांत रुपांतर केलें.

भारतीय कलेंतय बायलांचें चित्रण करपाची एक गिरेस्त परंपरा आसा. अजंठा, खजुराहो आनी कोणार्क हांगाची कला, बंगाल शाळेचीं चित्रां हातूंतल्यान अस्तुरेविशींचीं कल्पना आध्यात्मिक, सौंदर्यशास्त्रीय आनी संस्कृतीक नदरेन कशी जाल्या हें स्पश्ट जाता. राजा रवी वर्मा हाणें युरोपीय वास्तववाद आनी भारतीय पुराणकथांचो मेळ घालून भारतीय बायलपणाचीं प्रतिकात्मक प्रतिमा तयार केलीं. अमृता शेर-गिल आदर्शीकृत सोबीतकाये कडल्यान पसून पयस वचून भारतीय बायलांचें चित्रण मौन, आत्मनिरीक्षण आनी अस्तित्ववादी दुख्खान करता. उपरांत एम.एफ.हुसेन आनी तयब मेहता ह्या चित्रकारांनी आधुनिकतावादी विकृती, प्रतीकवाद आनी भावनिक ताण हांचेवरवीं अस्तुरेचे कुडीचो अर्थ लायलो.

हे कला परंपरे भितर लीझल कॉता डिसोझाचे चित्रकलेंतली अस्तुरी आकृती एक खाशेली आनी खोलायेन वैयक्तीक सुवात घेवन आसा. तिच्या चित्रांनी फकत परंपरीक अर्थान स्त्री सोबीतकाय परत तयार जायना. पूण भावनिक स्थिती, मनोभाव आनी भितरलो ताल वळखूपाचो यत्न करता. तिच्या कॅनव्हासांतल्यो बायलो चड करून मौन, उजवाड, याद आनी आत्मनिरीक्षणांत बुडिल्ल्यो दिसतात. त्यो निश्क्रिय अलंकारिक आकृती न्हय तर संवेदना आनी वातावरणान आकारिल्ल्यो जिव्यो उपस्थिती. लीझलाचे चित्रकलेंतलीं बायलांचे आकृतीबंध जिणेच्या आनी सैमाच्या प्रत्यक्ष निरिक्षणांतल्यान भायर

सरतात. तातूंत दिसपट्ट्या संवसाराकडेन एक खोलायेन आत्मीयताय दिसता. हावभाव, नदर, हालचाल आनी अस्तुरेचे कुडीचेर उजवाडाचो सूक्ष्म खेळ. तिच्या आकृतीबंधांनी एक गीतात्मक ताल आसा जो प्रभाववादी संवेदनशीलतेची याद करून दिता आनी त्याच वेळार समकालीन भावनिक खोलाय तिगोवन दवरता. कडक वास्तववादाच्या बदलाक तिचीं चित्रां भावना आनी भावनिक अनुनाद हांकां प्राधान्य दितात. हाका लागून तिचे कलेक काव्यात्मक आयाम मेळटा.

बायल कलाकारां विशीं जायत्यो भासाभासो दोन विरुद्ध तोंकां मदीं आडखळटात : एक तर तांचें काम पुरायपणान लिंगीक राजकारणांत उणें करप वा बायलपणाक रोमँटिक करप. लीझेल दोनूय सापळे टाळटा. तिची कला बायलांच्या श्रमाक संबंदीत आशिल्ल्या स्त्रीलिंगी अणभवांतल्यान आनी दृश्य परंपरांतल्यान भायर सरता हें निश्चीत. तरी तिच्यो कृती साद्यो घोशणा न्हय. ताचे बदला तातूंत भावनीक बुद्धीचो आस्पाव आसता. तिच्या आकृतीबंधांनी कामुकताय आसा पूण बटबटीतपणा ना; मोवसाण आसा, पूण दुबळेपण ना; नाजूकपण आसा, पूण तंत्रीक शिस्तय अफाट आसा. हो समतोल साध्य करप कठीण.

तिच्या कृतींनी बायलांचें आक्रमक सादरीकरणान न्हय तर वस्तुनिश्ठपणान चित्रण केलां हाची नोंद जायत्या समिक्षकांनी घेतल्या. देखून तिचे कलेंतलें स्त्रीलिंग सजावटीचें न्हय–तें अणभवात्मक आसता.

हो भेद म्हत्वाचो.

समकालीन दृश्य संस्कृताय चड करून बायल कुडीक वस्तूरूप करता. ताचे बदला लीझल तातूंत मनीसपण परत हाडटा. तिणें चित्रित केल्ल्यो बायलो उपभोगा खातीर न्हय तर स्वता खातीर अस्तित्वांत आसात. तिच्या रचणुकांचें भावनीक वातावरण अंतर्निरीक्षणात्मक दिसता.

ती म्हणटा, ''म्हज्या सगळ्या वावराचो उगम म्हळ्यार मनशाच्या रुपाचें आनी जिविताच्या बारीकसाणीचें प्रत्यक्ष निरिक्षण; खास करून बायलांचें. हें फकत कांय खीण आसूं येतात वा उजवाडाची संवेदना आसूं येता. सगळें प्रतिमेच्या संचितांत जतनाय घेतिल्लें आनी आदिम प्रतिमा म्हूण अणकारीत केल्लें आसूं येता. म्हाका जी लागींची दिसता ती म्हळ्यार भावनांक उंच उबारूंक शकता अशी स्वातंत्र्याची आनी सैमा कडेन आशिल्ली आसक्ति. म्हज्या चित्रांनी मनशाच्या चरित्रा विशीं म्हजी आवड, पयले सुवातेर म्हाका स्वताक खरी दिसता. म्हज्या कृतींतल्यो प्रतिमा आपोवणें दिवपी आसात. देखीक, आपल्या दिसपट्ट्या वावरांतल्यान कितेंतरी साध्य करपाक कश्ट करपी मोगाळ बायलांच्या त्या गोड, निरपराधी तोंडांचेर आशिल्ली गूढ नदर.''

धाग्याची भौतिक बुद्धी

तिचे माध्यम निवडींत कितें तरी खोलायेन प्रतिकात्मक आसा. धागो म्हळ्यार एक संस्कृतीक याद. संस्कृतायेंत धाग्याचो संबंद सातत्य, दायज, दुरुस्ती, कथा सांगप, विणप आनी जिवीत उरप हांचेकडेन आसा. संवसारभरांतल्या पौराणीक कथांनी धागो रूपक म्हूण वापरतात. देखीक, दैवाचो धागो, स्मृतीचो धागो, पिळग्यांक जोडपी धागो. लीझलाच्या हातांत धागो माध्यमा परस चड जाता. तें तत्वगिन्यान जाता.

रंगाभशेन धाग्याक भौतिक आयाम आसता. तांच्यो ल्हान ल्हान सावळ्यो पडटात. ताका लागून

एक त्रिमित्री तयार जाता. देखून तिची कृती चित्रकला आनी शिल्पकला, प्रतिमा आनी कापड, भ्रम आनी वस्तू हांचेमदीं उबी रावता. कला विशयांतले कडक भेद कोसळपाक लागल्यात अशा समकालीन काळांत तिची कला खासा प्रासंगीक थारता. देखून ती प्रादेशिक अस्मिताय सोडून दिनासतना भारतीय कलेच्या शब्दसंग्रहाचो विस्तार करपी कलाकारांच्या पिळगेची प्रतिनिधी जाता.

खऱ्या अर्थान नवेंपण हाडपी कलाकारांक रोखडेंच समजप जायना. चड काळ प्रतिकार केल्या उपरांतच तांचे कलेचे मौलिकतायेची वळख जाता.

तिचें बंड सूक्ष्म. धक्को दिवचे बदला ती लक्ष दिवपाची मागणी करता. शांत कला केन्ना केन्नाय मोट्यान आवाज करपी कले परस चड विध्वंसक आसूं येता. अतिवेवसायीक दृश्य संस्कृतायेंत कोमलता, घरगुतीपण, भावनीक निश्चलताय आनी अस्तुरेची अंतर्गतताय हांचेर केंद्रीत कृती तयार करप हीच एक व्हड प्रतिकाराची कृती. ते भायर सुरवेक जायत्या जाणांनी न्हयकार दिल्ल्या माध्यमाचेर तिणें खरपणान विस्वास राखला. तिचे कारकिर्दीचे सुरवेक तिचीं कामां धाग्या परस रेंव वापरून तयार केल्लीं अशें जाणकारांनी मानलें, अशें ती सांगता. हेर कांय कला समीक्षकांनी हें काम सजवणेचें भरतकाम मानून ताका उणें म्हत्व दिलें. तरी लेगीत तिणें कांय दसकां ह्या माध्यमाची उदरगत चालू दवरली.

लीझेल कॉता डिसोझाची कला आयज फकत तंत्रीक नदरेन वेगळी आशिल्ल्यान न्हय, तर दुर्लक्षीत मनीस मुल्यां परत मेळयता देखून म्हत्वाची आसा. ती अधीर युगांत धीर परत मेळयता. आभासी संस्कृतायेंत स्पर्शक्षमताय परत मेळयता, ताका लागून घरगुती आनी स्त्रीलिंगी कामगारांक स्वाभिमान परत मेळटा. तशेंच देखाव्याच्या युगांत ती भावनीक सूक्ष्मताय परतून मेळयता आनी घडये सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हणल्यार तिची कला प्रेक्षकांक एका दायजाक परत पळोवपाचें प्रशिक्षण दिता. लक्ष नूतनीकरण करपाची तांक ही कलेची एक उंचेली कामगिरी. व्हड कलाकार फकत प्रतिमा तयार करिनात; ते धारणाचें रुपांतर करतात. कला आनी हस्तकला हांचे मदलीं कृत्रीम मर्यादा मोडपाचें काम लीझल करता हें नक्कीच. ती सांगता, '' म्हजें काम खंयचेय चित्र वा रेखाटन आदी सारकेंच चलता आनी तें म्हणल्यार कलाकृती वण्टीचेर लावपाचें. शिंवून काडिल्ल्या चित्रांतलें म्हजें कलात्मक यश आमी ललित कला म्हूण ताळयो मारतात त्या जायत्या गजालींच्या तांकीचें वा ताचे परस चड आसा हातूंत दुबाव ना. ह्या ध्येयावरवीं पर्यायी अभिव्यक्तीच्या गिरेस्तकायेंत भर घालपाक हांव येसस्वी जालां.''

❑

मोर्नाची तयाराय

डॉ. एडवर्ड एल. नाझारेथ

''हांवें सिंडिकेट ब्यांकांतले सक्कड डेपोजीट तीन वर्सांक रिनिवल केले... वाड चड ना, पूण वर्सा वर्साक घुंवडावन दवरुंक तुका उगडास जायजे न्हये... हांव आसताना जालें,'' सकाळीं आयिल्ल्या दिसाळ्या पत्राचें म्यागजीन वाचून आसचे सेल्लिबायेन दान्येलामान सांगच्याक गुमान दिलें ना. ''वाड बुकाक येंवची नाका. बेश्टेंच इंटरेस्ट उणी जाता देखून तीन वर्सांच्यो सर्टिफिकेट केल्यो. हरएका एप्रिलांत पयल्या हप्त्यांत वचोन वाडिचेर ईनकम टॅक्स काडचें नाका म्हण एका फॉर्माक दसकत घालुंक विसरनाका... ना तर वाडिचेर ईनकम टॅक्स काडतात... उगडास दवर,'' म्हणालो दान्येलाम. सेल्लिबायेन 'हां हूं' म्हळें ना.

''चिक्के हेवशीन मत दी,'' म्हणालो दान्येलाम ताळो मात्सो व्हड कर्न, ''फाल्यां हांव मेलों जाल्यार हें सक्कड तुवें पळयजे... सांगानासतां मेलो म्हण म्हाका दुर्साल्यार हांव कितेंय गोलिमार सिमिसत्रेंतलो उटोन येंवचों ना. आतां सांगचें चीत दीवन आयक,'' दान्येलाम जडायेन म्हणालो.

''रिटायर्ड जावन धा वर्सां जाल्यारयी भुग्यांक शिकंवचेपरीं म्हाका शिकंवचें मात्र रावोवंक नांय तुवें... इसकोलांत शिकयताना भुग्यांक शिकवन आसल्ली सवय म्हण जालें... रिटायर्ड जाल्या उपरांत हांव एकलीं उरल्यां तुजे क्लाशिंत,'' दुर्साली सेल्लिबाय.

''शिकंवचें न्हय सेल्ले... तुका समजोंवचें. दुडवाचें, आसतिचें लेक-पाक तुकायी कळीत आसोंक जाय. तुका सार्क्यान ब्यांकाचें चलन भरुंक येना.. फाल्यां म्हजी चिमणी पुक्क जायत जाल्यार

गत तुजी,'' वोकला वयल्यान सेल्लिबायेक पळेवन सांगलें दान्येलामान.

''तुका कित्याक असोय मोर्नाचो जोप लागला म्हाका समजाना,'' बेजारायेन उलयली सेल्लिबाय, ''उटता बसताना तूं एक मोर्नाचेंच कालें उलयताय? मोर्न आमी मागानाये. एकेकपावटीं आमी माग्ताना देव 'असतू' म्हणता खंय,'' म्यागजिनाचें पान पर्तीत म्हणाली ती.

''देवान बोगेल्ल्या शिवाय मोर्न येना सेल्ले,'' लांब उस्वास घेवन म्हणालो दान्येलाम, ''म्हाका मोर्नाची आशाय ना भिरांतयी ना.. पूण फाल्यां हांव मोरान तर तुका धोशी जायनाये. आजून तुका ब्यांकाच्यो, शेरांच्यो गजाली कळीत नांत. हांवें कितलें सांगल्यारयी तूं मांड्ड्या भितर व्हरिनांय... हांव मेल्लोंच, तुका मांकोड कर्न आसल्लें सक्कड कोण फार्तीत म्हण खंत म्हाका... तुवें ह्या विशयांक इल्ली तकली दीजे,'' ब्यांकाच्यो रशीद्यो दवर्चें ल्हान ब्याग धांपून म्हणालो दान्येलाम.

''मोर्न आमच्या हातांत आसाये.. तुमकां सद्द्याक कितेंय जायना..'' म्यागजीन पाटीं दोडन, आराम कदेलाथावन उटत म्हणाली सेल्ली बाय.

''कितेंय जायना म्हण पोट्टू धयरार रावल्यार जायना,'' नाका वयर आसल्लें वोकल कपलाथावन मुकल्या मात्याक पाटीं लोटीत म्हणालो दान्येलाम, ''पोयर दाक्तेरच म्हणतालो, म्हजें प्रेशर चडलां खंय... आनी चडीत ओक्तां चलनांत खंय. डयाबिटीस कितें उणें केल्यारयी देंवोंक आयकाना... कोलेसट्रोलाक गुळियो गीळल्ल्योच आयल्यो... म्हाका भोग्ता सां मिंगेलीन म्हजी विजा तयार केल्या... आनी धाडुंक मात्र बाकी.''

''तुमी एक नाका जाल्लें अपशकून उलयनाकात पळेया.. आयकोन आयकोन पुरो जालें म्हाका. मोर्नाची खबर उलयनातल्लो एक पूणयी दीस आसाये..'' आळसायेन जांबाय काडीत, भूज पिंटावन उटली सेल्लिबाय.

''ब्यांकाक गेल्लेकडे रोजीन मेळळें... दाविदान एका एकांवटाक मरियाणाचें नोमिनेशन केल्लें, बदलुंकच ना खंय. मरियाण मोरोन वर्सां चार जालिनांतये... आनी आतां एकांवट रोजिनाच्या नांवाचेर करिजे तर कालें अफिदावीत, कर्मां भोजो म्हण वकीलाकडे धांवोंक रोजिनाक खंय कळता... फाल्यां हांव मेल्यार तुका तशें जावंक नजो..'' दान्येलाम ब्यांकाच्या रशीदेंचें ब्याग आल्मारेंत दवरुंक भितर गेलो. दावीद दान्येलामाचो मावळ्याभाव आनी मरियाण ताचो मालगडो पूत अवगडांत अंतरल्लो.

गोलिमार सांत आंतोनिच्या हायर प्रायमरी इसकोलाथावन दान्येल मेस्त्री निवृत्त जावंक आनी अरुणाचें इंजिनियरिंग तशें मालगड्या सुनिताचें बी.एड. जावंक सारकें जाल्लें. सुनिताक काम सोदतानांच मस्कतांत काम कर्च्या जेरिची सयरीक आयिल्ली आनी उटाउटीं काजारयी जाल्लें. अरुणाक क्यांपस इंटरव्यूवांत बेंगळुरांत विलायती कंपणेच्या शाक्यांत काम मेळल्लें. त्याच कंपेनिंत काम कर्च्या मलयाळी चलियेच्या मोगार पडोन काजार जावन तीं दोगांय प्रसतूत अमेरिकांत बऱ्या कामार आसल्लीं. मेसत्रीक हातभर पेनशन मेळतालें. घरचो पुरतो खर्च काडन उरचे तितले नाल्ल घरा मुकल्या तोटांत जाताले.

भुर्गीं बऱ्या फुडाराक पावल्लीं, दुडवाची खंतच नातल्ली. उतर प्रायेर कसल्याचीच खंत-हुसको नासतां सुशेगायेन जियेवन आसच्या गोलिमारांतल्या बोटांनी मेज्येत तितल्या मालघड्यां पयकीं दान्येलाम-सेल्लिबायेचें जोडें एक.

पूण भलायकेन मात्र दान्येलामाक सांगात दीवंक नातल्लो. लगबग वीस वर्सांथावन डायबिटीस,

पाटल्या थोड्या वर्सांथावन प्रेशर आनी कोलेसट्रोल दान्येलामाक धोशी दीवन आसल्लें. सुर्वातेर गोलिमारांत संजीवण्णा दाक्तेराचेंच ओकत सुरू केल्लें आनी सगळें कंट्रोलाचेर आसल्लें. सुंदरण्णाचें ओकत पावानातल्लेंच, ताणेंच चीट दिवन दान्येलामाक कोड्याळ स्पेशलिस्टाकडे धाडल्लो.

''कालेंय सांग तूं... हांवें ती आंजियोप्लास्टी करयनाये आसल्ली. अरुणान ओत्ताय केली म्हण हार्ट तपासणेक वचोन फस्वोन पडलों हांव... आंजियोप्लास्टी केल्ल्या उपरांत ह्यो पूरा धोशी,'' दोनपारां जेवताना दान्येलामान परत सुरू केलें.

''तुमी दाक्तेरगी तो दाक्तेर... हार्टाच्यो नळियो ब्लॉक आसात म्हण न्हये ओपरेशन केल्लें. ओपरेशन केल्ल्यान आतां सुडसुडायेन आसात. ना जाल्यार आनी कालें जावन वेतें,'' सेल्लिबाय राजांव उलयली.

''तुका समजना तें,'' नासमदानान म्हणालो दान्येलाम, ''हार्टांत ब्लोक आसल्ल्या कितलेश्या जणांनी ओपरेशन करयनातल्यारयी बऱ्यान आसात... आज गोलिमारांत कितेंगी घेवंक विस्रालो देकून पंजिमार पांडू कामतिच्या आंगडीक गेल्लो... कामतीकयी हार्टांत ब्लॉक आसात, तुर्तान ओपरेशन करिजे म्हळळें खंय. कामती कितलो म्हळ्यारयी कामती न्हये... ओपवोंक ना. चार वर्सां जालीं. दिसाक दोन पावटीं तितीन गुळियो गिळता आनी सुशेग आसा...'' वाळल्लें शीत उदारें कर्तच घेतल्ल्यान आजून हून आसल्लें. रांदणिचेरच आसल्ली मासळेची कडी कोपांतली काडन त्या शिताक भर्शिताना हाताक ऊब लागताली जाल्ल्यान, तोंडांत शिताक फुंकीत म्हणालो दान्येलाम.

''सकडांचें हार्ट एक सार्कें आसताये... सालुभोट पळेया. डायबिटिसाक पुत्तूर्च्या पंडिताचें ओकत घेतालो खंय. नीदल्लेकडेच काळीज रावोन कोट्टाय जावंकनाये... कोणाचें कालें म्हण सांगोंक जाताये!'' कडियेंतल्या हून धडियाऱ्याचो ल्हान किस्पोर काडन तोंडाक दवरलो सेल्लिबायेन.

''हांवें उलयल्यार तुका बेजार जाता म्हण म्हाका गोत्तासा,' म्हणालो दान्येलाम, 'पूण वासतविकता म्हणतात म्हळ्यार परिगत कशी येता तशी स्वीकार करुंक जाय. फाल्यां हांव मोरान जाल्यार तूं एक्सुरें जातलेंय. अरूण आनी ताची बायल अमेरिकाथावन येंवचिंनांत आनी आयल्यारयी तुका त्या मलयाळी सुने सांगाता जांवचें ना. अमेरिकाक वेशी जाल्यार जयलांत घाल्लेपरीं जावन पिशें लागात. तुका जाता जाल्यार सुनिता सांगाता रावोंक पळे... जेरी बऱ्या समजणेचो भुर्गो. आमच्या अरुणापरास तोच जायत.''

''तुमी तेंच कित्याक उलयतात... दुस्रे विशयच नांतगी... ना जाल्यार हांव टी. वी. घाल्तां. आतां सुमंगल सीरियल आसा. तुमचे चोरे आयकोंच्याकयी तें सीरियल जायत.'' जेवणाच्या मेजावयली बोशी हातांत घेवन, उटोन सोफासर्शीं वचोंक आयती जाली सेल्लिबाय.

''बस... सांगचें आयक,'' म्हणालो दान्येलाम, ''पाटल्या थोड्या दिसांथावन म्हाका फकत काजाराचीं सपणां पडतात. कोणा कोणाच्या काजाराक गेल्लीं... पूरा सांगान जाल्यार म्हजी तकली पाड जाल्या म्हणतीत... काल आमच्या विगाराक काजार म्हण सपण पडल्लें... काजाराचीं सपणां पडल्यार मोर्न लागीं आसा म्हण म्हजी मांय म्हणताली...''

''सपणांक कितेंय अर्त ना म्हण तुमिंच भासताल्यात... हांवें सपणां पडल्यांत म्हण सांगल्यार खेल्लें चड जाल्यार सपणां पडतात म्हणताल्यात... तुमकां पडच्या सपणांक मात्र अर्तवे...'' सेल्लिबायेन दान्येलामाक अर्द्यारच रावावन म्हळें.

''तशें न्हय सेल्ले... ह्या दिसांनी म्हाका कित्याकगी मोर्नाचो उडास चड चड येता.. थोडेपावटीं मुकार घडोंक आसचें लागीं जाताना अशें जाता खंय... हांव मोरनासतां वांचलोंच म्हण्यां... तें बरेंच. एकावेळा मेलों जाल्यार तुवें तुज्या फुडाराचें चिंतून, चत्रायेन मेट घेजे. कितलें अनापत आयल्यारयी सक्कड पयशे आनी शेर भुर्ग्यांच्या नांवार करिनाका. तुज्या गरजेचे थोडे दवर्न घे... हातांत चार कास आसल्यार मात्र भुर्गीं बाळां पळेतात... न्हय आमचो अरूण आनी सुनिता तितलीं पाड म्हणचें न्हय... पूण थोडेपावटीं परिगत मनशाक अनुपकारी कर्ता..''

''अय्यो देवा... इल्लें वोगेच रावा पळेया...'' सेल्लिबाय उटोन, जेवणाची बोशी घेवन सोफाचेर बसलीच.

''ताका मोर्नाची गिरांत लागल्याशें दिसता मांय... तें बरें न्हय. मनीस मोर्नाविशीं चड उलयत तर जिवघात करुंक पाटीं करिनांत खंय. तूं पप्पाचेर दोळो दवरीत राव.'' म्हण ते सांजेर अमेरिकाथावन अरुणान फोनाचेर सांग्ताना सेल्लिबायेचे कुडिंत शेळेर धांवल्लो. दान्येलाम सेजारा वाड्या जमातेक गेल्लो. शेळ जाल्या म्हळ्ळें नीब दीवन सेल्लिबाय घराच रावल्ली.

''तो सारको आसा पुता.'' कावजेणी भोगल्यारयी पर्देशांतल्या पुताक दासती जायनाये देकून तिणें समदान कर्न सांगल्लें, ''तुका ताची सवय गोत्तुनाये... खंचेंय धरल्यार कुरलेपरीं ताका सोडुंक कळना... दीस रात तेंच धर्न झरयता... ती ताची सवय.''

''काल पेंटेथावन फोन केल्लें मांय... दाक्तेराकडे गेल्लो. चड दीस काडचो ना... पोयरच येवन गेल्लोय न्हये... मेल्यार भेश्टेंच अमेरिकाथावन येनाका... मीस मात्र. आपणाक मात्येक पावंक ना. कूड मणिपाल आस्पत्रेक दिंवची वेवसता केल्या म्हणालो. पप्पा कित्याक तशें उलयता.. तो कितें सांगता म्हण्ंच म्हाका समजलें ना'' अरुणाच्या ताळ्यांत आकांत आसल्लो.

''तशें सारको आसा पुता... ताचें सोड. तूं तुज्या कामाचेर चीत दवर.'' सेल्लिबायेन पुताक धयर दिलें.

''ताका एकपावटीं कंक्नाडी आपवन व्हर्न दाक्तेर के.एस. शेट्टिकडे दाकय मांय. मांड्डो पाड जालागी म्हण तपासून पळेंवदी... पप्पा आयकाना तर गुसतू मामाकडे सांग. मोर्नाविशीं उलंवचे जिवाक कांय कर्न घेंवचें चड म्हण वाचल्लो उडास..'' अरुणान तशें सांगताना सेल्लिबायेक पयलेंपावटीं दान्येलामाच्या नडत्याचेर दुबाव उबजलो.

अरुणान सांग ताना दुबाव जाल्यारयी दान्येलामाक मतिची पिडा आसा म्हण सेल्लिबायेक भोगलें ना. खंचोय विशय धरल्यार त्या विशिंच दीस रात चिंतच्या दान्येलामाचे सवयेचो तिका बरो जोप आसल्लो. आदलेपावटीं माडांचे बोंडुले कुब्यारच कुसोंक धरल्ल्यावेळार आपलें घरदारच बुडोन वेता म्हळ्ळेपरीं सेजाच्यांनी दान्येलामाक सुत्तू सडीळ जाला म्हणता तितलें आयिल्ल्या गेल्ल्याकडे तीच खबर उलवन उलवन मेळल्ल्या मेळल्ल्यांचो भेजो खेल्लो ताणे. खडपाहितलांत क्व्यारी सुरू कर्तात म्हळ्ळी खबर सत वा फटी म्हण नक्की करिनासतां वाड्याच्या सक्कड घरा वचोन प्रतिभटन करिजे म्हण सांगोन, त्या पासत हातपत्रांयी तयार कर्न रातीं मद्यानेर उटोन मंत्रिंक, एमएलएक अर्जी म्हण कितें बरयिल्लें सेल्लिबाय विसरोंकना.

तरयी अरुणान चत्राय दिल्लेपरीं दान्येलामाक एकल्याक घरा सोडन ती माडामुळांक सयत गेली ना. खीळ घालन कांय अनाहूत करीत म्हळ्ळ्या दुबावान दान्येलाम तोटाक गेल्ल्यावेळार बेडरुमाच्या

दाराची खीळ पडानाशें, सुत्त्यांत धाडावन वांकडी केली. उंद्रांक म्हण हाडन दवरल्लें इलिपाशन काडन व्हाळाक उडयलें.

राग दाकयिल्ल्यान कोण्णा, दान्येलामान सेल्लिबायेकडे मोर्नाची खबर उलंवची रावयली.

पप्पा नातल्ल्या वेळार मीस कॉल दी म्हण सुनिताचें एसएमएस पळेतानांच दान्येलामान धुवेकडे कितें तरयी सांगलां म्हळ्ळो दुबाव जाल्लो सेल्लिबायेक. तीन दीस दान्येलाम खंय गेलो ना. घरा भोंवतीं जाग-माग आसाजे म्हळ्ळ्याखातीर हर वेळार सेल्लिबायेन सन्वारा सांजेर आनी दान्येलामान आयतारा सकाळीं मिसाक वेचें आसल्लें. दान्येलामाक एकल्याक सोडन गेल्यार कितेंय अनाहूत कर्न घेत म्हळ्ळ्या भिरांतेन आपणाक भलायकी बरी ना म्हळ्ळें नीब दीवन सेल्लिबाय त्या हप्त्यांत मिसाक गेली ना आनी दान्येलाम आयतारा सकाळीं गोलिमार इगर्जेकडे गेल्लोच धुवेक मीस कॉल दिलें.

फोनाचेर सुनिता रडलेंच. ''पप्पाक कितें तरयी पिडा आसा म्हण दिसता मांय. आपूण वेग्गीं मोर्च्यार आसां म्हण ताका नक्की आसा... ना तर तो असो उलंवचो न्हय.. ताका कोडियाळ आपवन व्हर्न चेक अप करय. कांय चडुणे आसल्यार ट्रीटमेंट कऱ्येत.. पप्पाक समजय.''

धुवेचे हुसकार आयकोन सेल्लिबायेकयी तडवोंक जालें ना.

''तशें कांय ना पुता... तो भलायकेंत सदांचेपरिंच आसा.. मोर्नाची गिरांत लागल्या दिसता.'' धुवेक समदान केलें सेल्लिबायेन.

''हांव आसतां म्हणासर तुका सोडन घालिना मांय... हांवें पप्पाक भास दिल्या. भुग्यांच्यो क्लाशी न्हय जाल्यार आतांच उटोन गांवांक येतीं. पप्पाक समजय. तो कितें पुरा उलयता. मेल्यार ताचे दोळे दान दीजे खंय... कूड मेडिकल कोलेजीक दीजे खंय..'' सुनिता परत हुसकारोंक लागलें. सेल्लिबायेन धुवेक समदान केलें.

तो एक हप्तो कितेंय विशेस नासतां पाशार जालो.

सेल्लिबाय कावजेवन कावजेवन सन्वारा मिसाक गेली. मीस जाल्लेंच मार्केटीक वचोन मासळी घेवन घरा येता पऱ्यांतयी तिचे उब्देस सांगचे नाकात. ती घरा पावताना दान्येलाम बाक्यारांत तेंडलीं लावंक गुरी खोंडतालो.

''मोर्नाची वाट पळंवचो तेंडलीं लावंक तयाराय कर्ताये... हाचो सुत्तू सडीळ म्हण म्हाका टेनशन.'' आपणायितल्याक घुणगुणोन सेल्लिबाय घरा भितर सरली.

त्या रातीं मागणें कर्न जेवताना दान्येलामान परत मोर्नाचो प्रसताप काडलो. ''कुडतमजलांत शेसिच्या पुताच्या बायकाक लॉरी हांडोन मेंद्राक कटीण मार जाला खंय. एकावेळा म्हाका कितेंय तशें जाल्यार आनी दाक्तेर हांव वांचना म्हण निघंट सांगतीत तर म्हज्यो किडन्यो, लिवर आनी हार्ट सक्कड दान दीजे. ब्रेन डेथ म्हणतात... तवळ हे भाग काडन दूसऱ्यांक बसव्येत.''

''तुमी खंय बायक सोडतात म्हण... सायकल घुड्डांवचें रावोवन कांय वर्सां जालीं.'' दान्येलामाक हगूर कर्न म्हणाली सेल्लिबाय.

''गजाल ती न्हय.. ब्रेयन डेत कोणायकी जाव्येता... कशेंयी जाव्येता. एकावेळा म्हज्या मेंद्रांत रगत व्हाळोन म्हजो मेंदुयी बंद जाव्येता... त्या वेळार म्हळें..'' दान्येलाम सेल्लिबायेक समजवंक पळेतालो.

''अळे तुका आनी भुग्यांक कितेंच टेनशन नाका म्हण म्हजे कुडिची कितें विलेवारी करिजे, कशी

करिजे तें सक्कड हांवें संजीवण्णा दाक्तेराकडे बरवन दिलां. दाक्तेर संजीवण्णाचो पूत विजय मणिपाल आस्पत्रेंत दाक्तेर. म्हजो स्टूडेंट तो. म्हाका कितेंय जाल्यार संजीवण्णा दाक्तेराक खबर दिल्यार जालें. ऊरल्लें डॉक्टर विजय पळेतलो. तितलें तूं उडास दवर.'' दान्येलामान तशें सांग्ताना सुनितान उचारल्ले तसलो दुबाव सेल्लिबायेकयी जालो. दान्येलामाक वेगींच मोर्चे तसली कितेंय पिडा ना मू?

हें घडोन आजीक पंद्रा दीस जाले.

आपणाच्या पिडेंचें, आपणाच्या मोर्नाची खंत कर्तेल्या दान्येलामान सेल्लिच्या भलायकेचें कित्याक गुमान केलें ना म्हळ्ळें दान्येलामाकच मिसतेर जाल्लो. सेल्लिबायेक डायबिटीस नातल्लें, प्रेशर चडोंक नातल्लो, कोलेसट्रोल मितिचेर आसल्लो – म्हणतच तिका मोर्न येंवचेंच ना म्हण आपणे लेकल्लें? दान्येलाम गुपीत रडतालो.

सेल्लिबायेच्या गरबांत लिपोन आसल्लें कॅन्सर एकानेक मेंद्वांत वयर पडोन कितेंच कर्चे भितर ती दान्येलामाक एक्सुरो सोडून वचत म्हण कोणे चिंतल्लें.

तिचे दोळे जांव, किडन्यो, लिवर वा हार्ट मात्र न्हय निर्जीव कूड सयत दान दिवंक जायनासचेपरीं सेल्लिबाय अंतरल्ली.

आपूण मेल्यार सेल्लिबायेच्या फुडाराची येवजण केल्ल्या दान्येल मेस्त्रीक, सेल्लिबाय सरल्ल्या उपरांत आपलो फुडार कितें म्हळ्ळें आजून सवालच जावन ऊरल्लें.

❑

39
मिलिंद म्हामल

39 हो नंबर कसोच वयचो ना हेची त्याका फूल गॅरेन्टी. 39 ए हो नंबर गोंयभर लोकांक कळळो तो फाटल्या दोन वर्साक. त्या नंबराचो आदार घेवन जाय तशीं जमिनिचीं रुपांतरणां केलीं आनी पर्यावरण तशेंच गोंयची वाट लायली. मेळांत थंय कॉन्क्रिटची जंगलां. सगळे कायदे धाब्यार बसोवन बिल्डर लॉबीक राना, न्हये, आनी शेंता सोंपयलीं. पंच मेंबर, सरपंच, आमदार, मंत्री सगळ्यानीच पैसो केलो. हे खातीर गांवा गांवांत आंदोलना चलल्यात. लोक रस्त्यार येवन तिडक उक्तायतात. 39 ए ह्या कलम नाकाच असां लोकांक दिसपाक लागला, आनी फुडल्या वेंचणूकेंत सरकार बदलतलो आनी ह्यां कलम रद्द जांतला हेची सगल्यांकच आतां खात्री आसा. हो हरामाचो पयसो आतां आनी त्यांच्या फुडल्या पिळगेक कसोच पचचो ना असां लोक सरळ बोलतंत आनी 39 ए बेगीनांत बेगीन भायर उडोवचो असां म्हूणटंत. आतां तर इनफ इज इनफ, आनीक सोंसूक नजो असां लोक म्हूणपाक लागल्यात. पूण बाबाक तां लागाना. 39 बंद करपाकच जाय असां कोणी म्हूटलां तर तेची तळपायांची आग मस्तकाक भिडटा आनी तो म्हूणटा,

''तां कोणाच्याच बापायक शक्य ना, अशीं किंतकीशीं सरकारां इलीं आनी गेलीं, पूण 39 ह्या आकड्याक हात लांवक त्यांका जमलां ना, तो आतां काय रद्द करतले? फांटली 50 वर्सां हो नंबर मी धरून खेळतंय, माजा सगळां गणितच तेचेर चलता. एक दिस, दोन दिस, म्हयनोभर येवंक ना असां एक वेळ समजांक जाता, पूण फुडल्या म्हयन्यांक तरी येतलो हेची माका फूल गॅरेन्टी आसा, तूमी कोण बंद

करपाक रे, तूमी कितक्यांय आकाश पातळ एक करात, पूण 39 बंद करपाक कोणाकच शक्य ना''.

बाबाचां ह्यां भलतांच. बाबा म्हणजे रतनाचो बाबूय. पूण त्याका सगळेच बाबा म्हूटतंत. ना म्हूटल्यार बाबान पंचाहत्तर पावसाळे बगल्यात. म्हणजे गोंय मुक्ती उपरांतची सगळीं सरकारां तेणी बगल्यात आनी तेंचो कारभारय बघला. पयलेंमेरेन शिकला, ते खातीर त्याका अक्षरां आनी नंबर कळतंत. नंबराचा तर इचारूक नाका. त्याका 39 ए खबर ना. पूण 39 काय तां सारक्या खबर आसा. त्याच्या दृश्टीन हो मटक्याचो नंबर. हो नंबर तो ना चूकता धरून खेळता. आतां धरून खेळप हो वेगळोच विशय. भल्या भल्यांक त्याचा गणित कळांचा ना. पूण आजय मेरेन 39 ह्या नंबरानच त्याका आनी त्याच्या कुटूंबाक पोसला. ते खातीर लोक 39 ए रद्द करूची भाशा करतंत थंय बाबा 39 नंबराचा समर्थन करता. कोणाचां काय? जाल्यार कोणाचां काय?. अशी ही गत. एक 39 एकाचा कल्याण करता जाल्यार दुसरो 39 ए दुसऱ्याक गब्बर करता.

3 आनी 9 हे नंबर तो आलटून पालटून खेळटा. क्याँवा तिको ओपन जाल्यार णवको क्लोज, णवको ओपन जाल्यार तिको क्लोज. ना जाल्यार 393, 933, 339, 939, 993 ह्या नंबराची पत्ती. असां धरून खेळळ्या खातीर खंयचो ना खंयचो तरी नंबर येताच. तसो तो बाकीचेय नंबर लायता. पूण 3 आनी 9 त्याच्या स्लिपीर सदींच आसतत. एका एका नंबराचेर धा धा रुपया तरी लायता. अशे करून दिसा दिस सकाळ दोन तीनशीं तरी रुपया तरी लायता. ते दिसा मटको लागलो तर मगेर आकडो पांचशांचेर पावता. सिंगल नंबर इल्यार 95 रुपया, जोडी इल्यार 950, सिंगल पत्ती इल्यार 1400, डबल पत्ती इल्यार 2800, आनी त्रिपल पत्ती इल्यार 7000 रुपया मेळटत. पयलीं एक एक रुपया लायतालो, आतां किमान धा धा रुपया लावचे पडटत. मगेर धाचे वीस, शंभर जातत, बाबाच्या मनांत येयत तसा.

बाबाची नवी सकाळ स वरांचेर सुरू जाता. सगळां आटपून सातांक तो तिठ्यार हजर आसता. घराकडेन च्या पितलोच असां ना. ती त्याका शंकराच्या च्याच्या हॉटेलार मेळटा. थंय तो नंबर कळासर बसता. भाजीपाव, भर्जी खाता. शंकर च्याचां हॉटेल चलयता आनी मटकोय घेता. थंय बऱ्याच लोकांची ये जा आसता. सकाळच्या णव साडेणवांक बाजारान नुस्त्याक याता. बाबाचां नुस्त्याकाशिवाय जमाना. तो बरां सुवादीक नुस्त्याक वेवस्थित पारखून घेता. किंतक्यांय म्हारग आसलां तरी बऱ्यांतलां बरां निस्त्याक विकत घेता आनी घराकडेन पावयता. थंय तो वांणपाण करीना. घरांतलींय खूश. नुस्त्याक पावोवन जालां काय परतून तिठ्यार पावता. एक वाजांक परतून घराकडे. वेवस्थित जेयता. जेवन जातकत देवळाकडे वयता आनी थंयच दोन वरां ताणून दिता. साडेचारांक परतून तिठ्यार. परतून दुसरो नंबर कळासर तो थंयच आसता. रातच्या आठ वरांचेर परतून घराकडेन. जेयलो काय घरांतल्या पडवेंत बाकारच न्हिदता.

बाबाक शेत आसा. पूण तां भाटकाराचां. बाबाच्या बापायचां नांव थंय कूळ म्हूण लागलां. बापूय आसासर शेतांत खूप राबलो. शेतांत पावसाच्या दिसानी सगळा मेळान म्हयनोभर काम. ना म्हूटल्यार थंय पांच खंडी भात पिकता. तां वरासभर खावपाक मेळटा. बाबाक बायल बरी मेळळी. तीच शेतांचा सगळां बघता आनी शेतांत राबता आनी मगेर भात सुकोवन दवरपाचां बघता. झिलय हातभार लायतंत. डिसेंबर म्हयन्याक थंय बायल मिरसांगें लायता. बाबा फकत नावांक. फकत काम कसां चलता तां बघता. कामेच्या मनायाची सोय करता आनी आपली वाट धरता.

बाबा आनीक कसलां काम करीना. फांटली साठ वर्सां तरी करूंक ना. मटको आनी जुगारार

त्याचा सगळां चलता. जुगार म्हूटल्यार कॅसिनो आनी क्लबांतलो न्हू, सर्वसामान्याचो जात्रेंतलो पट. आतांसा त्याका जमाना, पूण एका काळार तेणी गोंयांतले आनी महाराष्ट्राच्या सिंधुदुर्गांतले सगळे जात्रा केले. जात्रा म्हूटल्यार त्याच्या दृश्टीन ज्या जाग्यार देवाच्या सणा उत्सवाक दशावतारी नाटकां जातत आनी जुगाराचे पट बसतंत ती जात्रा. खंयच्या देवाची खंयच्या तिथीक जात्रा आसा तां बाबाक इचारूचां, मगेर तो सगळां सांगता. सगळे जुगारी त्याच्या वळखीचे. एका काळार खास मोटर सायकल करून तो सगळे गांव भोंवला. पेट्रोमॅक्सच्या उजेडांत पटार खेळ्ळा. खूब पयशे हरलो आनी पादीशेर जालो असां क्याँवा जांवक ना.

तशे सगळे दशावतारी कलाकारय त्याका वळाखतंत. पटार खेळान जाल्या उपरांत फांतोडेर दशावताराचां अर्दा नाटक तरी तो बगतांच. नाटकांतल्या पात्रांक बरां काम केल्यार पन्नास, शंभर रुपयाची बक्षीसांय दिता. नाटक थांबोवन दशावतारी मगेर एक कलाप्रेमी म्हूण तेचे आभार मानतंत त्यांवा त्याका खूब खोशी जाता. जात्रा सोपलें काय एप्रिल मे म्हयन्यांत दशावतारांक काम नसता. जुगारी मगेर त्यांका गोयांत हाडून खंयच्याय देवळाकडेन तेंची स्पेशल नाटका लायतंत. नाटकाचे पैशे आपूणच दितंत. नाटक कोणय बघू. पूण जुगाराचो पट चलांक जायो. सगळ्यांक वेवस्थित हप्ते पावयले काय कोणाचीच धाड पडाना. कलेचीय कदर जाता आनी धंदोय चलता.

बाबाचां एक मात बरां आसा. एकदम मोठो मटको लागलो वा पटार पैशे इले जाल्यार तेतूंतले अर्दे पयशें तो घरच्यांक दिता. ना जाल्यार घरांत कसली तरी वस्तू हाडटा. बाबाक दोन चेडवां आनी दोन झील. चेडवां मोठीं, तेचे फांटले झील. पयलां चेडू जालां त्यांवा त्याका 39 हो नंबर लागललो. बरेच पयशे मेळळले. उपरांत झिलाच्या वगतार तर डबल पत्ती लागली. चाळीस वर्सांपयली एकदम 50 हजार हातींत इले. ते खातीर हो नंबर त्याका खूप लकी दिसता. मोठ्या दबाज्यान बारसो केलो आनी झिलाचां नांव रतन दवरलां. आतां मटको खेळताल्याक रतन खत्री कोण ह्यां सांगपाची गरज ना. मोठ्या लाडान आनी श्रद्देन दवरलालां नांव तां. त्या दिसा उपरांत 3 आनी 9 हो नंबर तो धरून खेळटा. क्याँवा क्याँवा वांयस्सो चुकता, पूण बऱ्याच वेळा येताय येता. माका याद आसा. मी पयली स्कूटर घेतली त्यांवा बाबा माका घराकडेन सोदीत इल्लो,

''हि घे तूका भर्जी, तुज्या स्कुटरीचो नंबर लागलो माका. सगळी पत्तीच आलटून पालटून लायल्ली. इली. तु काय लांवक ना मरे. अरे देवाक पेढे घेवन गेलंय, त्याच वेळार शंभर रुपया काडून नंबराचेर लायल्लय जाल्यार फायदो जावपाचो.''

मी क्याँवा मटक्याचो नंबर लांवक ना पूण त्या दिसा उपरांत स्कूटरीच्या नंबर प्लेटीवयलो नंबर लांवक ना हेचे चुरचुरे दिसले. फुडें मी धा वर्सानी मारुती घेतली त्यांवा गाडयेच्या नंबरार एकदम 1000 रुपया कोणाकडे तरी दिले आनी लांवक सांगले. पूण नंबर येंवक ना. चार दिसानी बाबा इलो,

''हे घे सामोसे, चार दिस तुज्या गाडयेचो नंबर धरून खेळळय. 3939. अरे माजो लकी नंबर तो. मी तसो सोडतंय!''

बाबाचां ह्यां असां. त्याच्या सगळेकडेन लक्ष आसता. गावांत कोणी नवीन गाडी घेतली जाल्यार त्याच्या गाडयेचो नंबर तो हमखास लायता. येयसर धरून खेळटा. नंबराचा गणित त्याका बरोबर कळटा. तीस चाळीस वर्सां पयली गावांत इंटरनेट नसला, टेलिफोन नसलो. त्यांवा सकाळफुडें वचान तो बेळगांवांतल्यान येवपी पेपर हाडी. मी तो तेचेकडल्यान फूकट वाची.

''आयज काय इलां रे पेपरार?''

''काय इलां तां तू वाच.''

''म्हणजे?''

''माका खंय इतक्यां बारीक वाचूंक येता. माकां फकत त्याच्या भितरलां पांचव्या पान जायां. तेचेर आकडे आसतत.''

सदीं पेपर हाडपाचां त्याचां ह्या गणित माका खूप उसरां कळळां. त्या काळार फकत मटक्या खातीर हो पेपर खूप जण विकत घेयत. एकोणिशचे ऐंशी ते णव्वदच्या दसकांत हो पेपर खूब फामाद जाल्लो. तेचेर मटक्याचे नंबर आनी पॉकेट-कार्टुना येयत. मटको खेळपी लोक तेचो अर्थ लायत आनी त्या प्रमाण नंबर लायत. त्या उपरांत मटक्याचे नंबर प्रसिद्ध करपाक सरकारान बंदी हाडली. मटको टेलिफोनार कळपाक लागलो आनी बाबान पेपर हाडपाचो सोडलो. आतां जुगार खूपच बदलला. त्या वेळार मटको फामात जाता तां बघून सरकारानच आपली लॉटरी स्टार्ट केली. आतां कॅसिनोक परवानगी दिवन सगळेकडेन कॅसिनोचेंच राज्य दिसता. व्हडले व्हडले पैशेकार थंय वयतंत. लूट आनी मारामारी जाता. पूण पोलिसांची धाड पडटा ती मांत मटक्यार. मटको कायदेशीर करूंक जायो असां खूप जण सांगतंत, पूण तसां जांलां जाल्यार सगळ्यांचेच हप्ते बंद जातले. म्हूणान बंद करपाचे भानगडींत कोण पडाना. सगळां जग बदललां पूण मटको मांत बदलूक ना. तेतूंत आसा तो विस्वास. सगळो वेव्हार रोखठोक. एक रुपयाय हडेन तडेन जावचो ना. सगळां एका साद्या स्लिपीचेर चलता. बाबा सारके लोक तर फकत मटक्यारच जगतंत.

बाबाक राजकारण, समाजकारण सगळां कळटाच असा न्हू. पूण तो मटकेवाल्याचां राजकारण बरोबर सांगता. गोंयच्या राजकारणांतले कोण कोण बुकी आसले आनी मगेर कशे आमदार आनी मंत्री जाले हेंय सांगता. सांगता म्हूटल्यार बडबडटा असां न्हू. फकत विचारल्यारच तेंची गुपितां सांगता. ह्या धंद्यांतल्या सगल्या लोकांक तो वळखता आणि कोणाकोणांक कशे पैशे पाववपाक जाये हेंय सांगता. मटक्याचेर बंदी हाडपाचेर खूपजण गलाली करतंत, कोर्टात वयतंत, मगेर बाबाचां आयकपाचां,

''बंदी हाडपी खूप बगले, दोन दिस नाटकां करतंत आनी मगेर वगी बसतंत, कोण सापडात त्याका वगीच धरून व्हरतंत, आतां मेरेन माकाच धा फावटी भितर उडयलो. मटको लायलो हो कसलो गुन्याव, मी काय कोणांक नागौवपाक वचांक ना वा कोणांचा घेवन खांवक ना, पैशे माजे, लायतलंय मी, ह्यांका माका धरपाचो कसलोच अधिकार ना. आता कोण मटको घेतत त्यांका एक धरून व्हरतंत तां बरां आसा.''

''काय करतंत रे धरून व्हरान?''

''काय करतले, बरी च्या बी दितत, वांयस्सो वगत दवरतंत आनी सोडून दितंत. हेंतून पोलिसांची चुकी ना. वयल्यान आदेश इल्या उपरांत वांयश्शी नाटकां करतंत?''

''कितक्यांय जालां तरी मटको खेळपाचेर बंदी आसा न्हू रे?''

''फकत मटक्याचेरच बंदी कित्याक, हाडताच जाल्यार कॅसिनोचेर हाडात मरे, थंय कोटीच्या कोटी मरे, आमच्यारे शंभर दोनशीं रुपयार कित्याक?''

''खऱ्यानीच सरकारान मटको बंद केलो जाल्यार?''

''आजून मेरेन कोणाकच तां जमांक ना. रतन खत्रीक धरपाक ह्यांका जमलो ना? कशे धरतले?,

तेणी आमचां जसां कल्याण केलां तसां राजकारण्याचां आनी पोलिसांचाय केलां. आतांय तांच चल्लां. ह्यांका दिसाच्या दिसा हप्ते पाववपाक जाये. ते पावानंत जाल्यार मगेर धरपाची नाटकां.''

बाबान कोणांचांच वायट करूंक ना. बाबा आतां जाणतो जाला. जात्रेक भोंवपाचे दिस सोपले पूण आजून मडको सोडूक नां. जमाना तरीय चलत तिठ्यार वयता आनी नंबर लावन येता. चार भूरग्यांक जल्मांक घातलीं पूण तेंची दबाज्यान लग्ना केलीं ती मटक्याच्या नेटार. भुरग्या बालयेक कायच कमी पडांक दिंवक ना. लोकांक दिसलालां, बाबा फाटल्यान त्याच्या झिलाकय मटक्याचां व्यसन लागतालां. पूण तसां जांवक ना. झिल बरे शिकले, बाबानच आपल्या पैशानी शिकयले. दोगय सरकारी कामांक. कामा म्हूण फुकट जांवक ना. पैशे दिंवचेच पडले. बाबा इल्ले इल्ले पैशे बायलेकडेन दितालो. ते बायलेन साटोवन दवरलले. तेच कामांक इले.

आतां मांत परिस्थिती बदलल्या. चार वर्सां फाटीं बायल मेली आनी बाबाची फरफट सुरू जाली. सगळो कारभार सुनेच्या हातींत. झिल सकाळचे कामांक वयतंत आनी तिनसाना घरांत येतंत. सासू आसासर सुनांनी जाब काडूंक नसली. पूण आतां बोलांक शिकल्यात. सुनांक मटकेकाराचो सुनो म्हूणटकत राग येता. फांटी सस्त्यांत चलता आसताना खंयच्या तरी दिल्लीकारान तेचेर गाडी मारली आनी त्याका उडयलो. पांय मोडले आनी त्याका आतां प्लास्टर घातल्यात. ते खातीर बाबाक आतां तिठ्यार वचपाक जमाना.

कोणच ना तर बाबाक पंदरा वर्साचो नातू आसा. त्याका बाबान मोबायल घेंवन दिला आनी बँकेंत खातेंय उघडला. ते खातीर तेचें आज्यार विशेश प्रेम. मटको आतां मोबायलार येता. ''आज काय इलो'' ह्यां बघपाक आतां तिठ्यार वचपाची गरज ना. आज्यान नातवाक मटक्याची भाशा शिकयल्या. तो आतां तां वेवस्थित करता. आज्याक पत्ती, ओपन, क्लोज, जोडी काय इली ह्यां वेवस्थित सांगता. आजो मगेर नातवाकडेन हळूच पैशे दिता आनी घरांत कोणांक कळानासताना नातू तिठ्यार वचून ते मटक्याचेर लावन येता. आज्या फाटल्यान नातू वारी चलयता.

संकट इल्यार तां दोनय वाटेन येता. बाबाचां शेतांत कोणीतरी घुसखोरी केल्या. थंय नेटान बांधकामाची तयारी चलल्या. बाबाच्या कुटुंबाक विचारीनसताना भाटकारान शेत एका दिल्लीकाराक विकलां आनी तेणी थंय बांधकामाचे पत्रे लायल्यात. बाबाचे झिल विचारूंक गेले पूण थंय त्यांका वचपाक दिंवक ना. धा पंदरा बाउंसर. ते दादागिरी करतंत. तूमचां हंय कायच काम ना म्हूण सांगतंत. बाबा बरोबर हेर चार जणांचीय शेंता विकली. भाटकाराचो कारभारय आतां भलतेच बघतंत. त्यांच्यांनी कानार हात दवरले. तूमचां हंय कायच ना म्हूण सांगलां. बाबाचो बापूय पयली भाटकाराक खंड भरतालो. उपरांत बाबान तो भरपाची काळजी घेंवक ना. भाटकारानय तो विचारूंक ना. ते खातीर कसलींच कागदपत्रां ना. पंचायतय आयकान घेयना. शेतांत आतां 100 विला येतले अशे कळटा. थंय तशें बोर्ड लायल्यात. त्यांका टि.सी.पी. आनी ग्रामपंचायतीचां परमिशन आसा. लोक प्रस्न विचारतंत,

''शेतांत विला?''

''इतकी वर्सां शेत करून भाटकार कसो काय तीं विकपाक शकता. कुळाक कसलोच अधिकार ना?

''टि.सी.पी. आनी ग्रामपंचायत ह्याका कसो काय परमिशन दिवपाक शकता?''

लोक कायय म्हणू. पूण ह्या सगळ्या प्रस्नाचां उत्तर एकच आसा – 39 अ ह्या कलमाचो वापर

करून शेतजमिनी रुपांतर करूंक येतंत. पैशे मेजल्यार कायय शक्य आसा.

बाबाची हालत सद्धया कुत्र्याक नाका. एक्सिडंट जाल्ल्यार सामकोच जाग्यार पडलो. त्याका आतां दोन म्हयने जाले तरी बरां जावपाची लक्षणा ना. 39 आनी 39 अ म्हणजे काय तां शेवटमेरेन त्याका कळांक नसला. आतां तर त्याका कायच नाका. त्याका आता त्याच्याच जिवाची शाश्वती ना. पूण नातवाक तेणी सांगान दवरलां,

''फाल्या सकाळीं जर काय माजां बरां वायट जालां, तर 39 चेर दामून पैशे लाय.''

❑



भग्नावशेशांतल्यान भोंवपी साहित्यकार लास्लो क्रास्नोहॉर्काय

शैलेन्द्र मेहता

मनरिजवण करपी आनी सांत्वन दिवपी सोबीत वाक्यांनी संवसार सजोवपी अनेक लेखक आसात. आनी दुसरे वटेन लास्लो क्रास्नोहॉर्काय सारके लेखक आसात, जे वाचप्याक थाकाय दिवपाक न्हय तर सादारण जिणे खाला आशिल्लो भंय उक्तो करपा खातीर बरयतात. ताका वाचप म्हणल्यार कादंबरी वाचपा बदलाक एके भग्न वेवस्थेंत भितर सरप, जंय वादळां येतात, रस्ते चिखलांत विरगळटात, ना नपयत जाल्ल्या गांवांनी आशेची झळक दिसता आनी पयस खंय तरी कोणूच पुरायपणान सांगूंक शकना अशा कारणांक लागून इगर्जीच्यो घांटी वाजतात.

विचारसरणी, नोकरशाय आनी झुजाच्या मानसीक भग्नावशेशांनी विभागिल्ल्या युरोपांतल्यान 1954 वर्सा हंगेरींतल्या ग्युला हांगा जल्मल्लो क्रास्नोहॉर्काय उदेलो. ताच्या तरणेपणाच्या काळांत हंगेरी ही एक अशी सुवात आशिल्ली, जंय वेवस्थेची अधिकृत भास चडशी फट उलयताली आनी वास्तवाविशीं फकत फुतफुतप जातालें. अशा समाजांत वण्टींची तोखणाय करपी आनी फटींचो अभ्यास करपी अशे दोन तरेचे कलाकार तयार जातात. क्रास्नोहॉर्काय हो दुसऱ्या वर्गांत आस्पावता.

ताचो साहित्यीक संवसार ऱ्हास, प्रलय, अपेशी मुक्तताय, भावुकतेचो अतिरेक आनी मनाचेर घाय

करपी विनोद हांचे खातीर फामाद जावपाचो आशिल्लो. तरी ताचे बरपावळीचें वर्णन फकत उदास अशें करप अचूक जावंचेंना. ताच्या पुस्तकांतल्या भग्नावशेशाच्या सकयल एक गूढ भूक आसा: कितें तरी शुद्ध, पारलौकिक. अजूनय त्या भग्नावशेशांत लेगीत जियेवंक शकता अशी इत्सा.

हंगेरी, इतिहास आनी मोनेळाचो भार

क्रास्नोहॉर्कायक समजून घेवपाखातीर ताका घडवपी इतिहासीक दीश्टीकोन समजून घेवचो पडटा. विसाव्या शेंकड्यांतलो मध्य युरोप ही संकश्टाची प्रयोगशाळा आशिल्ली. साम्राज्यां कोसळ्ळीं, फॅसिझम उदेलो, ताचे उपरांत साम्यवाद आयलो, क्रांती चिड्डून उडयल्यो आनी सादारण नागरिक ओग्गी रावन सगळ्या गजालींचेर अविश्वास आसून लेगीत आज्ञाधारक दिसपाची धोक्याची कला शिकले.

अशा वातावरणांत भासच दुबावीत जाता. अधिकृत भाशणां प्रगतीची घोशणा करतात जाल्यार रस्ते रिते जातात. दिसाळीं उत्पादकतायेची परब मनयतात पूण निरशेणी रांदचे कुडींनी आनी कारखान्यांनी शांतपणान पातळटा. क्रास्नोहॉर्कायाच्या गद्याक ह्या अविश्वासाक लागून आकार मेळ्ळा हें जाणवता. ताचीं वाक्यां हेवटेन तेवटेन भोंवतात, घुंवतात, परत परत येतात आनी वयर उडटात कारण घोशणांची वेवस्थीत भास मोडून पडिल्ली वास्तवताय पितारुंक शकना.

जायत्या अस्तंती वाचप्यांक झुजा उपरांतचे मध्य युरोपीय साहित्य विडंबनांतल्यान वाचूंक मेळटा. देखीक, मिलान कुंदेराचे बुदवंतकायेवरवीं वा काफ्का कडल्यान दायजान मेळिल्ल्या नोकरशायेच्या वायट सपनांवरवीं. क्रास्नोहॉर्काय तांचे परस चड खर आनी वेगळें कितें तरी दिता. इतिहासान समाजाची मज्जासंस्था इबाडल्या, अशें तो बरयता.

सेटनटँगोचें आगमन

1985 वर्सा लास्लो क्रास्नोहॉर्कायन 'सेटनटँगो' (Satantango : सैतानाचो नाच) ही आपली पयली कादंबरी उजवाडायली तेन्ना फकत एका नव्या आशादायक कादंबरीकाराची वळख जालीना. तातूंतल्यान युरोपीय साहित्यांत एक नवी मुळावी संवेदनशीलताय आयिल्ल्याची घोशणा जाली. मंदपण, मूर्खपण, भंय आनी नैतीक अस्पश्टतायेक भियेनाशिल्लो एक लेखक उदेलो. ज्या युगांत जायते कादंबरीकार सरळ-सोंपो वास्तववाद वा फॅशनेबल भास हांचे फाटल्यान लागिल्ले त्याच युगांत सेटनटँगो उसू पडिल्ल्या शेतांनी वादळा भशेन भितर सरली. क्रास्नोहॉर्कायक परंपरीक अर्थान काणी सांगपाची आवड ना हें वाचप्यांक रोखडेंच कळ्ळें. कोसळपाची गतीच ताका उतरांनी धरपाची आशिल्ली.

विसाव्या शेंकड्यांतल्या समाजवादी नोकरशायेच्या सपनांनी तयार जाल्ल्या आनी तिच्या अपेसांक लागून फाटीं उरिल्ल्या त्या वातावरणांमदली ही कादंबरी गांवगिऱ्या हंगेरींतल्या पडिंग जाल्ल्या सामुहीक शेतांत घडटा. गळपी पाखीं, रिते गोठे, दुबाव आनी निश्क्रियता हातूंत शासनवेवस्थचीं भव्य आश्वासनां विरून गेल्यांत. गांवचे लोक चिखल, बेबदेपण, ल्हान व्हड दुस्वास, उपाशीं पोटां आनी दिसपट्ट्यो अनुत्पादक भोगावळी हांचे मदीं जियेतात. ते भियेनाशिल्ले शेतकार वा श्रमाचो अभिमान बाळगुपी कामगार न्हय. ते भियेल्ले, तडजोड केल्ले, चड करून हास्यास्पद लोक जे फुडलो दीस सारपाचो यत्न करतात.

ही कादंबरी मंत्रमुग्ध करून सोडपी. ती फकत एक काणी सांगीना. तिचें एक व्हडलें बळगें म्हळ्यार क्रास्नोहॉर्कायान भावनेक दिल्लो न्हयकार. सेटनटँगोतली गरिबी उदात्त ना; ती कळमेल्या. दुखखाक लागून लोकांमदीं आपशींच एकचार निर्माण जायना. तातूंतल्यान चड करून फटवणूक, मत्सर, संदवाद आनी क्रूरपण निर्माण जाता. तरी ह्या लोकांचो तो निशेध करिना. दीर्घकाळ निरशेणेक लागून चरित्र विकृत जाता हें ताका समजता. गांवचे लोक इतलो काळ परिस्थितीक शरण गेल्ल्यान तांचें नैतीक जिवीतच कुसपाक लागलां.

अशा ह्या सांचिल्ल्या संवसारांत इरिमियास ह्या मनशा विशीं अफवा पातळटा. तो मेला पूण आतां तो परत येता अशें लोक फुतफुततात. हे गजालींक लागून थंयचें वातावरण बदलता. तो तारणहार काय एक गुन्यांवकार? काय एक प्रेषित? काय एक आत्मविस्वास आशिल्लो फटींग? कोणाक खबर नासता. कसलीच निश्चीतताय ना पूण म्हत्वाचें म्हणल्यार तो शक्यतायेचें प्रतिनिधित्व करता. आशा सोंपिल्ल्या समाजांत फटींग मनीस लेगीत चमत्कार करपी दिसूं येता.

इरिमियास हें आर्विल्ल्या म्हान साहित्यांतल्या व्यक्तींमदलें एक म्हत्वाचें पात्र कारण तो अविचारी मनस्थितीचें मूर्त रूप. श्रद्धा प्रेरीत करपा इतलो करिश्मा आशिल्लो, वेगवेगळ्या लोकांक वेगवेगळे अर्थ सांगपा इतलो अस्पश्ट आनी आकांक्षाचें रूपांतर आज्ञापालनांत करपी. कांय जाणांक ताचे भितर फुडारपण जाय असता, कांय जाण ताचे वरवीं सूड घेवंक सोदतात तर कांय जाण पळून वचूंक. तो सामुहीक गरज प्रक्षेपित जावपी पड्ड्यावरी.

हाकाच लागून ही कादंबरी समकालीन दिसता. दर युग आपले इरिमियास आकृतीबंध निर्माण करता – पुनर्स्थापणूक, स्वाभिमान, व्हडपण, न्याय वा शुद्धीकरणाचें उतर दिवन गोंदळांतल्यान भायर काडपी फुडारी. दावी – उजवी विचारसरणी, धर्म, राश्ट्रवाद, तंत्रगिन्यान वा सुदारणा अशी वैचारीक मुस्तायकी ताका घालूं येता. पूण यंत्रणा तशीच उरता: पयलीं निरशेणी निर्माण करपी वा शोशण करपी, मागीर स्वताक वखद म्हूण अर्पण करपी.

कादंबरीची मांडावळ टँगो नाचाच्या पावलां सारकी. स अध्याय फुडें, स अध्याय फाटीं. फुडें प्रगती करिनासतना टँगो नाच इतिहासीक गतीचें रूपक जाता. लोक हालतात, पूण खंयच पावनात. येवजण्यो येतात, युती जातात, पयशे हात बदलतात, प्रवास सुरू जातात. पूण आध्यात्मिक आनी राजकी नदरेन सगळेच एकाच दुश्ट चक्राभितर आडखळून पडटात.

ही फकत एका गांवाची काणी न्हय. ती जायत्या समाजांची कथा. राश्ट्रां नवें युग, क्रांती, सुदारणा, वेंचणूक, उदरगत येवजण्यो, डिजिटल भविश्य, भ्रश्टाचार विरोधी झुजां जाहीर करतात. नागरिक आशेन मुखार वतात, मागीर निराश जावन फाटीं येतात. संगीत बदलता; पावलां परत परत फाटीं फुडें जातात.

पूण फकत रूपक न्हय, तर कादंबरींतलें वातावरण लेगीत असादारण. हवामान इतलें बळिश्टपणान चित्रित करपी कादंबरी उण्योच आसात. ह्या पुस्तकांतलो पावस हो फकत एक दृश्य न्हय; तें नशीब. चिखल ही फाटभुंय न्हय; ती एक शासन शक्त. रस्ते विरगळटात, इमारती खिळखिळ्यो जातात, पावलां ओडटात, आत्मे बुडटात. काळ स्वता उदकांत बुडिल्लो दिसता. वरां विचित्र रितीन ताणून रावतात. दीस फुडें वचचे परस व्हांवतात.

क्रास्नोहॉर्कायचें गद्य लांब वाक्यांनी, सतत प्रवाहावरवीं वाचप्याक विचार, भंय, निरिक्षण आनी

दहशत हांचे मदल्यान व्हरतात. ताची शैली सोंपे विराम न्हयकारता कारण पात्रां स्वता विसव नासतना वास्तवांत रावतात. आनी तरी लेगीत कादंबरी क्रूरपणान विनोदी आसा. लोकांक पिश्यो करपी येवजण्यो, बढायो मारपी मूर्ख, घाणयाऱ्या सालांनी केल्लीं भव्य भाशणां, ल्हान ल्हान विस्वासघात. नोकरशायेचे अवशेश चड करून दुख्खा वांगडाच प्रहसन निर्माण करतात. तो दुख्खाचो विनोद जाता.

कादंबरींतलो गांव समाजवादी हंगेरीच्या निमाण्या काळांतलो, पूण तो खंयचेय अपेस आयिल्ले वेवस्थेचो सोडून दिल्लो खंयचोय प्रदेश आसूं येता. उद्देगीकरणा उपरांतचीं शारां, विसरून गेल्लीं शेतां, बेकारीक लागून बकाल जाल्लीं उपनगरां, जागतीकीकरणाक लागून फाटीं उरिल्ले समाज. जंय जंय लोकांक वेवस्था भायर उडयता थंय थंय भाशणां चलन जातात. ही कादंबरी विसाव्या शेंकड्याच्या शेवटाच्या युरोपांतली एक व्हडली साहित्यीक कृती. एक काबार जाल्ल्या गांवाचें वर्णन केल्ल्यान न्हय; पूण प्रगतीच्या नांवान पुराय संस्कृताय थंयच्या थंयच कशी नाचता हें दाखयता देखून.

पयलेच खेपे वाचप्यांक क्रास्नोहॉर्कायच्या वाक्यांची रचणूक समजून घेवची पडटा. बरेच कडेन वादळी कुपां वरी परिणाम करपी एक वाक्य पानभर वा ताचेपरस व्हड आसूंक शकता. हो अलंकार न्हय. ती ताची खाशेली पद्दत. ताची वाक्यरचणूक दबावाखाला चैतन्य उक्तें करता. ही रचणूक विश्रांती घेवंक शकना. वाचप्याक ती लयबद्ध सक्तीन मुखार ओडटा. वाक्य म्हळ्यार प्रार्थना वा भंयकर आक्रमण आसूं येता.

मानसीक तीव्रतेच्या विशयांत कांय समिक्षक ताची तुळा थॉमस बर्नार्ड, डब्ल्यू.जी. सेबाल्ड वा दोस्तोयव्हस्की हांचेकडेन लेगीत करतात. आपल्या गद्या वरवीं तो एक चक्रव्यूह बांदता. ह्या चक्रव्यूहा भितर अजापीत करपी सुक्ष्मताय आसा. ल्हान ल्हान तपशील स्पश्टतायेन तो मांडटा. ताचें हें अराजक बारीकसाणीन नियंत्रित केल्लें आसता.

द मॅलन्कली ऑफ रेसिस्टन्स : राजकारण म्हळ्यार कार्निवाल

'द मॅलन्कली ऑफ रेसिस्टन्स' ही ताची कादंबरी म्हळ्यार नागरी खंडनाची एक उत्कृश्ट कलाकृती. ही तत्वगिन्यानी कादंबरी ल्हवू ल्हवू अराजक, भंय हातूंतल्यान नैतिकता काबार जाल्ल्या समाजाचें चित्रण करता. हंगेरीच्या एका उदास शारांत घडिल्ले हे कादंबरीची सुरवात एका गूढ सर्कशीच्या आगमनान जाता, तातूंत एक व्हडलो मेल्लो व्हेल आनी एक अदृश्य 'प्रिन्स' हांचो आस्पाव आसता, जाची हाजीरी शारांतल्या लोकां मदीं अशांतताय निर्माण करता. सुरवेक जें विचित्र आनी व्यर्थ दिसता तें ल्हवू ल्हवू हिंसाचार, भिरांत आनी राजकी अराजकांत रुपांतरीत जाता.

परकीपण, संस्कृतायेची नाजूकता, निरंकुशता, समाजीक नीतिमत्तेचो इबाड हांकां प्रतिकार करपाक बुदवंतांची असमर्थताय हे विशय हे कादंबरींत सोदून काडल्यात. क्रास्नोहॉर्काय हातूंत मनशाचें अस्तित्व खोलायेन अनिश्चीत आनी अस्थीर अशें सादर करता, जंय सुवेवस्था फकत तात्पुरती आसता आनी दिसपट्टे जिणेखाला अराजक जावपाची भिरांत आसता.

तातूंतलें एक केंद्रीय पात्र वालुस्का निरपराधी आनी भुरग्या सारकें आसून भोंवतणचो समाज विघटन जाता आसतना लेगीत संवसाराचें अजापीतपणान निरिक्षण करता. ताचे वरवीं कादंबरी शुद्धताय आनी कल्पनाशक्त हांचे कडेन क्रूरपण आनी सामुहीक पिशेंपण हांची विपरीतताय दाखयता.

उदेंत युरोपांतल्या कम्युनिस्ट राजवटींच्या निमाण्या काळांत राजकी सत्ता कोसळपाचें रूपक असो

हे कादंबरीचो अर्थ काडटात, पूण तातूंतले विशय सार्वत्रिक. गर्दी कशी नियंत्रणात हाडूं येता, भंय तर्कशुद्धताय कशी नश्ट करता आनी जुलमी परिस्थितींत मनीस मनीसपण सांबाळपा खातीर कसो झगडटा हाचेर तातूंत विचार जाला.

वॉर अँड वॉर : पारलौकिकता आनी निरर्थकता हांचेमदलो ताण

'वॉर अँड वॉर' ही ताची समकालीन युरोपीय साहित्यांतली एक अस्वस्थ आनी तत्वगिन्यानी नदरेन खर कादंबरी. 1999 वर्सा उजवाडाक आयिल्ले हे कादंबरींत हंगेरीच्या एका ल्हान शारांतलो एकटो आनी मानसीक नदरेन नाजूक अभिलेखकार ग्योर्गी कोरीन हाका प्रांतीय अभिलेखागारांत एक गूढ हातबरप मेळटा. ह्या मजकूरांत अफाट म्हत्वाचें सत्य आसा हाची खात्री करून तो स्वताचें जिवीत सोंपचे पयलीं इंटरनॅटाचेर अपलोड करून तें सदां खातीर तिगोवन दवरपा खातीर न्यूयॉर्क शारांत वता.

कादंबरीची रचणूक भौतीक प्रवास आनी तत्वीक वंश अशा दोनूय प्रकारांनी केल्या. कोरीन स्वता एक काफ्काच्या साहित्यांत आशिल्ल्या पात्रावरी आकृती. दुखेस्त, चिंतेस्त, वेसनाधीन, विक्षिप्त आनी तरी लेगीत सोबीतकाये विशीं खोलायेन संवेदनशील. ताका मेळपी हातबरपांत इतिहासाच्या वेगवेगळ्या युगांतल्या चार गूढ मनशांची भोंवडी सांगल्या. कोरीनाच्या अस्थीर चैतन्यांत वाचप्याक बुडोवन क्रास्नोहॉर्काय एक संमोहनात्मक ताल निर्माण करता. कादंबरी भंय, निराशा, विसंगती आनी खिणयाळ्या पारलौकिकतायेचें वातावरण तयार करता. अस्पश्ट वेवस्थेंत आडखळून पडपी व्यक्तींचें चित्रण करपाची ताची तांक आशिल्ल्यान आनी अस्तित्वांतल्या अराजकाक लागून समीक्षक क्रास्नोहॉर्कायची तुळा फ्रांझ काफ्का आनी थॉमस बर्नहार्ड हांचेकडेन करतात.

कादंबरींतलो एक नदरेक पडपी विचार म्हळ्यार तातूंत स्थायित्व आनी विस्मृती हांचेर ध्यान. इंटरनॅट हातबरपाक आपूणअमरत्व दिवंक शकता अशें कोरीन मानता, तरी लेगीत खऱ्या अर्थान काळ, हिंसाचार वा मनशाच्या उदासीनतेंतल्यान कितें जियेवंक शकता असो प्रस्न कादंबरींतल्यान उप्रासता. कला सांबाळपाचो यत्न उदात्त आनी व्यर्थ अशे दोनूय प्रकार जातात. पारलौकिकता आनी निरर्थकता हांचेमदलो हो ताण.

हेर बरपावळ आनी चित्रपट निर्मणी

ह्यो तिनूय कादंबऱ्यो वाचल्याउउपरांत तांचो परिणाम मनाचेर बरोच वेळ तिगून उरता. हांवें वाचूंक नाशिल्ल्यो ताच्यो हेर कादंबऱ्योय फुडें केन्ना तरी वाचपाची खर ईत्सा आसा. 'बॅरन वेंकहायम्स होमकमिंग' ही ताची कादंबरी एका बारांवाची मूळ गांवांत परत येवपाची काणी, जाल्यार 'हर्श्ट 07769' ही काना नांवाच्या उदेंत जर्मनीच्या पोरन्या शारांत घडिल्ली कादंबरी नवनाझीवाद, तत्वगिन्यानी भंय, एकसुरेपण, बाख हाचें संगीत आनी प्रलय जावपाची शक्यताय हांचो अभ्यास फ्लोरियन हर्श्ट ह्या दुखेस्त व्यक्तीचे नदरेंतल्यान करता. क्योटो हांगाचे मोनॅस्टरीची फाटभुंय आशिल्ली 'अ मावंटन टू द नॉर्थ, अ लेक टू द साथ, पाथ्स टू द वेस्ट, अ रिव्हर टू द ईस्ट', 'चेसिंग होमर' आनी 'द लास्ट वुल्फ अँड हरमन' ह्योय ताच्यो कादंबऱ्यो उजवाडाक आयल्यात. द लास्ट वुल्फ अँड हरमन हातूंत दोन वेगवेगळ्यो कथा आसात. द वर्ल्ड गोज ऑन हो ताचो आनीक एक कथांचो संग्रह.

हंगेरीची चित्रपट निर्माती बेला टार हिचेकडेन केल्ल्या सहकार्यान क्रास्नोहॉर्कायची संवसारीक

नामना चड वाडली. तिणें सेटनटँगोचें रुपांतर सात वरांच्या चित्रपट माळेंत केलें आनी उपरांत ताचे वांगडा 'द मॅलन्कली ऑफ रेसिस्टन्स' चेर आदारीत वर्कमायस्टर हार्मनीज आनी द ट्युरिन हॉर्स ह्या सारक्या जायत्या प्रकल्पांचेर काम केलें.

कादंबरी भशेन हे चित्रपट लेगीत अधीर युगांत धीराची मागणी करतात. लांब, उदास दृश्य, मंद हालचाल आनी परत परत येवपी हावभाव मनरिजवणे परस ध्यानाकडेन लागींचो अणभव निर्माण करतात. ते चित्रपट पळोवप म्हळ्यार तांचो उपभोग घेवप न्हय, तर तांकां सोंसप. टार आनी क्रास्नोहॉर्काय हांचेमदली भागीदारी ही साहित्य आनी सिनेमा हांचेमदली एक व्हड आघाडी. वेग हो चड करून सत्याचो दुस्मान अशें दोनूय कलाकारांक समजल्लें. तांणी धांवपळ करपी समाज जें लिपोवन दवरता तें दाखयलें.

भग्नावशेशांचो धडो

हंगेरींत जल्मला आसलो तरी कास्नोहॉर्काय हो फकत थंयचो राश्ट्रीय लेखक न्हय. ताच्यो उपरांतच्यो कृती संवसारीक पांवड्यार पावतात: चीन, जपान, बाल्कन, निर्वासितपणाचे नांव नाशिल्ले वाठार आनी आध्यात्मिक सोद अशा विंगड विंगड फाटभुंयांचो तो आपले बरपावळींत प्रयोग करता. उदेंत आशियांतल्या कला आनी विचारांनी ताका खूब आदीं सावन आवड आशिल्ली. ताचेकडल्यान फकत काळखाची अपेक्षा दवरपी वाचप्यांक हाका लागून अजाप जाता. पूण ताच्या साहित्यांतली उदासीनताय केन्नाच शून्यवाद न्हय. तें शुद्धीकरण. विक्षेपाचें वेसन आशिल्ले संस्कृतायेंत तो एकाग्रतायेचो भोवमान करता.

आनीक एका कारणाक लागून तो म्हत्वाचो. तें म्हळ्यार, तो मंदपणाचो बचाव करता. वेग म्हळ्यार बुद्धिमत्ता असो गोंदळ घालपी युगांत आमी रावतात. आमी माथाळयांचेर वयले वयर नदर भोवंडायतात, शोकांतिका स्क्रोल करतात, वाचूंक नाशिल्ल्या पुस्तकांचो सारांश दितात आनी लक्ष हें वापरून भायर उडोवपाची वस्त अशें मानतात. क्रास्नोहॉर्कायचो वावर हे उतावळेच्या पुराय संस्कृतायेक प्रतिकार करता.

ताका वाचप म्हणल्यार तांक कितें तें परत शिकप. वाचप्यान ताच्या साहित्याची लय, अनिश्चितताय, घनता हांकां शरण वचूंक जाय. ताचीं पुस्तकां हाजीरी मागतात आनी आमी कितले गैरहाजीर जाल्यात तें उक्तें करतात. हें उच्चभ्रूपण न्हय. ती प्रतिसंस्कृताय.

ताची शैली खूब मजेशीरय आसा. ताचो विनोद रखरखीत, विश्वात्मक, निर्दय. ताच्या कथानकांनी उण्या पावंड्यावायले अधिकारी कांयच नाशिल्ल्या गजालींचेर भव्य येवजणी करतात. बौद्धिक जाणीव प्रहसन जावन कोसळटा. मनीस फालतू गजालींक नशीब मानपाची चुक करतात. विनोदाबगर निरशेणी फालतू थारता हें ताका खबर आसा. संवसार भयानक पूण तितलोच हास्यास्पदय. अत्याचारी चिखलांत निसरतात. प्रेषित फटींग आसतात. फायलिंग कॅबिनेटांनी भव्य येवजण्यो कुसतात. विनोद ताच्या वावराक गंभीरतायेंतल्यान सोडयता. दुख्ख तुच्छ आसा म्हूण न्हय, तर विसंगती दुख्खा परस वेगळी ना देखून तो हांसता. समाजीक अशांतताय वा राजकी गोंदळाच्या वेळार ताका वाचप अद्भूत अशें दिसूं येता. अधिकृत आवाज आनी सगळें बेस बरें आसा असो आग्रो धरपी वेवस्था अपेसांत पडटाच अशी भावना तो उक्तायता.

ताका 2015 इस्वेंत मॅन बुकर आंतरराश्ट्रीय इनाम मेळ्ळें आनी इंग्लीश भाशेंतल्यान ताच्यो कादंबऱ्यो लोकप्रिय जाल्यो. जॉर्ज स्झर्टेस आनी ऑटिली मुलझेट ह्या अणकारप्यांनी ताच्या साहित्याचो अणकार करून ताका एक व्यापक वाचकवर्ग मेळोवन दिलो. दर एका नोबेल हंगामांत ताचें नांव घुंवल्याउपरांत 2025 वर्सा ताका तो फाव जालो. 2002 वर्सांचो साहित्यांतलो नोबेल मेळोवपी इमरे केर्तेसा उपरांत हंगेरीचो तो दुसरो नोबेल पुरस्कार विजेतो.

❑

‘हांव वाचूंक सोदतां म्हजी वळख’ समीर झांट्ये हांचो नवो कवितासंग्रह

एस. डी. तेंडुलकार

बाब समीर झांट्ये हो आयच्या तरनाटे पिळगेंतलो एक समर्थ कोंकणी कवी. जाचे कवितेंत संवेदनशीलते बरोबरूच प्रयोगशीलताय लेगीत अणभवपाक मेळटा. हालींच तांचो ‘हांव वाचूंक सोदतां म्हजी वळख’ हो नवो काव्यझेलो ‘बिंब’ प्रकाशनान उजवाडा हाडिल्लो आसा. तांचो पयलो ‘लगोरी’ देड वर्सां पयली आयल्लो. रचना, विरचना, पुनर्रचना ह्या उतरांच्या अर्थपूर्ण खेळाची रचलेली ही काव्यलगोरी रसिकांनी हे आदीं अणभवल्या. तीच संकल्पना फुडें व्हरत कवी आतां आपल्या नव्या झेल्यांत ह्या विशयाचो धागो भितर गुंतपाचो यत्न करताना दिसता.

हांव वांचोवंक सोदता म्हजी वळख
हांव वाचूंक सोदता म्हजी वळख

हातूंत ‘वांचोवंक’ आनी ‘वाचूंक’ हाचेमदीं फरक आसा. वांचोवंक म्हळ्यार आनी वाचूंक म्हळ्यार. ह्यो दोनूय गजाली एकमेकांक पूरक आसात. वळख जाल्यारूच आमी ती वाचूंक पावतले. पूण कवी हांगा वाचूंक सोदता अशें म्हणटा म्हळ्यारूच ती वळख हांगा अजून पुरती स्पश्ट जावंक ना. कवी जरी हे बाबतींत डावटफुल आसलो तरीय वळख मेळटलीच हाचे बद्दल तो कॉन्फिडन्ट आसा. कारण कवी म्हणटा : ‘‘वळख हांसता सांगून, म्हजी वळख’’. ‘वळख’ आनी ‘म्हजी वळख’ हातूंत परत

फरक आसा. व्याकरणांत 'वळख' हें भाववाचक नाम जावन आसा, तर 'म्हजी वळख' हें अस्तित्वाचें परिमाण दाखोवपी नाम जावन आसा. तेंच अस्तित्वाचें परिमाण सोदपाचें काम कवी हांगा आपल्या कवितेंत करूंक सोदता. ही 'म्हजी वळख' सोदताना आपले पयलेच कवितेंत तो म्हणटा :

'दवर करूणा जागी, दवर अभंग,
म्हजो अभंग, म्हज्यांतल्या पांडुरंगा'

हांगा 'दवर अभंग' आनी 'म्हजो अभंग' हातूंत परत फरक आसा. 'दवर अभंग' ही उतरां मोडूंक नाशिल्लो, भंग ना जाल्लो ह्या अर्थान येता, तर 'म्हजो अभंग' ही उतरां, कवितेचो एक प्रकार म्हणून येता. म्हळ्यारूच रचना, विरचना आनी पुनर्रचना ही उतरांची लगोरी खेळप ह्या नव्या झेल्यांतूय आमकां पळोवपाक मेळटा. ''कवी म्हूण उत्क्रांत जातना, कवी एक मनीस म्हणुनूय उत्क्रांत जाता आनी ह्या दोनांयचें समग्र पडबिंब कवितेंत दिसचें असो हावेस हांव बाळगितां.''– अशें कवीन आपले प्रस्तावनेंत बरयलां, ताचें प्रत्यंतर ह्या झेल्यांतल्या कांय कवितांत आमकां निश्चितच पळोवपाक मेळटा. पूण ही प्रगल्भ मॅच्युरिटी हेर नव्या कोंकणी कवींत पळोवंक मेळना हाचीय जाणविकाय जाता.

आपले आयडेन्टिटीचो सोद अनेक कवितांत हांगा कवी घेतना दिसता. देखीक,

हांव सोदतां म्हजी सावळी
चिनाराचे सावळेंत
हांव सोदतां उतरां चिनाराच्या मौनांत

वा

इनबॉक्सांत शेणल्या म्हजी ईमेल
जेतूंत सेव्ह आसा पासवर्ड

वा

डिलीट जाला म्हजो इनबॉक्स
ब्लॉक जाला म्हजो आयडी
हांव रिकवर करूंक धडपडटा म्हजो इनबॉक्स

वा

रानांत भोंवतां भोंवतां
लागला चकवो
हांव पावत आसा परत परत
म्हजेचकडेन

पूण ही आपली वळख सोदताना एक समग्र अस्तित्वभान कवीकडेन आसा हें जाणवता. म्हणुनूच तो आपले एके कवितेंत म्हणटा :

नांव नासल्यार लेगीत आसपाचें अस्तित्व
कविता नासल्यारूय आसपाच्यो प्रतिमा

हे कवितेची जातकुळी बरीच रिजर्वड. ती चड उलयना, फकत सूचयत वता. निलबा खांडेकार सारको जाणटो कोंकणी कवी जसो निबंद बरयल्ल्या सारके भडाभडा शब्द वापरता, तशें समीर झांट्ये नवो आसुनूय करीना. (हाका आडवाद फकत संग्रहांतली तांची निमणी कविता. ताची चर्चा फुडें येतलीच). तांची उतरां मुदयेर थिक बसयल्ल्या सारकी काटेकोरपणान येतात. देखीक, ह्यो सकयल्यो वळी पळयात :

एक झाड लायिल्लें
तेका पयलेंच फूल आयलें आज
तें फूल ईश्वराक अर्पण केलें
झाडाचेरूच दवरून

वा

सपनांक जरी उजो, यत्न बेचिराख
मुठींत उरूं राख, फिनिक्साची

वा

सरळ जगतां जगतां
जिणेक पडत वयता वेंठाळें
नागोबा हांसतात
फूस फूस म्हणीत

तांची 'रेन्ट ए कॅब' सारकी कविता वाचताना सुरवातीक गोंय भोंवपाक आयल्लो टुरिस्ट अशा अर्थान जाणवता, पूण होच टुरिस्ट निमणो संवसारांत चार दीस भोंवपाक आयल्लो एक मनीस म्हूण जाणवपाक लागता :

येयलो निमाणो दीस
गाडी परत करपाचो
भाडें फारीक करपाचो
म्हज्या घरा परतुपाचो

कितलोय एक्स्पर्ट आसूं ड्रायव्हर
कितलीय फास्ट आसूं स्पीड
काळ मारताच
ओव्हरटेक

–ही एक रुपकात्मक कविता. 'दो दिन के लिए मेहमान यहाँ, मालूम नही मंझिल है कहाँ' – अशे पद्धतीचो आशय सांगपी. अशीच एक मर्णाविशीची रुपककविता म्हळ्यार 'आपोवणें'. पूण हें मर्णाचें रुपक जाणवता ते बद्द – ''खासा तुजे खातीर सेर्त आपोवणें म्हणटात तें एकूच'' – ह्या निमण्या वळींतूच. 'नागोबा सुक्त', 'पोतयेची कविता', 'वागाची शिकार' ह्यो अश्योच रुपककविता.

रुपककविता ह्यो रसिकां कडेन डायरेक्ट कनेक्ट जावपी कविता. पूण रुपक वलांडून फुडें वेगळ्या वाटेन वचपी कविता बरेच फावट रसिकांक दुर्बोध जावं येतात. देखीक, 'म्यूट', 'मेन्यू :पोस्टमॉर्डन', 'डॉक्टर कॅफे भांग शॉप', #FOMO बी कविता.

ते नदर्रेन तांची FOMO ही कविता घेवया. Fear of missing out चो शॉर्टफॉम म्हणजेच FOMO. हें उतर पॅट्रिक जे. मॅकगिनीज हांणें 2004 सालांत तयार केल्लें. FOMO ह्या उतरां फाटली मनशाच्या आधुनिक जिणेंतली anxiety ची संकल्पना पयलीं रसिकांक कळपाक जाय तेन्नाच ताका ही कविता कळटली. चिंता, द्विधा मनस्थिती, ह्यो सगल्यो गजाली fear of missing out भितर येतात :

हांगा वचूं काय थंय वचूं
खंय वचूं
खंय खंय वचूं

हें करूं काय तें करूं
काय सगलेंच करूं

बरें म्हणूं काय वायट म्हणूं
म्हणूं काय, नाका म्हणूं

–ह्यो सगल्यो फोमोच्यो गजाली सांगता सांगता कवी निमणो म्हणटा की,

म्हज्या हातांत कांयच ना
म्हजे कडेन हांवच ना

म्हळ्यारूच तो FOMO कडल्यान JOMO कडेन पावता. JOMO म्हळ्यार Joy of missing out. शेणपांतल्या भंयाचेर मात करपाक जिणेंत शेणपांतलो आनंद सोदचो पडटा. शेणपांतलो भंय आनी शेणपांतलो आनंद हांतलें द्वैत रसिकांक जाणवतलें तेन्नाच ही कविता रसिकांक कळूं येता. म्हळ्यार ही कितें दुर्बोध कविता न्हय.

'डॉक्टर कॅफे भांग शॉप' ही तांची आनीक एक कविता. सुरवातीक शीर्शकासकट ही कविता दुर्बोध दिसूं येता. पूण बारकायेन वाचली की ' जैसलमर, फाल्गून पुनव, शक 1946' ही कवितेच्या शीर्शका सकयल कवीन केल्ली टिप्पणी, कविता कळपाच्या नदर्रेन म्हत्वाची थरूं येता. जैसलमर हें राजस्थानांतलें एक म्हत्वाचें शार. फाल्गून पुनव हो होळयेचो म्हयनो. जंय भांग मेळटा थंयच्याच एका दुकानाचें नांव म्हळ्यार हें कवितेचें शीर्शक. भांगेच्या नशेचो अणभव म्हळ्यारूच ही कविता :

सरलो भविश्यकाळ, खंय उरलो भूतकाळ

ल्हवू ल्हवू अदृश्यता वर्तमान

हांव तरंगता अवकाशांत

दुनिया म्यूट
माया
स्वास काया

ओम नम: शिवाय ।

सगलें जायत चल्लां भंग
आकार घेयत चल्ला अभंग

म्हळ्यार हिवूय तशी दुर्बोध कविता न्हय. कारण भांगेच्या नशेचो अणभव हांगा अनेक परिमाणांसकट व्यक्त जाला. 'म्यूट' ही लेगीत अशीच सुरवातीक कोड्यान उडोवपी, पूण कवितेचो आशय अंडरप्ले करून मांडपी कोंकणीतली एक वेगळीच कविता :

सगलीं दारां बंद
सगलें जालां थंड
घोंट घोंट ऊब

हांव उबयत आसां म्हाका थंडपणांत

एक ल्हार गार गार
पेल्यांत उठल्या वादळधार
म्हाज्या पेल्यान

चक्रव्यूह घुंवता पेल्यांत

हांव पळयत बसलां
बंद कांचे भायली
म्यूट धावपळ म्यूटली

आक्ताक हातांतली कॉफी सुटली

च्यायेच्या पेल्यांतलें वादळ अशी एक म्हणणी आसा. हांगा तें कॉफीच्या पेल्यांतलें वादळ जालां. थंडगार एसींत बसून गरम कॉफीचे घोट घेतना बंद कांचे भायली म्यूट धावपळ कवी पळयत आसा. पूण तें पळयताना ताच्या पेल्यांत चक्रव्यूह सारकें वादळ घुंवता हाची जाणविकायूय कवीक आसा. कवी ताका 'वादळधार' म्हणटा, कारण पेल्यांतलें जरीं तें वादळ आसलें तरी ताका मानसिक भंयाची धार आसा. हांगा 'पेल्यांत' आनी 'पेल्यान' अशे दोन वेगळे शब्द आसात. पेल्यांत म्हणजे पेल्याभितर, तर पेल्यान म्हणजे पलिकडे. म्हळ्यारूच थंडगार एसींत बसून कांचे पलिकडच्या भायल्या भगभगीत जगाकडें पळोवप. हे संबद कवितेंत एक घटना आयल्या : 'आक्ताक हातांतली कॉफी सुटली', ही. हातांतल्यान कॉफी सुटप म्हळ्यार पेल्यांतली कॉफी भायर रकल्या आसतली. पेलो जमनीर पडला आसतलो. आनी पेल्यांतलें वादळ शमलां आसतलें? ही निमणी कवितेची वळ रसिकांक फट् करून भानार हाडटा आनी थंडगार एसींतल्यान भगभगीत भायल्या जगाकडें पळोवपाक रसिकांक प्रवृत्त करता. निशब्दांतल्यान निर्माण जाल्ल्या एका वादळाची शिटकावणी दिवन वता, जें वादळ कल्पनेंतलेंय आसूं येता वा fear of missing out चें आसूं येता, वा fear of better options म्हळ्यार FOBO चें लेगीत आसूं येता. फोबो म्हळ्यार आधुनिक मनशाचो योग्य पर्याय सोदपा फाटलो भंय.

'मेन्यू : पोस्टमॉर्डन' हिवूय ह्याच आधुनिक परंपरेतली कविता. कसलेंतरी सेलेब्रेशन वा इवेंट आसा. पूण कवी ह्या मॉर्डन जिणेंत फिट्ट बसना. कवितेच्यो सुरवेच्यो वळी वाचुनूच हाचो प्रत्यय येता :

''चलात मनोवया''

(पूण कित्याक, कोणा खातीर ?)

आजच्या आधुनिक जिणेचो पोकळ झगमग हे कवितेंत उतरला. ते खातीर कवितेच्यो फुडल्यो वळी पळयात :

अदलाबदली
देखाव प्रभाव
काळ – फास्ट.. फॉर्वर्ड..
मेन्यू – क्युरेटेड आनी कोडेड

सगलीं सवंगां एके माचयेर
(प्रमाणीकृत)

*गोड–बोली थेरपी, फोल्गां–वारी**

(*मर्यादीत काळा खातीर, *अटी लागू)

आधुनिक जिणेंतल्या मार्केटींग स्ट्रेटेजीचो नमुनो हांगा दिसता. कवितेच्यो निमण्यो वळी जो ह्या मार्केटींग स्ट्रेटेजीक बळी पडाना तांचे विशी उलयता :

जेचो ना विश्वास
तेका सुटका –

''ना''
(रिनिवल बाय डिफॉल्ट)
ट्रॅण्डी पॅटर्न
सामको टॅस्टेड

(''नासूं डायजॅस्टेड'')

आधुनिक जीण ही अशे तरेन जायरातबाजीची जावन पडल्या. आपले एके सुंदर गझलेंत कवी म्हणटा :

जायरातींतल्यान सगलें बरें बरें दिसपाक लागलां
सत्य म्हणून कितें तरी बाजारांत मेळपाक लागलां

चडशे तरणाटे कवी प्रेमकवितेंतल्यान आपली सुरवात करतात. पूण समीर झांट्ये हो कवी ताका अपवाद. तांचो लगोरी हो पयलो संग्रह आसून लेगीत थंय प्रेमकविता वाचपाक मेळनात. ह्या नव्या संग्रहांत तांची 'विलयन' नांवाची एक कविता आसा. पूण तिका प्रेमकविता म्हणपाचें काय कितें होवूय प्रश्न आसा. कारण भितर तूं आनी हांव ही जोडी आसली तरीय ती प्रेमिकांचीच जोडी अशें ठामपणान म्हणूंक शकना :

हें रितेपण
तुज्या अर्दान
म्हजें अर्देपण

अर्देपणांत
तुजें अतिक्रमण
जावं संक्रमण
येवं पुरायपण

तूं आनी हांव
एक जावं
मेळप जावं सासणाचें
विलयन

तर सांगपाचें जाल्यार हे कवितेंत रोमान्स वा रोमँटिसीझम आमकां खंयच दिसना. आतां हें झांट्येच्या कवितेचें सामर्थ्य काय कवितेची मर्यादा, असो बालीश प्रश्न हांगा उपस्थित जावंक शकना, कारण तो त्या कवितेचो सभाव. ही कविता सभावान जितली आदीमतेकडे झुकता तितलीच ती आधुनिक लेगीत आसा.

हांव जावंक सोदतां एक रान
अणभवूंक सोदतां पानान पान

–अशें एकीकडें आदीम जावन म्हणटानाच कवी दुसरीकडें आधुनिक जाणविकायूय व्यक्त करता :

हांव गुठलावलां रॅपरांत चॉकलेटींच्या
हांव जावन आसां एक चॉकलेट
काळाच्या तोंडांत

आधुनिक जिणेंतल्या डिप्रेशनचो अणभव व्यक्त करताना तर कवी ट्रॅजी–कॉमीक भाव हाडून म्हणटा :

म्हजी चॉकलेट उरली बोल्सांतूच
आनी गेली विरघळून शर्ट धुतां धुतां

कोंकणींतली आयची ही खऱ्या अर्थान मॉडर्न कविता,–काव्यरचनेंत आनी आशयांतूय.

कवीन ह्या संग्रहांत कांय प्रयोग केल्यात. 'एका अनुस्वाराची कविता' हे प्रायोगीक कवितेंत 'जगता' आनी 'जगतां' हाचेमदीं फकत अनुस्वाराचोच जरी फरक आसलो तरी एका अनुस्वारान अख्खी जीण बदलता हें कवी दाखयता. 'जगता' म्हणीना फुडें त्या उतराचें जनरलायझेशन जाता, उलट 'जगतां' अशें म्हटलें की तें उतर वैयक्तीक जाता. हो फरक अख्ख्या जिणेचो फरक म्हूण कवी रसिकांक जाणवून दिता. पूण केन्ना केन्ना कवीन केल्लो प्रयोग खंयतरी व्हांवला हाचीय जाणविकाय रसिकांक जाता. देखीक, निमणी कविता 'गडबड आयस्क्रीम: एक काव्यबंध' हे कवितेंत कवी प्रयोग करूंक गेला, पूण तो सपशेल फेल जाला अशें म्हजें मत. खरें म्हळ्यार ही एक घटना. तिका गद्यांतूच चड बरें expression मेळपाचें. पूण ते घटनेचेर कविता बरोवपाच्या अट्टहासांत कवी हांगा आपल्याच पायार कुराड मारून घेता. जें कवी गद्यांत सांगूक शकना तेंच फकत कवितेंत सांगता, हो जर नियम पाळील्लो तर ही कविता फसची नासली. हे कवितेंत एक घडणूक आयल्या. गिरायक एका कोल्ड ड्रिंक्स पार्लरांत वता आनी गडबड आयस्क्रीम ऑर्डर करता, उपरांत ती ऑर्डर कॅन्सल करून लिंबू सोडा ऑर्डर करता. पूण वेटर ना कळून ताका दोनूय ऑर्डरी वांगडाच हाडून दिता. गिरायक वाद घालता की आपणें आयस्क्रीमची ऑर्डर कॅन्सल केल्ली म्हूण. मॅनेजर म्हणटा गिरायक केन्ना चुकना, चूक वेटराचीच. निमणें वेटराच्या पगारांतल्यान ती चूक निस्तारतात, ही ती घटना. हातूंत काव्य खंय उप्रासता हें म्हाका तरी कळूंक ना. विलास सारंगान वा अरूण कोलटकरान अशे पद्धतीच्यो कांय कविता बरयल्यात, पूण तांच्या कवितेंतल्यान जें एन्टी पोएटीक काव्यभान जागृत जावन रसिकांचे अभिरुचीकूच जबरदस्त हादरो दिवप जाता, तशें हांगा कांय जाणवना. 'विसर्जन' हे कवितेंत फकत सात शब्दांनी कवी जें रसिकांक सांगता, तें तीन पानां वापरुनूय ह्या 'गडबड आयस्क्रीमांत' सांगूक पावना. मुद्दम रसिकांनी तांचें हे 'विसर्जन' कवितेचें मोस्र पळोवचें :

गणपती
बुडले

सगले
आतां
नरकासूराचे
तयारेक लागले

–ही उतरांची ताकद लक्षांत घेवनूच कवीन कवितेंत प्रयोग केल्यार ते यशस्वी जावं येतात.

तशेंच 'बुद्धायन' सारकी कविताय आमकां बुद्धाविशीं वेगळे कांयच सांगिना. कविता म्हूण वेगळें कांय दिना. ते कवितेचो शेवट तर एकदम फ्लॅट जाला :

बुद्ध हांसता मुमुरखो
रावला दोळे लावन वाटे कडेन
येवपाचें आसा थोड्याच वेळांत
मेळपाक मरण

–हातूंत कवी प्रयोग बी करपाचे भानगडींत पडूंक ना हें जालेंच पूण बरी कविता हातूंतल्यान निर्माणूय जावंक ना. हे उलट तांच्यो 'विश्लेशणांतल्यान कविता', 'मुमुरखी हांसपी कविता' ह्या सारक्यो कविता प्रयोग म्हूण इंटरेस्टींग जाल्यात.

रानांतल्या फुलांक
कोणाचो लळो
कोण करता तेंचो जल्म सोबीत
परमळाचो सुवाळो

–ह्या वळींचें विश्लेशण म्हळ्यार ही फुडली 'विश्लेशणांतल्यान कविता'. कोंकणींत तरी हो वेगळोच प्रयोग जावन आसा. सैगलान गायिल्लो एक गझल असोच कांयसो प्रश्न उपस्थित करता :''कौन विराने मे देखेगा बहार, फुल जंगल मे खिले है किनके लिए ''

Travelogue poems धर्तीच्यो तांच्यो हांगा दोन कविता वाचूंक मेळटात. 'चिनार : एक स्कॅच'' आनी 'मरुसागरांत ल्हारां'. त्या–त्या थळांचें इंप्रेशन ह्यो कविता बरे तरेन दिवन, त्यो थळकाळाक वलांडून फुडें वतात. देखीक,

रेंव निसटत चल्ली
खीण जोडीत चल्ली
काळाची वाळवंटां घडत चल्लीं

'मोरुलो' ही झांट्येची कविता पांखां फुलोवन नाचपी मोर आनी मनशांचो पारंपारीक मोरुलो नाच हांचे विशीं उलयत 'एका पांखान मोर जायना' ह्या म्हणीचेर टिप्पणी करता. हाचेर म्हाका एक उगडास जाता की कवी शंकर रामाणी एका काळार नवोदित कवींक उद्देशून म्हणटालो,– 'एका पांखान मोर जायना'. पूण कवी झांट्ये हांगा प्रतिप्रश्न करता की, 'पांखां पुंजायलीं म्हणून जावं येता मोर ?' आनी

फुडें कवी ह्या म्हणीक सरळ आव्हान दिवन म्हणटा :

म्हाका नाका एक पांख
म्हाका जाय अख्खो कृष्ण

कृष्ण सोदता एक पांख मोराचें
मोराचें एक पांख सोदता आपलो कृष्ण

–हो आत्मविश्वास कवी म्हणून समीर झांट्येक एका उंचायेर व्हरून दवरता. तांचो एखादो काव्यप्रयोग अयशस्वी जाला आसलो तरीय हरकत ना, कारण कवितेंत कितेतरी नवें आनी ताजें दिवपाची धमक ही कविता सतत दाखयता. देखीक, तांची 'एका किराची काणी' ही ल्हानशी कविता पळोवची :

कीर मिठू मिठू करता
खावपाक सोदता
पेरूचें आयस्क्रीम

कीर गोड गोड उलयता
फोना वयल्यान
पळयता संवसार रिलांतल्यान

कीर झाडा वयल्यान उडाना
सोदता जिविताची मजा
पांजऱ्यांत उकत्या

–आयच्या मायाजालांत वावुरपी आधुनिक मनीस हो किराभशेन जाला, ते स्थितीचें वर्णन कवी हांगा करता. कीर आतां बेठो झाडा वयलो पेरू खावपाक सोदीना, तर ताका जाये पेरूचें आयस्क्रीम. तो गोड उलयता फकत फोना वयल्यान आनी संवसाराचो अणभव घेता मोबायलच्या रिलांतल्यान. तो झाडा वयल्यान उडपाक सोदीना, तो घेता जिविताची मजा उकत्या आशिल्ल्या पांजऱ्यांत. म्हळ्यार हो संवसारूच एक ट्रॅप लायिल्लो उकतो पांजरो जाला. फुकट्या मेळीलल्या स्वातंत्र्यान मनशाक कसो आपलोच गुलाम करून उडयला हे सांगताना ही कविता एखादो ट्रॅप लायल्ल्या सारकी हांगा अभिव्यक्त जाता.

समीर झांट्ये हांची कविता ही तळ्यांतल्या उदका सारकी शांत, गंभीर. थंय उथळ पाणयाचो खळखळाट ना. अभिव्यक्तीचें ड्रामॅटायझेशन थंय पळोवंक मेळना. हेच खातीर पुस्तकाक अवतरण म्हणून वापरिल्लो गालबचो शेर मेलोड्रॅमॅटीक दिसता. तो एकूण कविते कडेन सुसंवाद सादीना :

रगों में दौडते फिरने के हम नहीं काइल
जब आख ही से न टपका तो फिर लहू क्या है

–रगत बेठें शिरंतरांत व्हांवत रावलें म्हणून उपकारना, रगताचो दोळ्यांतल्यान एक थेंबोय व्हांवलो ना जाल्यार ताचो कितें उपेग? भावनांचें उत्कट ड्रामॅटायझेशन हांगा ह्या शेरांत आसा. पूण झांट्येच्या कवितेचो सभाव भावना अंडरप्ले करून सांगप. तेच खातीर हें गालिबचें अवतरण हांगा फिट्ट बसना. तशेंच ताणीं कोलाजचित्रां पुस्तकांत वापरल्यात तिवूय फिकी दिसतात. कारण मुळची हीं रंगीत चित्रां, पुस्तकांत ब्लॅक आनी व्हाईट म्हणून छापल्यात, ते खातीर तांचो इफेक्ट जाणवना. पूण मुखपृश्ठा वयले कोलाजचित्र आसा तशेंच कलर्ड छापिल्ल्या कारणान तें सोबीत जालां.

एकूण आयच्या कोंकणी कवितेंत नवें कितें चल्लां, कोंकणी कविता खंय पावल्या हे कळपा खातीर हो झांट्येचो नवो संग्रह रसिकांनी, अभ्यासकांनी मुद्दम वाचुकूच जाय.

❑

मनु स. पिल्ले : नव्या भारताचो तरणाटो इतिहासकार

विद्या कामत



आयज इतिहास हो विशय खूब चर्चेंत आसा. खरो इतिहास कितें ? इतिहास कोणे बरयलो ? आनी कसो बरयलो ? हाजेर जगभरांत बरीच भासा-भास चालू आसा. इतिहास म्हळ्यार- भूतकाळाच्या घटनांचेर अभ्यास करून आनी पुराव्यासकट मांडिलो दस्तावेज जाका एक सत घटना मानतात. ह्या दस्तावेजातत्यान समाजाक, आपले संस्कृतायेचो, राजकीय घडणूकांचो घटनाक्रम लक्षांत येता आनी तातूंतत्यान राश्ट्राची अस्मिताय तयार जावपाक मदत जाता.

सुमार 16 व्या ते 19 व्या शतमाना दरम्यान जगांतल्या खूपश्या राश्ट्रांचेर वसाहती राज्य (colonial rule) आसलें. ह्या काळांत त्या राश्ट्रांच्या संस्कृतायेचेर खूब बदलाव जाले. भारताचेरय ब्रिट्रीशांचें २०० वर्सां वसाहत राज्य आसलें. ब्रिटीशांचे हे ह्या राजवटीत - संस्कृतीक, अर्थीक, समाजीक तशेंच शिक्षणीक बदल घडयले. ह्या काळांत ब्रिटीशांनी भारताचो इतिहास आपत्याक फाव असोच बरवन शाळा कॉलेजीनी अभ्यासक्रमाचा भाग केलो. बरीच वर्सां भारताचीं भुरगीं होच खरो इतिहास मानून शिकलीं आनी खंयतरी तेच विचारसरणीतत्याने विचार करूं लागलीं. जेन्ना भारत स्वतंत्र जालो तेन्ना ब्रिट्रीशांनी बरयिल्या भारताच्या इतिहासाचेर परत विचार जावंक जाय अशें कांय बुदवंतांचे मत जालें. जगभरांत हे वसाहतवादी विचारसरणीचेर (colonial -thinking) एक चळवळ सुरू जाली आनी परत एकदा आपल्या दिश्टीकोनांतल्यान आपल्या राश्ट्राचो इतिहास बरवपाचो एक सिद्धांत तयार केलो. ह्या इतिहास बरवपाच्या सिद्धांताक वसाहत-वादा उपरांतचो सिद्धांत (Post-Colonial theory) अशें नाव पडलां.

मनु स. पिल्ले हो एक तरणाटो – वसाहतवादा उपरांतचो इतिहासकार (post colonial historian). 28 फेब्रेर 1990 त ताचो जल्म मावेलीकरा, ह्या केरळच्या गावांत जालो. ताचें भुरगेंपण, महाराष्ट्रातल्या पुणे शारांत गेले. थंय ताणें पुणे कॉलेजींतल्यान अर्थशास्त्राची पदवी घेतली. आनी मुखार ताणें इंग्लंडच्या किंग्स कॉलेजींतल्यान आंतरराश्ट्रीय संबंद (International relationships) ह्या विशयांतल्यान पदव्युत्तर शिक्षण घेतलें.

भारताचो म्हालगडो राजकारणी शशी थरूर हाचे सकल तो ताचो वांगडी म्हूण काम करताना ताका आपल्याक इतिहास विशयांत – खास करून मध्यकालीन भारताच्या इतिहासांत चड रुची आसा अशें दिसलें म्हण ताणे परत इंग्लंडाक वचून आपली Ph.D. केली.

वयाच्या 25 व्या वर्सार ताणें आपले पयलें पुस्तक The Ivory Throne : Chronicles of House of Travancore (Harper collins 2015) हें पुस्तक बरयलें, जाका साहित्य अकादमीचो युवा पुरस्कार फाव जाला. हें पुस्तक केरळच्या मध्यकालीन त्रावणकोर राजघराण्याचो इतिहास आसा. जेंन्ना Regent Queen सेतुबाई लक्ष्मीबाई (1924-1937) हे राणीन त्रावणकोराचेर राज्य केलें. भारताच्या इतिहासांत राण्यांचो इतिहास खूब कमी बरयला. देखून हें पुस्तक इतिहासीक दिश्टीकोनांतल्यान मोलादीक थारता. सेतुबाईचे राजवटींत तिणें केल्यो सुदारणा – विकासाचे प्रकल्प, उदकाची वेवस्था, शिक्षणीक आनी समाजीक बदल, आनी खास म्हळ्यार बायलांचे उदरगतीखातीर कायद्यांत केल्ले बदल दाखोवन दितना, पिल्लै सेतुबाईच्या व्यक्तिगत आयुश्यांततले बारकावे दाखोवपाक विसरना. पिल्लैन बारीकसाणीन अभ्यास करून ह्या पुस्तकांतल्या मध्यकालीन काळांतलो शेणिल्लो इतिहास वाचप्या मुखार दवरला. हें पुस्तक ताणे लोकप्रिय इतिहासाचे शैलींत बरयलां.

लोकप्रिय इतिहास (Popular history) म्हळ्यार कितें ? ही एक इतिहास बरवपाची शैली – जी 20 व्या शतमानांत इंग्लडाच्या कांय इतिहासकारांनी बरवपाक सुरू केली. हे शैलीक सादारण वाचप्याचो बरो प्रतिसाद मेळ्ळो. मागीर ही शैली जगभर पातळली. लोकप्रिय इतिहासाचेर उलयतना मनु पिल्लै म्हण्टा, 'इतिहास बरयतना इतिहासकाराचेर एक जापसालदारकी आसता. भूतकाळांत खरें कितें घडलें? कशें घडलें ? आनी कित्याक लागून घडलें हें पुराव्या सकट लोकांमरेन सत्य पावोपाची जापसालदारकी ताचेर आसता. पूण इतिहास बरयतना फकत तारखावळ आनी शिलालेख हांचोच उल्लेख करत रावलो जाल्यार तो इतिहास वाचप्याक बोजड आनी कंटाळवाणो जाता'. पिल्लै मुखार म्हणटा, ''इतिहास हो मनशांचो आसता देखून फकत तारखोच न्हय, तर त्या काळांतल्यो बाकीच्यो ल्हान – सान घडणूको इतिहासाक साक्षी आसतात. जशें नित्याच्यो खबरो, व्यंगचित्रां, पत्र वेव्हार, खास करून मोग्यांची पत्रां, त्या काळची फॅशन, दिसाळीं, चित्रकला, कविता अशो अनेक संस्कृतीक घटनाक्रमांनी इतिहासाचे ठशे उमटील्ले दिसतात. तेन्ना इतिहास बरयतना ह्या सगळ्यांचेर विचार करून बरयलें जाल्यार इतिहास मनोरंजक जाताच तशेंच वाचप्याक सोपो आनी आनंद दिवपी अनुभव मेळटा. ह्या इतिहास बरवपाचे शैलीक लोकप्रिय इतिहास (popular history) अशें म्हण्टात.''

लोकप्रिय इतिहासाची एक ल्हान देख दिवंची जाल्यार पिल्लैच्या पुस्तकांतली ही खबर आयकात. ब्रिटीश लोंकाक हिंदू राजा ची वळख कशी जाली हाचो एक मजेशीर किस्सो. पिल्लै बरयता–– जयपुरचो राजा माधोसिंह -2 (1862-1922) हाका इंग्लडाच्या राजाच्या राज्याभिशेकाच्या सुवाळ्याचे

निमंत्रण येता. माधोसिंह धर्म संकश्टांत पडटा. सुवाळ्याक गेलोना जाल्यार राजाचो अपमान केल्याचें भय आसता आनी सुवाळ्याक गेलो जाल्यार, सात समुद्र पार केल्ल्याचें पातक लागता. तो आपल्या पुरोयताक हातुंतल्यान उपाय काडपाक सांगता. पुरोयत ताका सांगता, तुं तुगेले कुळदेवतेची मुर्ती मुखार दवर आनी इंग्लंडाक वच. श्री गोपालजी तुगेलो कुळदेव, तो सगळें अरिश्ट आपल्या आंगार घेवन तुका वाटायतलो. देव-धर्म मानपी राजा पुरोयतच्या सांगण्यान आपलो कुळदेवूच न्हय तर बाटाबाटीच्या भंयान दोन गायो आनी धा भाणां गंगेचें उदक आपल्या बरोबर घेवन वता. राज्याभिशेकाच्या दिसा, माधोसिंग कुळदैवत, गायो आनी गंगेचें उदक मुखार शिपडीत व्हडली वरात घेवून दरबारांत वता तेन्ना थंय हाजीर आशिल्ले सगळे मानेस्त तशेंच इंग्लडच्या राजाच्या प्रशासनाक हो प्रकार कितें काय असो प्रस्न पडटा.

मनु पिल्लैन आयजमेरेन पांचूय पुस्तकां लोकप्रिय इतिहास ह्या शैलींत बरयल्यांत - The Ivory Throne Chronicles of House of Travancore (2015); Rebel Sultans: The Deccan from Khilji to Shivaji (2018), The Courtesan, Mahatma and the Italian Brahmins: Tales from the Indian History (2019); Falls Allies: Indian Maharajas in the Age of Ravi Varma (2021); आनी, Gods, Guns and Missionaries: The Making of Modern Hindu Identity (2024).

Gods Guns and missionaries ह्या पुस्तकाचो खास उल्लेख करचो पडटलो. युरोपियन वसाहतकार जेन्ना भारतान आयले, तेन्ना हिंदू धर्म एक मागाशील्लो, रानवटी समाज आसा अशेंच तांचें मत जालें. मनु पिल्लै बरयता वसाहत काळा पयलीं हिंदु धर्माची बांदावळ वेगळी आसली.

भारताच्या वेगवेगळ्या प्रांतानी वेगवेगळे समुदाय आपापल्या रिती- रिवाजा प्रमाण हिंदु धर्म पाळटाले. समाजाचे वेगवेगळे घटक एकमेंका मदीं मिसळनाशील्लै. जाती-पातीच्यो प्रथोय खूब चलताल्यो. आनी हिंदु धर्मांत एकरूपता नाशिल्ली. ह्याच कारणाक लागून हिंदू धर्म एक परिवर्तनशील (fluid) आनी वैविध्यपूर्ण (diverse) असो धर्म आसलो.

जेन्ना क्रिरीस्तांव पाद्री भारतांत वसाहती राज्य करूं लागले, तैन्ना ताणी धर्म परिवर्तनाचो यत्न केलो. पूण ह्या पाद्र्यांक धर्म परिवर्तन करप सोपे नासलें. ताणी वेगवेगळीं धोरणां चलयलीं, जशें हिंदू ग्रंथ साहित्यातल्यान क्रिस्ताची शिकवण दिवप. हिंदु धर्माचो भेस- भाशेचो उपेग करप. आमिशां ना जाल्यार धाकान लोकांक धर्म बदलाव करुन घेवप. क्रिश्चन आनी इस्लामिक कट्टरवादी भूमिकेचो प्रतिसाद हिंदु धर्म संस्थाचेर जाल्लौ दिसून येता. वसाहतकाळांत, हिंदू धर्मांत अनेक बदल घडत गेल्ले दिसून येतात. हळूहळू आधुनिक विचार धारा जोडल्यो गेल्यान हिंदु धर्माची वळख (identity) बदलत गेली, अशें पिल्लै बरयता. वसाहत काळांत हिंदू धर्म आधुनिकतेकडेन व्हरपाक इंग्लंडाक शिकून आयिल्ले राजकी आनी समाजीक कार्यकर्ते, जशे राजा राममोहन रॉय, दयानंद सरस्वती, ज्योतिबा फुले आनी खुबश्या जणांचो वाटो आसा. त्याच प्रमाणें ब्रिटीश राज्यकर्त्यांचो, प्रशासकीय कर्मचाऱ्यांचो हिंदु पुरोयत, बुदवंत, आनी शिक्षण तज्ञांकडे आयिल्या संबंदातल्यान तांचो भारतीय संस्कृती कडे पळोवपाचो दृष्टीकोन कसो बदलो हाचीय म्हायती पिल्लै दिता.

जेन्ना दोन संस्कृतायो एकमेकांच्या संबंदांत खुप काळ येतात, तेन्ना दोनूय संस्कृतायेंत बदल जावप साहजिक आसता. वसाहत कांळात इंग्लंड आनी भारताचेर एकमेकांच्या प्रभावान हिंदु धर्माची वळख

कशी बदलली हाचो आढावो ह्या पुस्तकांत दिवपाचो यत्न बरोवप्यान केला.

Gods Guns and missionaries.. हें पुस्तक बरवपाक पिल्लैक धा वर्सां लागलीं. वट्ट 564 पानांच्या ह्या पुस्तकांत 233 पानाच्यो फकत संदर्भ टिपो आसात. हाचे वेल्यान बरवप्याच्या अभ्यासाची तयारी दिसून येता. Gods Guns and मिस्सीवणारीएस… हें वसाहतवादां उपरांतच्या काळांतलें एक महत्वाचे पुस्तक आसा अशें म्हाका दिसता. मनु पिल्लै एक वसाहतवाद उपरांतचो तरणाटो इतिहासकार (post colonial historian) आयज फकत 36 वर्सांचो आसा. मुखार आनीकुय म्हत्वाचीं पुस्तकां तो बरयतलो अशी अपेक्षा आसा. तागेल्या बरोवपान तो भारताचे नवे पिळगेच्या तरणाट्यांक एक प्रेरणा स्थान जावन आसा हातुंत दुबाव ना.

❑

पयसुल्ल्या गांवांक, विसरिल्ल्या उतरांक आनी गोंयचे मातयेक जोडपी एक सोद

व्हिक्टर ह्यूगो गोम्स

हांवें एकठांय केल्ल्यो वस्तू म्हज्या जिवितांत कसल्या तरी कारणा खातीर पावतात अशें हांवें खूबदां मानलां. केन्ना केन्नाय, त्यो जापो घेवन पावतात. हेर वेळार म्हाका जागृत दवरपी प्रस्न घेवन पावतात.

गोंय चित्र बांदतना म्हाका मेळिल्ल्या सगळ्या गूढ गजालीं मदीं धारदार कांट्यांनी भरिल्ल्या विचित्र लोखणाच्या रोलरा इतलो म्हज्या मनाचो ठाव कांय थोड्याच वस्तूंनी घेतला – एक साधन, जाचो हेत आनी नांव कळचे पासत म्हाका एका दसका परस चड काळ लागलो.

कुडचड्यांतलो एक अनपेक्षीत सोद

त्या सुरवातीच्या वर्सांनी जेन्ना हांव कश्टान शेतकी साधनां आनी गोंयची काणी पुराय करपाक शकता अशो वस्तू एकठांय करतालो तेन्ना राज्यभरांतल्या दरेका स्क्रॅप यार्डाक आनी अँटीक विक्रेत्याक भेट दिवप हो हांवें नित्यनेम केल्लो. दर सप्तकांत अपेस नासतना, हांव म्हजीं फेरी मारतालों, कचरो आनी कळमेल्ल्या राशींतल्यान स्कॅन करतालों. कितें तरी दुर्लक्षीत मेळटलें अशी आस्त बाळगून. हेरांनी विसरिल्ले पूण हांवें एकठांय हाडपाचो यत्न केल्ले काणयेक मोलादीक अशें कितें तरी.

एक दीस म्हज्या सोदान म्हाका कुडचडेंच्या एका स्क्रॅपयार्डांत हाडलो. एक शार जें ‘‘नव्यो

काबिजादी '' म्हूण वळखतात त्या प्रदेशा भितर आसा. गांवगिऱ्या, अविकसीत गांवांनी रेवाडो घाल्लें, जंय पारंपारीक जिणे पद्दती अजूनय दिसपट्ट्या वेव्हारांत प्रतिध्वनीत जातात. ह्या प्रदेशांतल्यान भायर उडयल्ली खंयचीय वस्तू निमाणें ह्या स्क्रॅपयार्डांत वता आनी कसलोच विचार करिनासतना बेगोबेग रोख पयशांचो वेव्हार जाता अशी म्हजी खर भावना आशिल्ली.

थंयच, धुल्लभरीत कोनशांत, म्हाका कितें तरी असादारण दिसलें एक नलिकाकार धातूचो रोलर, तातूंत दाट, चार इंचाचे कांटे गुंथिल्ले, ताका लांकडाची फ्रेम आशिल्ली आनी तातूंत रोलर धरपी दोन वटांचीं भुजां जोडपी लांकडी क्रॉस बाराचेर दोन ल्हान बुराक आशिल्ले. बुराक, घडये तो ओडपाखातीर, खांबे फिट करपाखातीर वापरिल्ले आसूं येतात. हांवें स्क्रॅपयार्डाच्या मालकाक हे विशीं विचारलें तेन्ना ताणें कपलाचो घाम पुसलो. ती वस्तू कितें हाची ताका कल्पना नाशिल्ली अशें मान्य केलें. दिवचलच्या आपल्या मामे भावाच्या आंगणांतल्यान ती हाडिल्ल्ली अशें ताणें सांगलें. तातूंत ताका फकत स्क्रॅप वजन दिसलें, तीस-चाळीस किलो लोखण आशिल्लें.

पूण कांट्यांमदीं सुको चिखल अजूनय चिकटून आशिल्लो. ह्या रोलरान एक फावट मातयेचें काम केल्लें, हें त्या एकाच तपशीलान म्हाका सांगलें. हांवें तें थंयच ८,००० रुपयांच्या मोलान तें विकतें घेतलें. म्हजे सफारी गाडये फाटल्यान लोड केलें आनी गाडी घेवन आयलों. हांवें कितें तरी म्हत्वाचें हाडलां हाची खात्री करून, तें कित्याक वापरतात हें कळना जाल्यार लेगीत.

नांव नाशिल्ली वस्तू

घरांत पावतकच तो रोलर एक सुटनाशिल्लें कुवाडें जालें.

हांवें ताचो फोटो दरेक कोनांतल्यान काडले. शेतकारांक, गवंड्यांक, इतिहासकारांक ते दाखयले. त्या कुवाड्याची जाप खबर असुंत येता अशा कोणाकूय! कोणेच तें वळखलें ना. कांय जाणांनी फातर फोडपा खातीर असो अदमास काडलो. हेरांनी चिखलाक सपाट करपा खातीर असून येता असो अदमास काडलो. त्या खंयच्याच सिद्धांताची म्हाका खात्री जाली ना.

लोखणाच्या कांटे आशिल्ली, माती लागिल्ली ती वस्तू फकत वजनापरस चड कितें तरी उलयताली. पूण नांव नासतना ती ओगीच उरली.

कांय वर्सां गेलीं आनी रोलर शांत बसलो, योग्य चक्राची वाट पळोवपी, एक सोडोवंक नाशिल्ल्या समीकरणा भशेन.

विसरून गेल्ल्या शब्दकोशांतली सुचोवणी

1931 वर्सा छापून आयिल्ल्या पोरन्या कोंकणी-इंग्लीश कोशाचीं पानां चाळटना एके रातीकडेन अनिश्चीतपणान एक घडणूक घडली.

थंय अपरिचित उतरां मदीं म्हाका एक संज्ञा मेळ्ळी:. नोंदींत ताचें वर्णन केल्लें : ''नांगरपाखातीर वापरतात तो कांटे आशिल्लो धातूचो रोलर.''

म्हंजे हात त्या पानांचेर गोठले. हांवें परत परत ती ओळ वाचली. अनेक वर्सां सोद लायल्या उपरांत निमाणी म्हज्या संग्रहांतल्या नांव नाशिल्ल्या साधनाची वळख म्हाका मेळ्ळी.

खानापूराक एक प्रवास

तरी नांव जाणा जावन लेगीत प्रस्न उरले. हें साधन नेमके खंय वापरिल्लें? आनी कोणा कडल्यान?

प्राचीन वस्तूंचो वेपार करपी आनी सदांच म्हज्या वस्तू एकठांय करपाच्या पिशेपणाचेर विनोद करपी म्हजो इश्ट यासीन हाणें म्हाका महाराष्ट्रांतल्या खानापूर लागसारच्या पयसुल्ल्या गांवांत रावपी एका गांवकार कुटुंबां विशीं सांगलें. पोरनीं साधनां आनी नाणीं सोदून काडपा खातीर तांची नामना आशिल्ली.

म्हाका म्हजी बॅग पॅक करपाक तें निमित्त पुरो जालें.

आमी एका लांब, अशीर घरांत पावले, भितर काळोख आनी थंड, थंय गांवकार घराण्यांतले शंबरां परस चड लोक एकाच पाख्या सकयल रावताले. तांचे मुखेली किरापा गांवकारान आमकां येवकार दिलो. ताचेवांगडा च्या घेतना ताणें म्हाका सांगलें, ताचे पूर्वज शेंकड्यांनी वर्सां आदीं दिवचलच्यान पळून गेल्ले. धर्मीक अस्थिरतायेच्या काळांत ताणीं खोल रानांत आलाशिरो घेवन नवें अस्तित्व कोरांतून काडलें.

शेतीवडी खातीर रानांतली जमीन निवळ करतना मातये सकयल अवशेश सोदून काडत रावले अशें ताणें सांगलें – साधनां, नाणीं, तांच्या पोरन्या जिविताचे कुडके.

म्हजे भितर जिज्ञासा खतखतताली. घरा भोंवतणी कांय पळोवंक मेळत काय अशें हांवें विचारलें.

पोरन्या शेतकी साधनां मदीं अर्दकुटो लिपून आशिल्ल्या एका कोनशांत म्हाका तें मेळ्ळें: म्हज्या स्पायक रोलराची ल्हान आवृत्ती.

ताका कितें म्हणटात तें किरापाक विचारतकच ताणें सहजपणान सांगलें: ''हो एक रोल. आमी शेताखातीर नवी जमीन तयार करतना ताचो वापर करतात.''

कुलूप लायिल्लें दार सट करून उगडलां अशें म्हाका दिसलें.

पोखरुचो रोल आनी ताची हस्तकला

पोखरुचो रोल हें मातयेंतले कडक दिपळे – फातर फोडपाखातीर, जमीन सपाट करून लागवडीखातीर शेतां तयार करपाखातीर तयार केल्लें शेतकी साधन.

गोंयांत ताका पोखरुचो रोल अशें म्हण्टात, जें कोंकणी उतर पोखरप ह्या उतरावयल्यान आयलां. ताचे प्रकारूय चड प्रमाणांत दिसतात.

गोंयच्या पलतडीं ती वेगवेगळ्या नांवान तो दिसता. महाराष्ट्रांत शेतकार ताका '' सुळका रोलर '' म्हणटात. कर्नाटकांत ताका ''कांटा रोलर'' अशें म्हण्टात. सुळका आनी कांटा ह्या दोनूय उतरांनी सुळे वा दांतांचें वर्णन केलां – मातयेचो घास घेवपाखातीर खातीर तयार केल्ल्या साधनाचें एक योग्य रूपक.

गोंयच्या ल्हान, पावसांत रोयतात त्या शेतांनी रोलराच्यो ल्हान आवृत्ती दिसतात, केन्ना केन्नाय बैलांनी ओडपाच्यो. खास करून भाताचे लागवडींत दिपळे मोडपाक आनी रोप लावचे पयलीं जमीन समांतर करपाक ते वापरतात.

मजगतीं, महाराष्ट्र आनी कर्नाटकांत ट्रॅक्टरान ओडपाचे व्हडले व्हडले स्पायक रोलर – कांय दोन मीटरांपरस चड रुंदायेचे – उंस, कापूस, रागी, दाळ, तेलबियां ह्या पिकांखातीर बियाणें लावपाखातीर जमीन तयार करतात. हे रोलर जमनीची ओलसाण दवरपाक, तण उणें करपाक आनी सुके जमनींतल्या शेतीखातीर म्हत्वाची फाटभुंय तयार करपाक मदत करतात.

रचणूक सादी पूण प्रभावी: वर्तुळाकार वा सरळ वळींत मांडिल्ल्या स्पायकांनी वा कांट्यानी सज्ज आशिल्लो तिख्याचो ड्रम, जो कडक धर्तरेचें रुपांतर लागवडीखातीर तयार कुणग्यांनी करपाक सक्षम आसता.

फकत लोखण आनी लांकूड न्हय

आयज गोंय चित्रांतल्या पोखरूच्या रोला मुखार उबो रावतना तो फकत एक अनामिक लोखणाचो कुडको दिसना.

ताच्या कांट्यांचेर चिकटून आशिल्लो सुको चिखल म्हाका दिसता – केन्ना तरी पिकां खातीर तयार केल्ल्या शेताची याद. गोंयचे परंपरेचे कुडके राज्याची शीम हुंपून, हेर कडेन वर्तमानांत आनी फुडारांत ना जावंक शकतात अशीं साधनां आनी उतरां सांबाळून दवरपी कुटुंबां कशे म्हाका दिसतात.

म्हज्या संग्रहालयांत दरेक वस्तूक एक नांव आनी एक आत्मो आसा. तीं नांवां वळखुन घेतना आमी खूब कितें वळखून घेतात. आमी विसरून गेल्लो इतिहास परत मेळयतात आनी लोक आनी तांच्या जमनी मदीं अदृश्य पूल परत बांदतात.

पोखरुचो रोल आतां ओगी ना. फकत शेतवडी विशीं न्हय, पूण लवचीकपण,थळांतर,माती आनी अस्मिताय हांचे मदलो टिकपी संबंद हांचे विशीं काणयो सांगीत तो गोवा चित्रांत उबो आसा.

❑



आणिबाणींतली शिस्त

दामोदर घाणेकार

भारतांतली आणिबाणी हो जायत्या जाणांक एक दुश्ट काळ. जायत्या हेर जाणांक तो प्रीय विशय. देशांतल्या चडांत चड लोकाक बऱ्याक पडिल्लो तो काळ.

देशांत आणिबाणी पयले फावटीं 25 जून 1975 चे मध्यानरातीं लागू जाली. रातयां मुखेल अश्या विरोधी पक्ष फुडाऱ्यांच्या आनी वांगड्यांच्या सांगातान राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाच्याय वांगड्यांकूय भितर उडयले. जायतो तेंप भारत अस्थीर कसो जायत आशिल्लो आनी अराजक मातूंक लागलां अशी परिस्थिती निर्माण जाल्ली.

म्हणून आद. सिद्धार्थ शंकर राय ह्या हुशार मनशाच्या सल्ल्याक लागून प्रधानमंत्री इंदिरा गांधी हांणी देशांत आणिबाणी लागू केली.

आणिबाणी आयिल्ल्यान देशभर शिस्तीचें वातावरण निर्माण जालें. कचेऱ्यो वेळार चलूंक लागल्यो. बशी वेळार धांवूंक लागल्यो. शेजाऱ्याल्या सुण्याच्या सोंडार लेगीत muzzle आयलें. Press censorship लागू जाली. गोंयकारांक असल्या सेन्सुराची संवय आशिल्ली. पूण हेर भारतीयांक नाशिल्ली. तें सगल्यांक एक muzzle कशें जाणवलें. सुण्याच्या मुस्कटाक घाल्लें आडावण कशें. पूण उलोवप्याक बंदखणींत उडोवप सरकाराक सहज जमतालें. कारण, मानवाधिकार निलंबीत जाल्ले. अशें आसुनूय सगल्यांक सूख, समाधान, बी आशिल्लें कारण सगले कडेन शिस्तीचें वातावरण आशिल्लें. सगल्यांक म्हणजे सर्वसामान्य जनतेक....

हाची एक प्रचिती म्हाका आयली. तेन्ना हांव कॉलेजींत. चवथीच्या दिसांतली खबर. चवथीचें

वजें पावोवपाक हांव मडगांवां भयणीगेर गेल्लों. भायर सरतासर तिनसांज जाली. बशीन पयलीं कुट्ठाळे आनी फेरिबोटींतल्यान आलतडी येवन पणजेचे बशींतल्यान आयलों.

पणजे पावतासर रातचीं आठ वरां जालीं. वाटेर बस लोकांक देंवयत आयली. कालाफूर काडून जातकच पयल्या व्होल्तार जाणें पयशे घेतिल्ले तो फाटल्या दाराचेर उबो रावून सिगार ओडूंक लागलो. त्या गणभेस नाशिल्ल्या मनशाक कण्डक्टर कित्याक म्हणप? फक्त पयशे घेतिल्ले म्हणून गोंयांत हे बाबतींत तरी शिस्त येवंक नाशिल्ली, कारण महाराष्ट्रवादी गोमंतक (मगो) पक्षाचें सरकार आशिल्लें आनी शशिकला काकोडकार मुख्यमंत्री आशिल्ल्यो. सोडात. कशेंय आसूं, बशींनी शिस्त फक्त दिखावे के लियेच आशिल्ली.

सिगाराच्या धुंवराचो म्हाका त्रास जाता. पूण वेळ रातचो, आनी रातच्या वेळार काणाक्टर चडशे पियेल्ले आसतात. हांव 20 (वीस) वर्सांचो पोरांटो. बशींत पणजेच्या पोस्ट ऑफिसा सामकारच्या बसस्टॅण्डार देंवपी चार काय पांच जाण. दिसाची बस गच्च भरिल्ल्या वेळार आवाज वाडयल्यार कोणूच सहप्रवाशी तेंको दिना आनी आतां जाल्यार रात जाल्ली आनी सहप्रवाशी चार-पांच.

तरी आसतना धिटायेंतली धिटाय भायर काडून सिगार ओडटल्याक ल्हवू विचारलें, ''आरे, देशांत कितें चल्लां तें जाणा मरे तूं?''

म्हज्यांतल्या एकल्यान दबिल्ल्या आवाजांत म्हणलें, ''हय हय, Emergency चल्ल्या.''

अशें ताणें म्हणलां मात्, आत्तां पेटयिल्लें सिगार सोमतेंच भायर!! हो चमत्कार न्हय जाल्यार कितें? लोकशायेंत हें घडत आशिल्लें? केन्नाच घडचें नाशिल्लें. घडनाशिल्लें असोच म्हजो अणभव!!

अशेच तरेची एक गजाल पुर्तुगेजा काळार घडिल्ली. कोणें सांगिल्ली तें याद जायना. चड करून कोणाय तरी एका निवृत्त पुलिसान काय दिसता. पूण गजाल खरी हाका दुसऱ्या एकल्यान पुश्टी दिली.

पणजे एका कोनशाक, चड करून आझाद मैदानाच्या एका कोनशाक, एक सिनालेर उबो आशिल्लो. (सिनालेर म्हणजे वाहनांक हात दाखोवपी पुलीस). एके वटेंतल्यान एक खाजगी वाहन आनी समोरच्यान गोव्हेर्नादोराची गाडी अशीं वाहनां ताचे दिशेन येवंक लागलीं. जें वाहन लागीं पावलां ताका पयलीं वचूंक दिवप हो नेम आनी common sense य बी.

खाजगी वाहन लागीं आशिल्ल्यान सिनालेरान ताका पयलीं वचपा खातीर हात दाखयलो. पूण राज्यपालाच्या शोफेराक मातशें कूर्र जालें. तेन्ना सायरन नासतालो पूण गाडयेक मुखार लायिल्ल्या बावट्या वयल्यान राज्यपाल भितर आसा म्हणपाचें कळटालें. (हे गुवाड्डे लोकशायेंत आमकां बावटो जाय, सायरन जाय आनी मुखार पुलिसांची आनीक एक गाडी जाय). बावटो हो हुद्द्याक लागून आसताच. पूण अमेरिकेचो राष्ट्राध्यक्ष लेगीत सायरन वापरिना थंय हीं भारतांतलीं बुजगावणीं राज्य आपल्या बापायचें बेंस जाल्ले भशेन वावुरतात.

जेन्ना गोव्हेर्नादोराची गाडी आडावन दुसरेक सोडली तेन्ना तिडकीन ताणें गाडी मुखार घेतली. (आतां गाडयेन सिग्नल तोडीत जाल्यार गोंयांत ₹500/- दंड पडटा. दुसरे फावटीं ₹1500/- दंड जाता). गाडी मुखार आयली म्हणून त्या सिनालेरान भेंडाचें पिश्तोल काडून गाडयेचो टायर फोडलो.

आतांचे लोकशायेंत ताचें कितें जावपाचें? ताका पेजेक लायतले आशिल्ले काय ना? दुसऱ्या दिसा गोव्हेर्नादोरान ताका आपोवन व्हरून बडटी (promotion) दिली.

आसा तुमचे लोकशायेक थोडी तरी लज

ही अशी व्यक्ती कोण म्हणून सोद घेत रावलों. एक दीस एकल्यागेर गेल्ल्या वेळार ही गजाल ताका सांगतकच म्हज्यांत बशिल्ल्या ताच्या बापायन म्हणलें, ''आंवंय! तो भोबो मरे. हांगाच फाटल्यान मळ्यांत रावतालो.'' ''भोबो? हिंदू?''

''आरे, हय सायबा, हिंदू.''

राज्य क्रिस्तांवांचें आशिल्लें. एके वटेन गोव्हेर्नादोर जाल्यार दुसरे वटेन बिश्प ह्या दोगांयची सत्ता आशिल्ली. तरी आसतना, कोणाय हिंदू मनशाक फावता जाल्यार ताका तें मेळ्ळें. धर्माक लागून पुर्तुगेजांनी तुमचे भशेन चोंबडेपणां केलीं नात.

कारण, त्या राज्यांत कडक प्रशासन आनी खर शिस्त आशिल्ली. खंयच पक्षपात आसनाशिल्लो.

अशें आसत जाल्यारूच राष्ट्र मुखार पावता!! नाजाल्यार आसात आमी जय श्रीराम करीत गायचें मूत पियेत...!!

❑

सहज याद जाली

संकलन : जतीन नायक

एप्रिल 1945... दुसरें म्हाझुज निमाण्या पांवड्यार आशिल्लें.

युरोप जळटालो. शारां भूंय भरवण जातालीं.

आनी ह्या सगळ्या मदीं एक शार उबें आशिल्लें... बर्लिन.

भायल्यान फारपेट जाताली. लोक जमनीपोंदा आशिल्ल्या बंकरांनी लिपून आशिल्ले. पूण अजापाची गजाल म्हळ्यार त्या निमाण्या दिसां मेरेन लेगीत जायत्या जर्मन नागरिकांच्या काळजांत एकूच विस्वास आशिल्लो... ''हिटलर अस्तित्वांत आसा... तो कितें तरी करतलो.''

हो समज न्हय, तर कट्टरता आशिल्ली.

अनेक वर्सां सावन दिसाळीं, रेडिओ, पोस्टर, फिल्मां... जर्मनींतली सगळीं माध्यमां एकूच सांगतालीं... हिटलर होच तारणहार.

''तो सादो फुडारी न्हय... एक अवतार जो जर्मनीक परत व्हड करतलो.''

ताचें चित्र भुरग्यांच्या पाठ्यपुस्तकांनी आशिल्लें... ताचे फोटो दरेक घरांत आशिल्ले.

शाळेंत भुरगीं हात उबारून ताच्या नांवाचो सोपूत घेतालीं.

प्रचार इतलो प्रभावी आशिल्लो देखून जायत्या जाणांक खरेंच दिसलें...

''हिटलर अस्तित्वांत आसा, देखून जर्मनी केन्नाच हारूंक शकना.''

बर्लिनांत इमारतींचेर आशिल्ल्या हिटलराच्या पोस्टरां मुखार लोक थांबताले... तोपयो काडटाले... ओगी उबे रावताले. जशे ते देवळाक भेट दितात. जोसेफ गोबेल्स हाणें हिटलराक देवाचो अवतार केल्लो.

लोक ताच्या मोगांत आशिल्ले, तो फकत फुडारी न्हय...

तो तांचो भावार्थ, तांची आशा, तांचो देव.

हिटलर स्वताय ह्या भ्रमाखाला आशिल्लो.

20 एप्रिल...हिटलराचो 56 वो वाडदीस.

तो निमाणे खेपे फ्युररबंकरांतल्यान भायर सरलो.

सकयल उबे आशिल्ले 12-14 वर्सां पिरायेचे भुरगे... भियेल्ले, पूण अभिमानान थरथरताले.

हिटलरान तांचे पोले सांसपिले, लोखणाचो खुरीस दिलो आनी म्हणलें...

''तुमी म्हजे धाडसी सैनिक.''

भुरग्यांनी रशियन टँकांक तोंड दिवपाचो सोपूत घेतलो.

पूण फुडल्या कांय दिसांनी सोव्हिएत तांबडें सैन्य बर्लिनाच्या भायल्या वाठारांत पावलें.... तें शारा भोंवतणीं आशिल्लें.

नाळींचे स्फोट, जळपी इमारती, मोडिल्ल्या इमारतींच्या राशीं खाला शिरकुन उरिल्ले लोक...

आनी तरी लेगीत रेडिओचेर प्रचार चालूच आशिल्लो.... ''जर्मनी जिखता, दुस्मानाक फाटीं धांवडावन घालतले.''

बर्लिनाच्या रस्त्यांचेर लोक म्हणटाले,...

'फ्युरर जिवो आसा... तो अद्भुत शस्त्रां हाडटलो... एक चमत्कार जातलो!''

प्रचारान तांचे दोळे बंद केल्ले,

तांबडें सैन्य शारांत भितर सरता आसतना लेगीत ते म्हणटाले...

''कांयच जावंचें ना... हिटलर हांगा आसा!''

मागीर दुख्खाचो शेवट आयलो... तांबडें सैन्य बर्लिनांत भितर सरलें.

प्रचारांत म्हणिल्लें: ''रशियन आयले जाल्यार नरक येतलो.'' आनी खरेंच तो नरक आयलो.

वर्सां सावन स्वताक अजेय समजून घेवपी आतां पुरायपणान असहाय्य जाले.

घरां फोडून...लुटलीं....फकत बर्लिनांतच एक लाखां परस चड बायलांचेर बलात्कार जाले. पुराय जर्मनींत 20 लाखांमेरेन बायलांचेर बलात्कार जाले. घरांनी, तळघरांनी लेगीत. तीं खंयच सुरक्षीत नाशिल्लीं.

कांय बायलांनी स्वताचो जीव घेतलो,

कांय जाणांनी आपल्या भुरग्यांक ''शुद्ध'' उरपा खातीर जिवेशीं मारलीं.

डेमीन सारक्या गांवांनी हजारांनी लोकांनी सामुहीक आत्महत्या केल्यो... न्हंयत उडयो मारल्यो,

विख पियेले... जायतीं कुटुंबां एकठांय मेलीं.

''रशियन येवपा परस हें बरें.''

हिटलरा मुखार सोपूत घेतिल्ल्या त्या ल्हान भुरग्यांक सोव्हिएत टँकांनी वरां भितर चिड्डून उडयले.

''आमी संवसाराचेर राज्य करतले'' अशें म्हणपी आतां भंयान थरथरून बंकरांनी बसले.

जर्मनीचो व्हड फुडारी बर्लिनांतल्या बंकरांत बसून आशिल्लो.

तो नकाशाचेर बोट भोवंडायत अस्तित्वांत नाशिल्ल्या सैन्याक आदेश दितालो.

इतिहास ताका व्हड करतलो, अशें ताका अजूनय दिसतालें.

कांय दिसांनी ताणें आत्महत्या केली.

आनी हजारांनी लाखांनी लोकांचो भावार्थ खिणाभितर खंडीत जालो.

झूज सोंपलें.

कांय वर्सां उपरांत....

बर्लिन परत उबें रावलें... जर्मनी परत उबो रावलो.

पूण एक गजाल सदांखातीर बदलली. आयच्या जर्मनींत हिटलराचें नांव लेगीत सांगपाक लोकांक अस्वस्थताय दिसता.

ताची प्रतिमा खंयचेय सुवातेर दवरप सोडूनच दियात...

ताची तोखणाय करप लेगीत गुन्यांव मानतात..

कारण त्या देशान एक गजाल खूब कश्ट करून शिकल्या....कुड्डी भक्ती सदांच नाशांत सोंपता.

प्रचार सतत चालू उरिल्लो...फुडाऱ्याक देव केल्लो...

प्रस्न विचारप देशद्रोह... जाल्यार एक दीस पुराय समाज वास्तवा कडल्यान पयस वतलो.

आनी मागीर जेन्ना सत्य दार फोडून भितर सरता...तेन्ना ताचें मोल खूब भयानक आसता. बर्लिनान तें मोल फारीक केलें.

इतिहास हो फकत भूतकाळ न्हय.

तो एक हारसो.

प्रस्न असो आसा...आमी तातूंत स्वताक पळोवपाक तयार आसात?

❑

काणीकणी : भावोजी–परीणती

दादा हेगडे

अदीक म्हयनो लागूं वा ना लागूं, लग्नाचो म्हूर्त सोदून लग्न सुवाळो जाताच.आदीं हिंदू समाजांत ह्या सुवाळ्या पासत म्हूर्त पळय, रांदपी सोद, देवूळ, हॉल, वाजंत्री आरक्षीत कर असले ना ना तरेचे उद्देग चड करून येजमानाक करचे पडट्टाले. आता तें तशें ऊरूंक ना, फक्त हातांत स्मार्ट फोन (हांव ताका ''इलेक्ट्रोनिक कोलीत'' म्हणटा) आसल्यार पुरो. हयो सगळ्यो गजाली घरांत बसून बोडाक कसलोच त्रास दिनासतना करूं येतात. पावला पावलाक दिसपी खंयच्याय ''सुवाळो वेवस्थापन'' (इवेंट मॅनेजमेंट) आस्थापनाक फक्त एक ''कॉल'' केल्यार पुरो. ते वयर सांगिल्ल्या सगळ्या गजाली वांगडा न्हवरो व्हकलेचें न्हाण धरून लग्ना उपरांत तांकां एकठांय य न्हीदय मेरेनचे सगळे सरंजाम सांबाळून घेतात. जाय तो फक्त दुडू आनी तो सदळ हातान मोडपाची तांक!! असल्या वगतार दुडू आशिल्ले जाय तशे ते मोडटा आनी दूडू नाशिल्ले ताचें अनुकरण करून रिणानी बुडटा!! मात मोडिल्ले आनी बुडिल्ले दोगूय चूक नासतना ह्या सुवाळ्याचें ''रिळ'' करूक विसरनात. आनी त्या सुवाळ्याचें भौशीक प्रदर्शन सोशल मिडिया वरवी जगार मांडटात. आतां लग्न सुवाळ्याच्या आपोवण्याचे पत्रिकेचेर ''कार्य सिद्धीस नेण्यास ''श्री''च्या जाग्यार अमुक ''सुवाळो वेवस्थापन'' समर्थ आहे इतलेंच छापपाचें उरलां !!हे रीतीन प्रस्थापित ''भाभी–भावोजी''च्या लिस्टांत नवे जोडयेची भर जाता. भौ. पुरुषोत्तम गोविंद सिंगबाळ हे गोंय आकाशवाणी केंद्रावेले नामनेचे निवेदक, तशेंच एक खापे कलाकार. म्हज्या भुरगेपणांत सप्तकाच्या आयतारा दीस गोंय आकाशवाणीर ''फोडणी फोव'' हे कार्यावळींत 10 ते 15

मिनटांचें उलवप आसतालें. हांव म्हज्या घरच्या वांगडा सिंगबाळाले ते कार्यावळींतलें उलवप चूकय नासतना आयकतालों. ताणें एक फावट ''भावोजी'' ह्या पात्रा विशीं उलवप केल्लें.

घरांनी टेलिविजन पावच्या आदीं रेडियो होच मनरीजवणीचो मुखेल साधन कसो आशिल्लो. टि वी न (टेलीविजनाचे शॉर्ट फॉर्म) ज्या दिस घरानी पावल घालें, रेडियो कुशीक पडलो. आदी ''ब्लॅक अँड व्हायट'' आनी त्या उपरांत रंगीत अश्या पावंड्यानी टि वी चें घरानी आगमन जाल्लें. पळवंक गेल्यार ''ब्लॅक अँड व्हायट'' हे लेगीत दोन कोर. पुण रंगीत टि वी चे प्रतिश्ठे पासत तांका सदाच वेगळे कोर कशे मानल्यात. ''मानव अधिकार चळवळ्यानी केन्नाच तांचेर जाल्या ह्या अन्यायाचेर आपले मत उक्तावना वा आवाज उठवंक ना. म्हाका मात ''ब्लॅक अँड व्हायट टी वी '' आनी ''रंगीत टी वी'', ''ब्लॅक अँड व्हायट सिनेमा'' आनी ''रंगीत सिनेमा'' अशें वाचल्या उपरांत, इतिहासांत शिकयल्ल्या ''काळ्यांनी'' ''धव्या'' आड केल्ल्या संघर्शाची याद जाता. थंय मात उरफाटें ते धवे लोक काळ्यांक ''कलर्ड'' म्हणी!! अशी ही टी वी घरांनी शिरकतना जिवान बरी सणसणीत आशिल्ली. मजगतीं सगळ्या गजालींनी बारीकसाणेचें फॅड आयलें. गजाली जितल्यो बारीक तितल्यो चड बऱ्यो अशें मानपी पिळगी आयली. ''जेन झी' निकतीच वयांत येताली. आनी सणसणीत आशिल्ली टी वी ''स्लीम'' जायत गेली. फुडे तें फॅड मोबायल फोनाच्या आंगलटीक लागू जाले. बारीक शीडशीडीत सुंदरकायेची उर्बा ताणीं जागतिक बायलांच्या सौदर्य सर्ती सावन घेतल्या जाव येता. थंय शिडशीडसाणेक खूप म्हत्व दितात. खावन पिवन ''धश्ट-पुश्ट'' बायल मनीस हीच घराची खरी लक्ष्मी. असल्यो सौदर्य त्यो सर्ती मानून घेनात. आनी जर फुडें ताणीं केन्नाय हें मनार घेत, तर भारताचें नांव असल्या सर्तिनी अग्रस्थानी आसतलें. आमी कितलेय कोटीच्या कोटी रुपये ''स्वस्थ भारत अभियाना'' खाला जरी मोडले तरी संतुश्ट नारीचे मानसिकतायेत बदल जावंक बरोच वगत लागतलो हें न्हयकारूं नज.

''आयज म्हाका फाल्यां तुका'' म्हणटात तें फट न्हय. आता टी वी कुशीक दवरून सगळे मनरीजवणीचे कार्यक्रम जण एक आपल्या मोबायलाचेर ''ओवर द टॉप'' म्हळयार ओटीटी मार्फत पळवंक लागल्यात. हें सगळे विस्कटावचें कारण रेडियोच न्हय तर त्या उपरांत आयिल्ल्या सगळ्या गजालींक पर्याय आयले. आयच्या संवसारात कसलीच गजाल शास्वत उरना हें खरे. सोडून, भुरग्याक आवय बापायन दवरिल्लें पाळण्यांतलें ''शास्वत'' नांव. आता तें लेगीत ताका जायत तर ताणे बदलूं येता. कोणाकुय नांवां दवरप जितलें सोपे आसता तितलेंच नांव जोडप कुस्तार. ह्याच पासत आवय बापायन दवरिल्ली नांवां बदलपाची हालीं सरा मोद आयल्या. नांव बदलप हीं सुदारील्ली पुरोगामीपणाची लक्शणां अशेंनांवां बदलपी मानतात.

सिंगबाळाल्या त्या उलोवपांतलो ''भावोजी'' म्हजे आवडीचो. आदीं शाळेंत मास्तर वा बाई शिकपी भुरग्यांक तुमी फुडाराक कोंण जावपाचें चिंतलां वा तुमचें मुखावेलें ध्येय कितें असलें प्रश्न विचारी असो उल्लेख सिंगबाळाल्या भावोजी ह्या उलोवपांत आयला. आतांचे शिक्षक तें विचारपाचे धाडस करीत अशें दिसना. आनी चुकून कोणे बापड्यान जर केलें तर, ''तुज्या बोडार तें कोणे दिलां?'' अशी जाप विचारीत भुरग्यांचे आवय बापुय शाळेंत येवन थाण मारतले. कारण आता भुरग्यांनी फुडे कोण जावप हें तांचे आवय बापुय थारायतात. भुरग्यांक ती मेकळीक आसना. त्या पासत तें तांका ''इस्पिसियाल'' क्लासानी घालतात. उपरांत ती भुरगी आपलें स्वताचें ध्येय सोडून आवय बापायलीं अर्दकुटीं उरिल्लीं सपनां पुराय करूंक धडपडटात. आज शाळा ही फक्त निमित्याक उरल्या! फुडें तो

''भावोजी'' ही एक संस्था अशें म्हणटा. तें मात लेगीत फट न्हय. आज तर ही संस्था दिसपट्टे जळीमळी सगळ्या वाठारांनी पातळील्ली दिसता. समाजांत भोंवतना आपले भवतीं नदर मारली तर हे संस्थेतलो एक तरी भावोजी आपट्टाच! आदीं जावंय वा भावोजी मावोडया येवपाची कळवणी चीट बरोवन वा रकाद धाडून जाताली. आतां ते कळवणेक ''ई-रकाद'' म्हणटात. मॉबायलावेल्या ''व्हॉटस ॲप'' वरवीं ती सगळ्यांक पावता. तो लेगीत लग्न जावच्या आदीं ''चिवू-कावू की शादी'' वा ''चिवू वेडस काउ'' अश्या नांवांनी तयार जाल्ल्या कुटुंबीक पंगडावेल्यान वता. भावोजीचो जागो आता ''जिजून'' घेतला. आनी जिजूचें मावोडया येवप आतां अप्रूप अशें उरूंक ना. कारण लग्ना आदींच हे जिजू आपल्या ''चीवूक'' लॉन्ग ड्रायवार व्हरूंक जायते फावट तिच्या घरा यो-वच करीत आसतात. तो सामको घरचोच कसो जाता. आपलें उलवप सोंपयतना सिंगबाळान भावोजीचे सरबरायेंत बदल जायत आसा अशी एक ल्हान झलक दिल्ली. ती आतां पूरायेन खरी जायत आसा. कारण हालीं इस्पेशाल चिक्र-पिरीची जागा चिल्ड मादक पिवपांच्या ''क्रिस्टल्ड'' ग्लासांनी घेतल्या. बटाटा भाज्ये जाग्यार ''चिकन'' आयलां आनी हुमणाची '' प्रॉन्स'' करी'' जाल्या. वांगडा खावपाचीं खाणां लेगीत सगळ्यांनी ''चियर्स'' करून जाल्या उपरांत कोणा कडसून ''इन्स्टंट'' मागोवन घेतिल्लीं आसतात. कोणे तरी कोणा पासत खास अशें काय राखी नासतना रांदिल्लीं ! बेस्टोच ''भाव'' खावपी भावोजीची सुवात ''एनरजेटीक'' जिजून घेतल्या. आदल्या त्या भावोजीक आता भाव ऊरूंक ना. असल्या ह्या सगळ्या सुवाळ्याचे सोशल मिडीयाचेर घोळूंक खास ''रीळ'' तयार जाता. एका वेळार गांव आनी वाड्या पुरती जावपी भावोजीची अपूरबाय आता ''रीळा'' वरवीं जगभर पातळटा.

एक गजाल खरी आयज लेगीत बदलूंक ना ती ''भावोजी संस्थेची'' मानसिकताय. जांव ते आदले भावोजी वा हालींचे जिजू, आपले जाल्ल्ले हे सगळे लाड रीळकऱ्यानी जगार घाले म्हण मात लेगीत अनमननात. वेल्यान ते खुशाल जातात. बदल हो जायच पुण मूळ विसरून नज अशें म्हणटात तें फट न्हय!!!

❑

। वर्णमुद्रा पब्लिशर्स ।

(वर्णमुद्राची अलीकडची प्रकाशित २२ पुस्तके)

९३) वीर जन्मला त्याची गोष्ट, शलाका घैसास, १००/-, बालवाङ्मय
९४) घरी जाता जाता, शलाका घैसास, १००/-, बालवाङ्मय
९५) यशवंत मनोहर ह्यांचे ललित वाङ्मय, डॉ. अनिल नितनवरे, ९२५/-
९६) झाडाची कविता, जितेंद्र कुंवर, ३५०/-, कविता
९७) झेन्नाच्या कविता, दिनकर मनवर, ३५०/-, कविता
९८) सायंवळ, जयश्री दाणी, ४२४/-, कविता
९९) जीवीचे जिवलग, हेमंत गोविंद जोगळेकर, ३७५/-, चरित्रपर लेख-टिपणे
१००) मृत्युपत्र, पंकज कुरुलकर, ६५०/-, कथासंग्रह
१०१) पल्याडी भाषा अल्याडी जीवने, पुरुषोत्तम देशमुख, २७५/-, लेख-टिपणे
१०२) समज-उमज, कल्पना मलये, १७५/-, कविता
१०३) ऋतुसमिधांच्या आर्द्रा, संतोष विठ्ठल घिसिंग, ४२४/-, कविता
१०४) अवतीभवतीची माणसं, संजय इंदुरकर, ४१५/-, लेख-टिपणे
१०५) भाषा, पंकज कुरुलकर, ४५०/-, कथा
१०६) ख्रिस्तायन, नारायण वामन टिळक-लक्ष्मीबाई नारायण टिळक-देवदत्त नारायण टिळक, संपा. डॉ. अनुपमा निरंजन उजगरे, ११११/-, खंडकाव्य
१०७) श्री. दा. पानवलकरांचे कथाविश्व, डॉ. कल्पना निशाणदार, ७५०/-, समीक्षा
१०८) अजूनही वेळ गेलेली नाही, सुरेश खोब्रागडे, ४००/-, कविता
१०९) मोहोळ, प्रवीण बर्दापूरकर, ४३५/-, व्यक्तिचित्रे
११०) नामशेष झालेल्या गोष्टी, पांडुरंग सुतार, ३५०/-, कविता
१११) अरुंद, जी.के.ऐनापुरे, ७५०/- पेपरबॅक १२५०/- डिलक्स, आवृत्ती सिनेसमीक्षा,
११२) सेनेकाची पत्रे, दीपक प्रधान, ५००/-, अनुवादित पत्रे
११३) Culture and Literature, Dr. Sudhir Rasal, Translation - Surendra Darekar, 3400/-, Criticism

---

मुख्य वितरक : वर्णमुद्रा पब्लिशर्स व डिस्ट्रिब्युटर्स शेगाव, जिल्हा बुलढाणा मो. : ९९२३७२४५५०

उपवितरक : १) पुस्तकवाला ॲण्ड कंपनी, पुणे मो. : ८६२४९७७०२९
२) मैत्री पब्लिकेशन, पुणे मो. : ९६५७२४०८२४
३) वाल्डन बुक स्टोअर, पुणे मो. : ९७६६९७५१६५
४) बुककट्टा अमरावती, मो. : ८३७८८९५९१६

मुख्य कार्यालय : वर्णमुद्रा पब्लिशर्स, पृथक, रामकृष्णनगर, शेगाव, जिल्हा बुलडाणा ४४४ २०३
E mail : varnamudra.editors@gmail.com Website : www.varnamudra.com Mo. : 9923724550

संजना पब्लिकेशन्सचीं नवीं प्रकाशनां



मोल : ₹ 450/-

मोल : ₹ 180/-



मोल : ₹ 300/-



मोल : ₹ 350/-

मोल : ₹ 200/-

मोल : ₹ 150/-

आमचीं पुस्तकां

• **संजना पब्लिकेशन्स,** 39, दत्तवाडी, सांगें, गोंय. 403 704
sanjanapublications2@gmail.com मोबायल : 9552551425
• **गोवा कोंकणी अकादेमी**
आनी • **Amazon.in** चेर मेळटात

वर्णमुद्रा इ नेमाळ्याचो हो एप्रिल–मे–जून 2026 चो अंक मालक, मुद्रक आनी प्रकाशक मनोज सुरेंद्र पाठक हाणीं वर्णमुद्राचे वेबसायटीचेर उजवाडायला आनी अंकाची मुद्रित प्रत रामकृष्ण सोसायटी, एस बी आय कॉलनी, दत्त मंदिरालागीं, शेगाव, जिल्लो बुलढाणा (महाराष्ट्र) हांगासावन खासगी वितरणाखातीर उजवाडाक हाडल्या.

ईमेल : varnamudra.editors@gmail.com **वेबसायट :** http://www.varnamudra.com/

मुख्य वितरक
वर्णमुद्रा पब्लिशर्स व डिस्ट्रिब्युटर्स, शेगाव, मोबायल नंबर : 9923724550
वर्णमुद्रा इ नेमाळ्याच्या मुद्रित प्रतींचें आनी पुस्तकांचें गोयांत वितरण जाता.
संपर्क : दिनेश मणेरकार, मोबायल नंबर : 9552551425